8176
Short-Stories
Dev
VAM

मिरास

वामन गोविंद टाकेकार

KONKANI BHAS ANI SANSKRITI PRATHISTAN (R) ★ No. 1c Konkani Centre, Konkani Gao, Sha..tinagar, Mangalo.. 575 015.
8176 Short Stories / Dev VAm

जैत प्रकाशन

शणै गोंयबाब महोत्सवाचें अस्मिताय वर्स

मिरास (कथासंग्रह)

* वामन टाकेकार

Miraas (A collection of Short Stories)

* Vaman Takekar

® सौ. वीणा वामन टाकेकार
त्रिवेणी अपार्टमेंट, बेतोडें रोड,
सिल्वानगर, फोंडें - गोंय.

*

प्रकाशन क्रमांक : १२

*

पयली आवृत्ती : २००३

*

छापपी : सह्याद्री ऑफसेट सिस्टम,
खोर्ली - गोंय.

*

मुखचित्र : अजय कोठावळे

*

प्रकाशक :
जैत प्रकाशन
३३६/११ कोरलीम,
इल्हेश- गोंय ४०३११०
फोन : २२८४६३७

*

मोल : ८०/-

हें पुस्तक गोवा कोंकणी अकादेमीच्या 'पयलो चंवर' अनुदान येवजणे खाला छा

ISBN81-86487-99-X

खंयचेंय लिखाण वाचनीय करपाक
तांतूतले बारकावे कशे सांबाळपाक
जाय हाची कळाशी जाणें म्हाका
शिकयली त्या म्हज्या भावाक बाब
हरी गोविंद टाकेकार हांकां हें
पुस्तक ओपतां.

- वामन गोविंद टाकेकार

हांव घडलो तो असो....

बेतूलच्या धव्याफुल रेवेंत लोळून खेळून व्हड जाल्लो म्हजो पींड. पदवीधर जातकूच पोटा पाण्याच्या भकीक पडून मिनाच्या काळ्या मातयेंत घुस्पून पडचो पडलो. थंय वळवयच्या तांबडे मातयेकडेन लागीचो संबंध आयलो आनी थंयच म्हज्या मनातल्या साहित्यीक झाडाक कोमऱ्यो आयल्यो. म्हज्या जिणेत उगडास करपा सारखें जें वेंचीक खीण आसात तातूंतले चडशे वळवयतूंच घडल्यान म्हटल्यार अतिताय जावची ना.

आपणाक आयिल्लो एखादो अणभव कागदाचेर बरयले बगर साहित्यिकाच्या मनाक सुसेग मेळना अशें म्हणटात. घड्ये हाडाच्या साहित्यिकांक अशें जाता जावये. पूण हांव बरोवपाक लागलो तो फुकटो वेळ कसोतरी, खंयतरी वापरूंक जाय म्हणून. सुरवातीक हावें जें बरयलें ते फकत मजेक कशें. हांव काम करतालो त्या कंपनीच्या कामाच्या वेळांत, कंपनीची कागदां-पेनां (रिफिली) वापरून. ह्या कामांत म्हाका म्हज्या सांगात्याचोंच भोव पालव मेळ्ळो हें मुजरत सांगपा सारखी गजाल म्हणून तर म्हजें बरोवप सुसेगाद चलतालें. फुडें जेन्ना म्हज्यो कथा, एकांकीका आकाशवाणी, पणजी केंद्रावयल्यान प्रसारीत जावपाक लागल्यो, कुळागर अंकांनी छापून येवपाक लागल्यो आनी ताका लागून चार-चौगा कडल्यान तोखणांय आयकूंक येवपाक लागिल्ल्यान हावें मन लावंन बरोवपाक

सुरवात केली. म्हुणून तर बाब तुकाराम शेट, बाब वसंत सावंत, बाब विठ्ठल आवदियेंकार, बाय जयंती नायक हांच्या वांगडा सर्त करून कुळागर कथा सर्तिनी इनांमां जोडपाक पावलों. पुण लिखाणाच्या मळार फुडें सरपाक मनन, चिंतनाची जी गरज आशिल्ली थंय हांव कमी पडिल्ल्यान साहित्यीक मळार खुब फाटी पडलों. म्हुणून तर, म्हज्या वांगडच्या हेर साहित्यीकांची जायती पुस्तकां प्रकाशीत जालीं पुण म्हजी फांतोड ह्याच कथा झेल्यान जाता थंय आसा. तेंय बी बाब भिकू बोमी नायक हाणें भर घेतली म्हुणून. घडटा जायते फावट अशें. कारण खाजगी कंपनीत जसो हुद्दो वाडटा तशी कामाची जापसालदारकीय बी वाडटा आनी छंद म्हुणून सांबाळिल्ल्यो जायत्यो गजाली विसरायेर पडटात. देखून लिखाणांत हांव सातत्य दवरूंक पावलो ना हाची खंतवूंय भोगता.

आयलें तशे गायलें म्हणटात तसली म्हजी गजाल. सरभोवतणी जें दिसलें, जें अणभवलें, जें भोगलें, तातूंतलें जें बरोवचेशे दिसलें, ते हावें तश्शें बरयलें, व्याकरणाक मात भियेनासतना. पूण बरप जेन्ना पुस्तकाच्या रुपान उजवाडाक येवपाचें आसता तेन्ना ताका व्याकरणाचे नेम ज्युस्ता ज्युस्त लागू करचे पडटात. सुरवातीक बाब प्रकाश नायक हाणें म्हाका म्हज्यो कथा निवळावपाक खूब मदत केली. उपरांत बाब भिकू नायक हाणें त्यो कथा निवळावंन छापून हाडपाचो वावर करुन म्हाका उपकारांत दवरलो.

खंयच्यांय क्षेत्रांत फुडें वतना त्या क्षेत्रांतल्या एखाद्या म्हालगड्याचो तेंको मेळ्ळो जर जायत जाल्यार ताच्या सारखें, भाग्य दुसरें ना. हो तेंको म्हाका फाव जालो बाब पुंडलीक नायक हाच्या कडल्यान. कोंकणी चळवळीत म्हजे गुण आनी दोष हांच्या सकट बाब पुंडलीका इतलो बरो म्हाका कोणूच वळखना.

एक ल्हानशी सांगपा सारखी, गजाल म्हळ्यार १९७८ वर्सा

वळवय - सातेरीभाट हांगां वासंतीक साहित्य मेळ ह्या कार्यावळीत हावें एक कथा वाचली. उपरांत जी भासा भास जाली तातुंत मेळाव्याक हाजीर आशिल्ल्या ल्हान व्हड साहित्यिकांनी हावें वाचिल्ल्या कथेचेर 'लेख' म्हुणून शेरो मारलो. हो शेरो इतलो खर आशिल्लो की म्हाकां लेगीत म्हजी कथा लेखूच कसो दिसपाक लागलो. निमाणो बाब पुंडलीक उबो रावलो आनी हावें वाचिल्ली ती कथा म्हळयार कथाच; लेख न्हय, हें विस्काटावंन सांगलें. तेन्नाच्या म्हजो आत्मविस्वास जबरदस्त वाडलो. म्हाका बेठेंच दिसपाक लागलें, घडये शीता फुडें मीठ खाल्ले भशेन जावंक शकता, की हावें बरयल्लें लिखाण बऱ्या बऱ्यांक बुचकळयांत उडोंवक शकता जाल्यार, ते अश्शें भायर उडोवपा इतले कच्चे निखालस न्हय. पूण हो आत्मविश्वास हांवे तिगोवंन दवरलो ना हेंय तितलेंच खरें.!

गोवा कोंकणी अकादमेमीच्या अर्थिक पालवाक लागून म्हजें हें पयलें पुस्तक उजवाडाक येता. जैत प्रकाशनचे आनी सह्याद्री प्रिंटर्सचे धनी, हांणीं हें पुस्तक सोबोवन तुमच्यामुखार दवरलां. तांचो हांव उपकारी आसा.

ह्या पुस्तकाक प्रस्तावना बरोपी भौ. हरिश्चंद्र नागवेकार, चित्रकार श्री. अजय कोठावळे हांचोय हांव रिणकारी उरतलो. पुस्तकाची प्रुफां तपासपांत, तशेंच शुद्धलेखन निवळावपाक बाय विनंती कांसार हिणें आपली शिटूक नदर भोंवडायल्या हें भोव महत्वाचें!.

- वामन गोविंद टाकेकार

वामन टाकेकार हांची कथा

१९८० च्या दशकांत श्री वामन टाकेकार हांच्यो कांय कथा कोंकणी नेमाळ्यांनी हांवें वाचिल्ल्यो आनी फुडारांत एक बरो कथाकार जावपाचे गूण तांच्या ह्या कथांत म्हजे नदरेक पडिल्ले. तांचे हातबरप तांणी म्हाका धाडलें, तेन्ना म्हज्या ध्यानांत आयलें की, ह्या झेल्यांतल्यो कथा ह्यो चडश्यो त्याच काळांतल्यो आसात. कुळागर पारितोशिकां फावो जाल्ल्यो चार कथा धरून वट्ट १५ कथा ह्या कथा झेल्यांत आसात. कोंकणी कथा-साहित्याच्या प्रवासांत वामन बाबांच्या कथांचें स्थान खंयचें, हें जाणून घेवपाखातीर तांच्यो कथा बारीकसाणीन वाचल्यो. आयजमेरेनच्या कोंकणी कथा-साहित्यांत कोंकणी मनश्याच्या अणभव-विश्वाची कांय म्हत्त्वाची मळां स्पर्श जायनासतना उरल्यांत. अशें आसूनय हेर खंयच्याय कोंकणी साहित्य प्रकारांच्या मानान कोंकणी कथेंत समाजाचें चड विस्तारीत दर्शन घडिल्लें दिसता. समाजांतलीं सामान्य मनश्यां, दुर्बल आनी उपेक्षीत घटक, बायल-मनीस इत्यादींचे जिणे-दर्शन कोंकणी कथेंत घडिल्लें आसा. गांव-जीण, शारी जीण, तातूंत जाल्ले बदल, हें सगलें कोंकणी कथेंत आमकां दिसता. व्यक्तिरेखाटणांत कोंकणी कथा खूब फुडें गेल्ली आसा. खुबश्या कथांनी आमकां मनश्याच्या मनाचें प्रत्ययकारी चित्रण दिश्टी पडटा. कोंकणी कथा रेखीव आनी सुंदर जाल्या आनी अभिव्यक्तीच्यो विविध तरा तातूंत दिश्टी पडटात. वामन टाकेकार हांची कथा वाचतकीर एक गजाल रोखडीच ध्यानात येता, ती म्हणल्यार आपूण लघुकथा बरयतां, हाचें लेखकान दर एके कथेंत भान दवरिल्लें आसा. वेगळ्या वेगळ्या मनश्यांमदल्या भाव-संबंदाचें चित्रण करतना तांणी लघु-कथेचे रचना-फास्केक धरून ह्या भाव-संबंधांची मोजकींच तासां उकतीं केल्यांत. मोजकेच प्रसंग आनी मोजकींच पात्रां घेवन लेखकान

निवेदन, संवाद आनी वातावरण-निर्मिती हांचो मेळ घालून जिणे-दर्शन घडोवन हाडल
'चोर' आनी 'कुश्येंस' ह्यो दोन कथा सोडल्यार 'मिरास' ह्या कथां-झेल्यांतल्यो
सगल्यो कथा प्रथम पुरुशी निवेदनाच्या स्वरुपांत आसात. कथेचो विशय आनी ता
परगट जाल्ल्या आशयाची निवेदन, संवाद आनी प्रसंग-निर्मिती हे दृश्टीन केल्ली मांड
हांचो विचार केल्यार 'मिरास', 'दिश्टावो', 'जात्रा' आनी 'चोर' ह्यो कथा वाचकाचें म
ओडून घेवपाचे तांकीच्यो आसात, हाची जाणवीक जाता.

ह्या कथां-झेल्यांतली 'मिरास' ही कथा कुटुंबांतल्या भाव-भावांमदल्या संबंदांवय
आसा. निवेदन शैली, संवाद आनी व्यक्ति-रेखाटण, हांका लागून ती वाचकांच्या सद
स्मरणांत उरतली, अशी आसा. सगले तरेचे त्रास काडून जाणें भावाक शिकयलो आ
आपूण अशिक्षित रावलो, त्या दादा ह्या पात्राचें व्यक्तिरेखाटण लेखकान निवेदन आ
संवाद, हांच्या मार्गान बेसबरेतरेन केलां. हे शिक्षित भाव जेन्ना दादाकडेन भाट-बेंसा
वांटो मागपाक वता, तेन्ना दादा ताका तो दिवपाक तयार जाता. पूण, तेआदीं
भावाक सांगता 'बापायच्या भाटां-बेसांक गोळ मारचे परस बापायच्या नात्यान आ
दिल्ल्या त्या शिक्षणाक गोळ मार.' हे कथेंत निवेदन करपी पात्र आसा खासा शिक्षि
भावच. ताचेंय व्यक्तिचित्रण लेखकान बरे तरेन केलां. हे कथेंत सामाजीक आश
आसा. 'चोर' हे कथेंतलो सामाजीक आशय असोच काळजाक भावपासारको आस
वरदक्षणेचो विशय घेवन बरयिल्ले हे कथेंत, आपणाक हुंडो म्हुणून दिल्ल्यो कांय भांगरावस्
एक धूव आपणाल्या बापायक, धाकटे भयणीक हुंडो दिवपाखातीर, चोरपाक लायत
ह्या प्रकरणांत चोर कोण, वस्ती चोरपी काय बळजबरेन हुंडो हातासपी, असो प्रश
पोलीस अधिकाऱ्याक पडटा. कथेचो असो शेवट करून लेखकान अंतिम परिणाम ब
सादला. 'फ्लॅश बॅक' पध्दतीचो उपेग करून बरयिल्ली 'जात्रा' ही कथा, तरणाटेपणां
मोगांत अपेशी जाल्ल्या निवेदक पात्राच्या सभावरेखाटणाक लागून वाचकांचें मन ओडू
घेता. बशींत निवेदक पात्राच्या शेजरा बशिल्ली बायल-मनीस ही ताची तरणाटेपणांतल
लिलूच आसता, असो कथेक कलाटणी दिवपी शेवट करून लेखकान कथेंत अंति
परिणाम बरो सादला. 'फुडारांत घडपी घडणुकांचो जाका आदींच सपनांतल्यान दिश्टाव
जाता, त्या विवेक ह्या तरणाट्याची कथा 'दिश्टावो' हे कथेंत सांगल्या. आपणालो इश
अपघातांत आक्ताक सोंपता, अशें सपन पडनाफुडें हो तरणाटो आपणाल्या इश्टाव
कसो समजायता, ताच्या हुस्वायान कसो आकूळ-पिळूक जाता, हें सगलें लेखका
समर्थपणान चितरायलां. निवेदक पात्राचें व्यक्तिरेखाटण हे कथेंत बरे तरेन साका
जालां.

कथानकाचें निवेदन करपी पात्र परिणामकारकरितीन उबें करपी आनी एक कथा आसा, ती म्हणल्यार 'शेजान्न' ही एका तरणाट्याली आपणाले विवाहीत शेजान्नीविशींची पाप-भावना उकतावपी कथा. तरणाट्याच्या मनांतल्यो शेजान्नी विशींच्यो भावना बारीकसाणीन चितरावन लेखकान ताचें सुरबूस व्यक्ति चित्रण केलां. हे कथेंत चितरायिल्लो निमणो प्रसंग कथानकाक कलाटणी दिता आसतनाच कथेचो अंतिम परिणाम बरो सादता. कुटुंबांत चलो जल्माक येवंचो, अशें चडशे जाणांक आजय दिसता. चलयोच जल्माक येतात म्हूण सुनांक सतावपी कुटुंबां कांय वाठारांनी दिश्टी पडटात. ह्या विशयावयली 'प्रयोग' ही कथा विशयाचे दृश्टीन सामाजिक आशय उकतावपी. जाका चलेच जाल्ले आसतात, अशा शेजारच्या एका पुरुशाकडेन माधवी ही विवाहीत बायल गुपीत रितीन शारीरिक संबंद दवरता. माधवीक घोवापासून चलयोच जाल्ल्यो आसतात आनी चलो जावपाखातीर ती हें अनैतिक कर्तुब करता. पूण हें कर्तुब ती असहायपणांतल्यान करता. जबरदस्त ताकदीचो विशय आशिल्ले हे कथेक लेखक सारको न्याय दिवंक पावलो ना, अशें म्हणीन दिसता. कुळागर कथा सर्तींत पयलें इनाम फावो जाल्ले 'शिकवण' हे कथेंत, घांटी म्हुणून जांका आमी वळखतात त्या गोयांभायल्या लोकांकड़ेन पळोवपाची गोंयकारांची नदर कशी चुकीची आसता, तें दाखयलां. ह्या लोकांचेर, विशेशकरून तांच्या भुरग्यांचेर बरे संस्कार जावंक शकतात, ही गजाल लेखकान फावो ते प्रसंग निर्मून वाचकांमेरेन पावोवपाचो येत्न केला. ही कथा तातूंतल्या संवादांक लागून वाचकांच्या स्मरणांत उरता. वामनबाबांच्या कांय कथांत दादल्या-मनश्याचे सेक्स-भावनेचें चित्रण घडिल्लें आसा. 'टायमपास' 'शेजान्न' आनी 'कुश्येंस', ह्या तीन कथांत आपणाल्या संपर्कांत आयिल्ल्या बायल-मनश्यांचो भोग घेवपाचो प्रयत्न करपी दादल्यांचे चित्रण केलां. ह्या तीनय कथांतली बायल-मनीस संस्कारशील वृत्तीची दाखयल्या. तशें पळोवपाक गेल्यार लेखकाच्या भोवतेक सगल्याच कथांत बायल मनीस ही बऱ्या आचाराची दाखयल्या. ह्या तीनय कथांत लेखकान दादल्या-मनश्यांल्यो ताच्या संपर्कांत आयिल्ल्या बायल-मनश्यांविशींच्यो भावना खूब बारीकसाणीन चितरायल्यात. अशे तरेन पात्रांच्या मनांतल्यो भावना चितरावपाचें कसब तांचे लिखणेक आसा, हें हेर कथांतल्यानय जाणवता. प्रसंग निर्मितींतल्यान व्यक्तिचित्रण करपाचे बाबतींय ते कांय कथांत येसस्वी जाल्यात. 'खून' ही विनोदी ढंगान बरयिल्ली एकच कथा ह्या झेल्यांत आसा. हेर कांय कथांत तांचो विशय जरी गंभीर आसलो तरी लेखकाच्या निवेदनांत आनी संवादांत कांय कडेन विनोदी सूर दिश्टी पडटा. देखीक, 'टायमपास', 'शिकवण', 'प्लॉट' आनी 'न्हवरो' ह्यो कथा. ह्या झेल्यांतल्या 'न्हवरो', 'रुप', 'ख़ून', 'इंटरव्यू', 'मोगिका' ह्या कथांत व्यक्त जाल्लो आशय वाचकांक भावपासारको ना.

वामन टाकेकार हांच्या सगल्या कथांचो एक समान गूण सांगपाचो जाल
तातूंतलें निवेदन आनी संवाद ओघवते आसात. वाचकांची उत्कंठा वाडोवपी प्रसंग
अनुरुप निवेदनाची जोड मेळळया. कांय संवाद तांच्या कथांक उंचाय हाडटात. व
सांगलां ते प्रमाण पात्राच्या मनांतल्यो भावना उकतावपी तांचे निवेदन कलात्मक जा
वयर कांय देखी दिल्यात तेप्रमाण कथेचो प्रवाह मुखार व्हरतासतना कथानकाक अकस्म
कलाटणी दिवपाची कुशळताय तांचे लिखणेक आसा. खुबश्या कथांनी व्यक्तिचित्रण
जालां. पूण कांय कथांचो - जांचो उल्लेख वयर जाला. आशयच उणे ताकदी
आशिल्ल्यान तांतलें व्यक्तिचित्रण काळजाक भावना. हो कथां-झेलो वाचून सोंपयतक
म्हाका खोलायेन जाणवलें तें म्हणल्यार कथा-लेखनाक फावो आशिल्ली उच्च प्रती
कुशळताय वामनबाबांकडेन आसा. हे कुशळतायेक तांणी अणभव-विश्वाचीं नवी न
मळां माडोवपाच्या प्रयत्नांची जोड दिल्यार तांची कथा अदिकादिक उंचायेर पावतल
हातूंत म्हाका इल्लोय दुबाव दिसना. वामनबाबांची अशी कथा आमकां वाचपा
मेळटली हाची आमी खात्री बाळगुया.

मडगांव : ता. ७/७/२००३ डॉ. हरिश्चंद्र तु. नागवेंक

मांडावळ

१. टायमपास १३

२. शिकवण २०

३. शेजात्र २८

४. प्रयोग ३६

५. प्लॉट ४४

६. जात्रा ५०

७. मोगिका ५९

८. मिरास ६६

९. खून ७४

१०. दिश्टावो ८१

११. न्हवरो ९०

१२. इंटरव्ह्यू ९८

१३. चोर १०५

१४. रूप ११३

१५. कुश्येंस २२०

◆

टायमपास

हॉटेलाच्या दरवट्यामुखार रिक्षा थांबनाफुडें वळखिचो कोणूय दिसता बी जाल्यार पळोवपाक बशिल्लें थंयच्यानूच हांवें चोंयवशीन नदर घुंवडायली आनी वळखिचो कोणूच ना हाची खात्री जातकच बेगीन बेगीन ब्रीफकेस घेवन हांव हॉटेलाच्या गल्ल्यार पावलो. गल्ल्यार एक चली बशिल्लें.

"म्हाका एक रूम जाय" – आशीक कुशीक पळयत ल्हव आवाजांत हांवें सांगलें.

"डबल काम सिंगल?" - एका रजिस्टराक हात लायत ते चलयेन विचारलें.

"डबल" - लजेत हांवें जाप दिली. पूण हाचो ते चलयेचेर मात कसलोच परिणाम जालो ना.

"तुमचीं नावां सांग" - रजिस्टर उगडीत ते चलयेन सांगलें.

"प्रकाश पेडणेकार आनी....." दोन दीस पाठ करुन लेगीत हॉटेलाच्या गल्ल्यार नांवां सांगतना हांव आडखळ्ळोच.

"आनी दुसरें?" - भुंवयों हालयत ते चलयेन परतून विचारलें.

"लिला पेडणेकार" - हांवें बोल्सातल्यांन लेस काडीत सांगलें. तसो म्हाका घाम येंवक नाशिल्लो. पूण काळीज बेठेंच धडधडतालें.

"आरे भुरगो, हाका तेराव्या नंबराचो रूम दाखय" - लागींच आशिल्ल्या एका भुरग्याकडेन चावी दिवन ते चलयेन ताका फर्मायलें.

"हें पळय, लिला पेडणेकार म्हणटा तें साडेपांच पावणेसंक सुमार हांगां येतलें.

ताका मातशें म्हज्या रुमामेरेन हाडून सोडात आं. नाजाल्यार म्हाकांच हांगा आपयल
लेगीत उपकारता" - वता वता हांवें एक रेकाद दवरलो.

"बरें आसा" - म्हाका पळयत तें मुमुरख्यानी हांसलें. म्हाका लज जाली.

"न्ही..... म्हणजे... हातूंत हांसपा सारखें कांयच ना आं. तसो आमचो तेर्म
जाला" - आडखळत हांवें खुलासो करपाचो यत्न केलो.

"प्रूफ?" - तें परतें हांसलें. हांवें आंवडो गिळ्ळो. म्हाका दिसलें, हांवें शिता पय
मीठ खालें काय किते ?

"पचता थंयच बंडलां मारूंक जाय रे. हीं नावां लेगीत खरी न्ही हें ह
अणभवावयल्यान सांगतां !" - फट्ट करून ते चलयेन हातांतलो रजिस्टर धांपलो.

म्हाका आनीक जाय? वांगडाच क्लीन बोल्ड. जाप काडीनासतना त्या भुरग
फाटल्यान तेराव्या नंबरच्या रूमावटेन हांवें पावलां उखल्लीं.

रूम दाखोवन भुरगो गेलो. हांवें दाराक लावन घेतलें आनी रूम एक फाव
सारखो पळोवन घेतलो. रूमान एक आलमार, एक टिपॉय, दोन खुर्च्यो आनी दो
खाटी आशिल्ल्यो. म्हाका दिसलें, खरें म्हळयार डबल रूमात दोन खाटी आसपाच
गरजूच ना. एकच डबल खाट आसल्यार पुरो. पूण दोग बॉयफ्रेंड रूमांत रावले जाल्य
तांची आडखळ जावची न्हय म्हणून बी दोन खाटी दवरल्यात काय? सेर्त तशेंच आसत
हॉटेलकारांच्या ह्या दुरगामी विचाराची मनांतल्या मनांत हांवे तोखणांय केली.

हांवें हाताची घड्याळ पळयली. सांज वेळचीं सवाय पांच वरां जाल्लीं. तृप्तीन सा
पांच पावणे संक सुमार पावता म्हूण सांगलां. पावतलेंच. तशें उतराक नेगार वचपी न्ह
तें. पूण ते दीस तें रोकडेंच तयार जाल्लें पळोवन आजुनय म्हाका अजाप दिसता.

एक दीस ताचो बरो मूड पळोवन हांवें सहज ताका म्हळें, तुजेकडेन कितेंत
उलोंवक जाय. फाल्यां अमका अमक्या हॉटेलांत येशी ? मात्सो विचार सो केलो आन
म्हणपाक लागलें, येतां. आरे, कितें, कात, कांयच विचारलें ना. चलयो फसतात त्य
अश्यो. आताच्यो चलयो इतले सोपेपणी फसतात अशें पयलींच कळिल्लें जाल्या
देव्हाच्यान, हांव इतलो फाटी रावचोच नाशिल्लों.

ना म्हळयार विशांताक लागुनच हांव एके चलयेक घेंवन हॉटेलांत पावपाचें धाडस
करूंक शकलो. ना जाल्यार हांवें आपुडलेली पयली स्त्री म्हजी लग्नाची बायलूच आसपाची

म्हजें म्हूण खूब चुकतालें. मौज मजा करपाक चलयो म्हूण बेश्ट्यो मेळटात? ते खातीर धाडस लागता. खटपट करची पडटा. हांवें आयुश्यांत केन्नाच खंयचेच चलयेच्या दोळयांक दोळे लेगीत मेळोवपाचें धाडस केलें ना. मागीर मजा मारपाक चलयो मेळटल्यो कश्यो? देखून हे बाबतींत विशांताक हांव गुरू मानता. ताकां चलयांकडेन वळख करप म्हळयार उदक पिवपा इतलें सोपें. हेविशीं ताणें म्हाका एक गुपीत सांगिल्लें, "तीळ आशिल्ल्या दादल्याक खंयचींय बायल मनीस कांयच न्हय करून वश जाता!" आपणाक असो एक तीळ आसा म्हणून सांगं तो. पूण हांवें काय केन्ना पळोवंक ना आनी ताणेंय जावन केन्ना दाखयलो ना.

तशें पळोंवक गेल्यार विशांताची आनी म्हजी इश्टागत एक योगायोग म्हळयार जाता.

हांव एक सभ्य, गरीब आवय-बापायचो एकलोच पूत. तांच्या कश्टाच्या बळग्यार एम. एस. सी. मेरेन शिकून एका फार्मास्युटिकल्स कंपनीत कामाक लागलों. सददां घरा वचून येवन शिर्वीस करपाक शक्य नाशिल्ल्यान हांव शारानूच एका भाड्याच्या घरांत रावतालों.

म्हज्या रूमाक तेकूनच विशांताचो रूम आसलो. पूण हांव थंय रावपाक येवन तीन चार म्हयने सोंपले तरी विशांताची आनी म्हजी वळख अशी जांवक नासली. कारण हांव सभावान मातसो आबोळीत कसो आनी हाज्या उरफाटें विशांत सामको धीट आनी ज्योली. चड करून तो आपल्या रूमार केन्नाच आसनासलो. सकाळच्या आंठ सवाय-आठांक सुमार भायर सरून रातच्या धा अकरांक सुमार परतो रूमार पावतालो. खंय भोंवतालो आनी कितें करतालो म्हूण देवच जाणा.

एक दीस सकाळच्या साडेसक सुमार कोणेतरी म्हज्या रुमाच्या दारार मारलें. हांवें दार काड जाल्यार विशांत दारांत उबो आसलो.

"म्हाका एक ब्लेड मेळत?" - खाड खाजयत ताणें म्हाका विचारलें.

"ओ शुअर"

हांवें म्हजेकडली एक ब्लेड ताका दिली. आनी हीच आमचे इश्टागतीक बुनयाद थरली.

त्या उपरांत ताचें म्हज्या रूमार येवप वचप वाडलें. आमी दोगूय वांगडाच भोंवपाक

फिरपाक वचूंक लागले. सिनेमा नाटकांक वचूंक लागले. आनी इश्टागत चड वाडिल्ल
एकामेकाची सूख दुख्खां एकामेकाकडेन उलोवंक लागले. विशांताचें उलोवप चड क
मोगाचेरूच आसतालें. तो म्हाका आपणेन भोगलेल्या सुखाची, केल्ल्या मजेची क
तिखट मीठ लावन सांगतालो. म्हाकाय ताच्यो त्यो काणयो आयकुपाक मजा दिसता
करता करता त्या काणयांचो म्हजेर इतलो परिणाम जालो की म्हाकांय दिसपाक लाग
हांवेय कितेतरी सर्कस करची. आंकवार जीण भोगची.

त्याच सुमाराक तृप्ती आमचे कंपनीन भरती जालें. पाड पडू बेगीन ताचें! फ
नांव तृप्ती पूण पळोवन तृप्त जावपा सारखें ताच्यांत कितेंच नाशिल्लें. काळें सावळें,
शिवडी कशें दिसतालें.

कंपनीत तें म्हज्या हाताखाला आशिल्ल्यान आमचो दोगांयचो परत परत सं
येतालो. तेंवय म्हजेकडेन मन मेकळेपणान वागतालें म्हूण हे संदीचो फायदो घेवप
म्हजें मन आशेतालें. पूण धीर मात जायनासलो. धीरा-परस तें दिसपाक सोबि
नाशिल्ल्यान म्हजें मन फाटीफुडे जातालें.

हांवें ही गजाल विशांताच्या कानार घातली.

"तूं ते चलयेकडेन लग्न जातलो तर?" - म्हजी सगळी काणी आयकून विशांत
थंड उतरांनी म्हाका विचारलें.

"लग्न आनी ते चलयेकडेन?" आंगार पडिल्लो कोयर फाफडून उडयतात तश
हांवें ताचीं उतरां फाफडून उडयलीं.

"मागीर तुकां ताची सोबितकाय कित्याक लागता ? तुकां मजा मारपाक मेळ्ळ
म्हणटकूच जालें. आयल्या पयल्या राटावळीनी आमी लक्ष कित्याक घालपाक जाय
आरे देवाक सगळीं सारखीं मरे. सर फुडें" - विशांत अणभवाची उतरां उलयलो.

"तें खरें, पूण हे सगळें म्हज्या मनाक पटना" - तोंड वाकडें करीत हांवें सांगलें.

"तशें जाल्यार आयुश्यांत तूं केन्नाच मजा म्हणटात ती मारूंक पावचो ना"
विशांतान स्पस्ट उतरानी म्हाका शिटकायलो.

"बरें. आय विल ट्राय" - दुबावी मनान हांवें सांगलें.

'देटस् लायक अ गुड बॉय' – म्हजी फाट थापटीत ताणें म्हाका धीर दिलो.

दोन तीन दिसाभितरच हांवें तृप्ती कडेन पक्की इश्टागत जोडली. कँटिनात च्याक
ो वचप हें आमचें सदचेंच जालें. आमी एकदा सिनेमाक लेगीत गेलीं. पूण काळखाचो
ायदो घेवन हावें केन्नाच ताच्या खांदार हात उडयलो ना. खरें म्हळयार तशें करचें अशें
ाका केन्ना दिसलेंच ना. घडये ताच्याविशीं म्हज्या मनांत आशिल्ल्या आपुलकायेक बी
ागून जायत.

एक दीस उलयता उलयता ही गजाल म्हज्या तोंडातल्यान विशांताक कळ्ळी. ताणें
ाका पिशांत काडलो.

'इतले लागीं आयल्ल्या चलयेक जर तूं हात लांवक शकलो ना जाल्यार मजा
ारपाची सपना तुवें न पळयल्लीं बरीं" - विशांतान परत म्हाका शिटकायलो.

"हें पळय, डॉन्ट बी सेंटिमेंटल. आजुनय यत्न करशी जाल्यार तुजो चान्स कोणें
रूक ना. वेळ वगडायनासतना ह्या दोन तीन दिसां भितर ताका खंयच्यांय हॉटेलांत
वन वच" - धीर दीत ताणें सांगलें. म्हाकांय तें पटलें.

फुडले दोन तीन दीस, कशें केल्यार कशें जातलें ? ह्याच विचारांत हांवें काडले.
ानी पांचव्याच दिसा म्हजें नशीब उजळ्ळें. कंपनीन प्रोमोशन दिवन पुणेच्या शाखेंत
जी बदली केल्या म्हणपाची खबर म्हाका ते दीस कळ्ळी. हांव खूश जालों. वचचे
ली एकदा तृप्ती वांगडा मजा मारपाचीच अशें हांवें थारावन उडयलें. कारण एकदा
दली जावन दुसरेकडेन गेलो म्हणटकूच मागीर कोणाक कोण विचारता? आनी विचारलेंच
ूणन कोणाक कोण लागी धरता ? जालें. थरलें. हांवें मनाचेर ताबो मेळोवन तृप्ती
डेन उतर घालें आनी तें तयारूय जालें, कसलीच आडमेळीं घेनासतना....

रूमाच्या दारार टक... टक... असो आवाज जालो आनी हांव शिंतीदार आयलो.
खिणभर काळीज धडधडलें. म्हजो आत्मो जागो जालो.

"आतां थोड्याच खिणा भितर तू पापी जातलो. आनी दुसऱ्या एका निश्पाप
नश्याकय तू पापाच्या बांयत धुकलतलो" - आत्म्यान म्हाका शिटकायलो. खिणभर
जें मन दळमळ्ळें. पूण रोकडेंच हांवें मन घटट केलें.

हांवें दार काडलें, तृप्ती दारांत उबें आशिल्लें. निर्मळ हांसो तोंडार फुलोवन

"ए, सॉरी आं, म्हाका मातसो कळाव जालो" – तोंडभर हांसत तृप्तीन सांगलें.

'हांवें घडयाळ पळयली. खऱ्यानीच सवाय स वरां जाल्लीं.

"काय नजो गो. उतराक चुकनासतना तू आयलें हें खूब जालें." - हांवें त
भितर घेवन दाराक घालें.

तें वचून खाटीर बसलें. हांवूंय ताच्यासरी वचून बसलों. जांगेक जांग तेके
आनी पयलेच फावट खांदार हात उडयलो. ताणें प्रतिकार केलोना. ल्हवू ल्हवू म
कानसुलां तापुंक लागलीं. दोळयांतल्यान उजो सो व्हावूंक लागलो. आनी आशि
नाशिल्ले मनीसपण तातूंत जळून गोबोर जांवक लागलें. फुडले पावल म्हूण उमो घेव
हांव बावगलो,

'म्हाका वगत कित्याक जालो तो विचारलो ना तुवें?" - तृप्तीला शितळ उतर
म्हाका जागयलो.

"कित्याक जालो ?" - विचारूंक जाय म्हणून हांवें विचारलें. कारण ताका व
कित्याक जालो हाचे म्हाका पडुकूंच नासलें.

"आतां येतना त्या पेडाकडेन म्हाका म्हजी एक इश्टीण मेळ्ळी. ताणें म्हाका र
वता काय विचारलें. हांवें अभिमानान सांगलें, म्हज्या एका इश्टान म्हाका हॉटेल
आपयला म्हूण. म्हजी जाप आयकून तें म्हाका एके वेगळेच तरेन पळोंवक लागलें. आ
म्हजी काकुळट करीत दादल्यांच्या स्वभावांचेर कित्याय कितें उलोवंक लागलें. र
सांगता अवी, कित्याक म्हणून कोण जाणा, पूण ताचें उलोवप म्हाका सहन जालें
हांवें सांगलें, सगळ्या दादल्यांक तूं एकेच तागडेन जोखनाका. दादल्यांचो सभाव तांच
तोंडारूच कळटा. तुवें अवीक पळोवंक ना म्हूण अशें उलयता. म्हजो अवी सामको भोळ
असलीं नाका जाल्लीं पाडीं कर्मा ताच्या सपनान लेगीत येंवक शकनात. ताचो तस
पिंडच न्हय. अवीक खऱ्यानीच कितेंतरी म्हत्वाचें म्हजे कडेन उलोवपाचें आसा. म्ह
म्हाका ताणें हॉटेलांत आपयलां" - तृप्ती मातशें थांबलें. आनी फुडें सांगपाक लागलें

"जाणा अवी ? आमका बायलांक सैमाची एक देण आसा. आमच्या खांद
पडिल्लो दादल्याचो हात ताणें बाय म्हूण दवरला काय बायल म्हूण दवरला हें आमक
रोकडेंच कळटा. कांय फावट हे तर्क चुकतात ही वेगळी गजाल. आता कित्याक म्हू
हांव नकळ, पूण तुजेर म्हाका पुराय विस्वास आसा. देखून निमाणे हांवें म्हजे
इश्टिणीक एकच सांगलें, "अवी सारकिल्ल्यान जर म्हाका फसयत जाल्यार ह्या संवसारां
विस्वास दवरपासारखो दादलोच ना अशें हांव समजन" - म्हज्या दोळयांक दोळे मेळोव
तृप्तीन हें वाक्य उच्चारलें. ताजे दोळे ओंठापरसूंय खूब कितेंतरी उलयताले. एक चल

ाका कितलें मानता, म्हजेर कितलो विस्वास दवरता आनी हांव.... चितून काळजांत ल्ल जालें.

पयलेच फावट म्हाकां अशें दिसलें, हांव कोण हें म्हाका कोणतरी शिकयता. हांव ळ्यार विशांत न्हय. मनश्या मनश्यांत फरक आसता. म्हज्या कानांत कोणेतरी वारें रलां म्हूण वारें पिल्ल्या वासराभशेन उडक्यो मारीत हांव हागांमेरेन पावला. दुसरो शेंण ाता म्हूण आपणेनय शेंण खावप ? मागीर इतलीं वर्सा म्हजेर आवय-बापायन जे स्कार केले ताचो फायदो कितें ?

खिणां पयली असली कामवासना उगत्या आयदनात दवरिल्ल्या स्पिरिटाभशेन याच खिणांक उडून गेलीं. हांवें ताचो हात हातांत घेतलो आनी अपुरबायेन दामलो.

"हांवे तुकां हागां कित्याक आपयलां जाणा ? फुडल्या म्हयन्याचे एक तारखेच्यान हजी पुण्याक बदली जाल्या. वचचे पयलीं एक गजाल तुज्या कानार घातल्याबगर रावूंक जो. "आय लव यू!"

तें कांयच उलयलें ना, फकत आनीकय मातशें तेकून आयलें, ताचो स्पर्शच ांगतालो, 'आय लव यू टू!'

●

शिकवण

असोच एक आयतार. हांव बलकावांचेर पेपर वाचीत बशिल्लों. इतल्यान णव ध
वर्साचें घांटयाचें एक पोर आमचो आडो हुपून आमच्या आंगणांत पडिल्लें एक पत्र्या
फोलीण उकलता तें दिश्टी पडलें.

"शू ऽऽऽ" - हांवें ताका हटकिलें. पूण घांटयाचें पोर तें ! शू ऽऽ केलें म्हूण
आयकता? ताणें तें फोलीण परतें दवरनासतना हांसत आपल्या खांदार हुमकळप
कपड्याचे झोळयेंत उडयलें. म्हाका मारली भिरभिरी. हातांतलो पेपर सकल दवरून
तिडकीन हांव उठलों.

"एऽऽ सांगल्यार समजना गो तुकां?" - हांव मातसो तापलों. तरीकय मात
भियेनासतना म्हाका पळयत तें पोर वोगीच!

"कितें जाली पात्रांव" - लागींच आशिल्ली त्या चेडवाची आवय आपलो फाटीवयलो
साक सांबाळीत फुडें आयली.

"आब्बा, वयल्यान कितें जालें काय म्हूण विचारता? इतले दीस तुमी फकत भायर
उडयल्ल्योच वस्तू वेचून व्हरतालीं. पूण आयज हें पोर आडो हुपून आंगणांत पावलें.
फाल्यां घरांत पावतलें. तुमकां चोरून खावपाची संवय जाल्या. दिसाचीं अशींऽऽ भोंवतात
तुमी भायर उडयल्लोय वस्तू पुजोंवपाच्या निमतान येतात आनी रात जाली की घालतात
घालो" हांवें मनांतलो सगळो राग उलोवन दाखयलो.

"अैयय्यो, रामा रामा, ना पात्रांव ना. अशें म्हणूं नाका. आमी चोर न्हू. हिंगाचो
सगळी लोक आमकां वळखता. आतां दोन तीन वर्सां जालीं, आमी अशींच सामान

मयता आनी दलालाक विकून पोट भरता पात्रांव" तिणें सामकी काकुळटेन येवन ापली रडकाणी सांगपाक सुरवात केली.

"पुरो पुरो, हीच पाडी संवय नडटा तुमकां. कसलोंच काम धंदो सांगल्यार जावपाचो तुमचे कडेन. गांवभर हेडपाक मात बेस बरें जमता. तुमची ही चालाकी आमकां ळना अशें समजुनाका तुमी? रातची खंयचे कडेन कशी चोरी करपाक मेळटली हाचो दमास घेवपाकूच तुमी दिसाची भोंवतात. तुमकां मातशी पातयेवपाची ना. घाटी यचीं " - म्हजे भशेन म्हूण हांव तिचेर तापलों.

पूण म्हज्या तापोवणेचो तिचेर कुस्कुट परिणाम जालो ना. वयल्यान ती मातशी ंसली. हें पळोवन बशिल्लेकडेन वोगीच म्हाका मात पिकासांव जालें. कारण तिचेर ापून हांवें मात बेठीच खरस काडिल्ली.

"काम करपाक काम मेळपाक जाय न्हूं पात्रांव?" - खांदावयली साका पोटली कल दवरून ताचेर थपकल मारीत तिणें सांगलें,

"कित्याक मेळना? करपाची अित्सा आसूंक जाय." हावें वाद घातलो तशी ती ंटीण वोग्गी पडली.

"आमच्या ह्या चेडवाक तुमगेर कामाक दवरून घेतात पात्रांव?" - म्हज्या उतराच्या ालवाक धरून तिणें विचारलें. पूण म्हज्या कपलार पडिल्ल्यो आंठयो पळोवन रोकडेंच ाणें पान परतिलें.

"न्हू न्हू पात्रांव पैश्याखातीर न्हू. आतांच तुमी कामाची उलयली म्हूण सांगली. ामची दस गेली पांच उरली. पूण ह्या पोराची चिंता. शिक्षण तर आमचेकडेन दिवपाक ायना. कमीत कमी कोणागेर बी कामाक रावली जाल्यार बरी देख तरी शिकतली म्हूण चारता पात्रांव, फक्त दोन टायम जेवण मेळ्ळयार पुरो. तीं सगळीं काम करतलीं. ागीर म्हयन्याच्या माथ्यार तुमी कितें दितली तांतूंत आमी समाधान मानतली पात्रांव" ाती पाया पडत तिणें उतर घातलें.

पयलेच फावट हांवें त्या चेडवाक बारीक साणेन नियाळ्ळें. घांटयाचें पोर खरें पूण रें नाजूक आशिल्लें. कोणायगेर वावराक रावल्यार जेवण खाण व्यवस्थीत पडून बरेंऽ ुदारतलें हातूंत दुबाव नाशिल्लों.

खरें म्हळयार आमकांय एक भुरगें जाय आशिल्लें. चड करून धाकल्या वैभवाक

सांबाळपाक. ताका शाळेंत व्हरून पावपाक, हाडपाक. म्हूण हांवें बायलेक भायर आ
आनी त्या घांटीणीची विनवणी तिच्या कानार घातली.

"तुमची तकली बिकली जाग्यार आसा मूं? सगळें सांडून घांटयाचें शें भुरगें
काडलें तुमी. घरांत वावर करपाक ?" - पयल्याच धपक्याक बायलेन म्हाका पि
काडलो.

"आगो पूण दवरपाक हालीं भुरगीं मेळटात खंय ?" - हांवें परिस्थिती उल
दाखयली. खऱ्यांनीच दोन तीन म्हयने जाल्ले. हांवे जायत्या जाणाक सांगून पळय
पूण आजवेळ कोणाचकडल्यान प्रतिसाद मेळूंक नाशिल्लो.

"एक वेळ भुरगें ना मेळ्ळयार उपकारता. पूण शेळया आंगार फुगांव ना
आनी हें किडकिडी पोर आमच्या वैभवाक उखलतलें ? तो ताका अस्सोऽ धुक
उडयतलो" त्या चेडवाचे कितेंतरी उणेपण दाखोवंक जाय म्हूण बायल उलयली.

'आगो घांटयाचें पोर तें ! फुगपाक तीं कितें तुजे भशेन शित-कडी जेविना
बऱ्यो दाटदाट भाकऱ्यो खातात. म्हूण म्हणटा तें पोर वैभवाक सोडून तुकां सुद्दां उखल
दवरूंक आसा. आनी वैभवाक ताणे उखलूंक जाय कित्याक ? हातात धरून व्हरत
हाताक धरून हाडटलें. वयल्यान सवाय पडटलें" - हांवें बायलेक वेव्हार सांगलो.

"सवाय खाण पोट फुगें म्हूण जाणात न्हीय तुमी फाल्यां कितेंय बरें वायट घड
जाल्यार सांगपाचें कोणाक ? चूड दाखोवन देवचार घरांत हाडिल्ले भशेन जांवक लागत
- बायलेन म्हाका शिटकायलो.

"भिवंनाका तूं. कांयच जावचें ना. अशे कितलेशेच लोक वळखदेख नाशिल्ल
भुरग्यांक कामाक दवरतात. पांच स म्हयने जाले, म्हज्या एका इश्टान अशेंच आपल
घरांत एका घांटयाच्या चेडवाक कामाक दवरलां. सुशेगाद आसा. आमकां मगो ए
पाडी संवय जाल्या. हून दुदान तोंड हुलपलें म्हणटकूच ताक लेगीत फुकून पिवपाची
मनीसपणाच्या नदरेंतल्यान हांवे म्हजे विचार मांडले.

"वोपारी येतात म्हूण खंयच्या खंय वापरून नाकात" - बायल एकदम म्हजे
उसळ्ळी. "दुदाची आनी ताकाची वोपार ह्या घाटयाच्या भुरग्यांक सोबता? तांका फा
दुकराची वोपार. म्हणटात न्हय, न्हाणयलो दुकराक म्हणून तो कितें निवळ जावपाचे
आसा ? तो आपल्या जातीरूच वतलो. तशीं हीं घाटयांची भुरगीं, खाल्ल्या पाना

ळशीक करपी. फाटीं तो कोण तो कुमार काय कोणतरी, ताणे आपले मालकिणीचो बून केलो ना? - ते घाटणी हुज्जीर बायलेन फाटल्या इतिहासाक हात घातलो.

"आगो नाक खंय आनी आदोळी खंय ? एकल्यान कोणेतरी खून केलो म्हूण सगळेच घाटी खूनमारे ? आपल्या पायांकडेन कितें जळटा तें पयली पळोंवक जाय. आमच्या एका गोंयकारान आपल्या आवयचो, भयणीचो, भाचरांचो खून करून विक्रम केलो ना ? जिबेक हाड ना म्हूण खंयच्या खंय उलोंव नाका. घांटयांचीं भुरगीं जालीं म्हूण कितें जालें ? मनशाचींच भुरगी न्हय तीं. घडयली तशीं घडटली. रोयलां तशें किल्लतलें. तातूंत तांचो कितें गुन्यांव ? तांकांय कोणेतरी मायेन लागी काडूंक जाय. ल्हान पिरायेर बरे संस्कार करूंक जाय. ह्या समाजापरस आमी वेगळीं अशें ताकां दिसूंक जायना. तरूच तीं भुरगीं मनशांत येतलीं. नाजाल्यार जनावरांपास्ट जातलीं...."

"म्हणजे तांका सुधारपाचो वावर सरकारान तुमचेर सोपयला बी काय कितें ? - बेजार जांवन बायलेन पच्च करून मदींच तोंड घातलें.

"सोपोंवक जाय कित्याक ? दिसता तें उलयलो हांव. एक वेळ व्हडल्या घांटयांक सुदारपाक जावचे ना आमचेकडेन. पूण भुरग्यांक नक्की आमच्यान सुदारूं येता. तें पोर केदें तें तरी पळय आनी मागीर सांग तुजो शेरमांव' - हांवें म्हज्या म्हणण्यार मात्सो नेट धरलो.

"दिसता तशें नासता म्हूण जग फसता. तें एदेशें पोर दिसता तुमकां, पूण केन्नाय आपलें खरें रूप दाखयत जाल्यार दोळे कपलाक पावतले तुमचे. विखाची परिक्षा घेवची न्हय केन्ना. दुसऱ्यांच्या अणभवावयल्यान आपणेन शाणो जांवक जाय. पोरूंच्या गजालीचो उगडास आसा तुमकां ? असोच कोणागेर तरी वावराक दवरिल्ल्या भुरग्यान रातची भितरल्यान खिळी काडून आपल्या बापायक भितर घेतिल्लो आनी पंचवीस-तीस हजाराचें सामान घेवन पळटना तांका सापडायल्ले! सुरवातीक बरीं रावतात हीं भुरगीं मागीर शिंगा फुट्टात तांकां. वेळ काळ पळोवन जुस्त हात भोंवडायतात' - बायल आपल्या म्हणण्याक दसून रावली.

तशें बायलेचेंय म्हणणें म्हाका थोडेभोव पट्टालें म्हटल्यार जाता. पूण पिट्टोळ खाता रोंव आनी हेवांळयाचेर खेव कित्याक ? बापायन केल्ल्या पापाची भुरग्याकडेन जाप मागप कितलेशें सारखें ? म्हाका जाल्यार दिसता. मोव दिसता थंय कोणूय खणटा. देखून कोणाकूय भुरग्यांक वावराक दवरलें. म्हणटकूच आपणेन शादूर रांवक जाय. पूण

बायलेक हें पटना. तिचें म्हणणें अशें की शादूर रावून रावून कितले दीस रावतलीं ?
ना एक दीस बेसावद संद पळोवन हीं भुरगीं आपलें कर्म केलेबगर कश्शींच रावचं

'हालीं लोकाची भुरगीं हाडून विकपाची अवदसा बळावल्या ह्या लोकांची हें
पेपरांत वाचतात न्हय तुमी ? हें चेडूं हिचेंच कित्यावयल्यान ? बायलेन आपल्या सा
ज्ञानाचो दिस्टावो दाखयलो.

"आगो कोणांयचें भुरगें जायना थंय! आमचें काम व्यवस्थीत केलें म्हणट
जालें. आमी काय त्या भुरग्याक विकत घेवचे ना न्हय. तिचें न्हय जाल्यार जो कोण
चेडवाचो मालक आसतलो तो येवन घेवन वचत. आमचें कितें वच्चें पडलां ? म्हयनो
सारखें रावलें जाल्यार जेवण खाण दिवन चाळीस पन्नास रूपया हातार तेकोवपाचे"
परत बायलेचें मन वळवपाचो यत्न सुरु केलो.

बायलेकूय तें सुमारान शें पटलें. पूण ती मारतें घेवपाक तयार नाशिल्ली.

'तुमकां जाय तें करात" - चणचणत ती भितर गेली. पूण मोनी सम्मती दि
गेली हें म्हाका कळ्ळें.

हांवें धाकट्या वैभवाक दाखयत ते घाटणीकडेन तोंडी वेवार केलो.

सदां सकळचो वैभवाक शाळेंत पावप आनी दनपारां शाळेंतल्यान घरा हाड
मदल्या वेळांत म्हजी बायल सांगता तीं बारीक सारीक कामां करचीं पडटलीं. पगा
जेवन - खावन म्हयन्याक पन्नास रूपया. त्यान भायर कमीच कमी स म्हयने तरी
भशेन आमगेर काडले जाल्यार कपडे करपाक आमी ऑब्रिगाद. पूण ताच्या वागणुकेविश
इल्लो पासून दुबाव येत जाल्यार भोंकार खोंट पडटली. म्हयन्या म्हयन्याक तूं यो आ
पयशे घेवन वच.

आपल्या मवाळ सभावान आनी नितळसाणेन रोकडेंच त्या चेडवान आमचें म
जिखलें. धा बारा वर्साचें पोर खरें पूण कामाक मात बरेंच शिटूक आशिल्लें. तें येय
सावन बायलेक रांदचे कुडींत ताचो बरोच आदार जांवक लागलो. इतलेंच न्हय त
सकाळचो वैभवाक शाळेंत पावोंवन येतना बाजारातल्या शाक भाजी हाडपाचो वाव
आमी ताचेरूच सोपयलो.

ताचो विस्वास पारखुपाक जायते फावट आमीं घरांत ताच्या हाताक मेळपासारखे
थोडे थोडे पयशे दवरून पळयले. पूण पोरान चुकून पसून केन्ना हात लायलो ना. ताची

दानत पळोवन सामकें भायल्या सालांत न्हिदतालें ताका आमी मदल्या सालांत न्हीद ूण सांगलें.

ताच्यांत आनीक एक बरो गूण आशिल्लो. तो म्हळयार तें हावरेपणा करिनाशिल्लें. ातांत मेळटा, पानार पडटा तातुनच तें धादोशी दिसतालें.

जुस्त दोन तारखेक सकाळी फुडेंच घांटीण पयशांक दारांत हजर जाली. आयतार ाल्ल्यान हांव घरात आशिल्लों. चड करून सगळयांचो पगार एक तारखेक जाता हणटकूच दोन तारखेक आपणाक सहज पयशे मेळटले म्हूण आयिल्ली जातली ती. पूण हाका सात तारखेक पगार मेळटा म्हूण ती बाबडी खंय जाणा ? देखून हावें तिका सात ारखेक यो म्हूण सांगलें.

'पात्रांव आमच्या दादल्यान हिका आयज मातशी घरा हाड म्हूण सांगल्या' - भियेत भियेत घाटणीन सांगलें.

'कितें ? हें चेडूं आमगेर रावून आजून म्हयनो जांवक ना सारखो. आनी तूं ोकडीच ताका व्हरपाक आयली?" चेडवाक पळयत हांव तिचेर तापलों. चेडवाकूय घरा वचपाची खोस नाशिल्ली हें ताच्या मुखामळावयल्यान स्पश्ट कळटालें.

"तशें न्हूं पात्रांव, सांजची हाडून पायता. तेच्या बापायक हुसको जाला तेची" - तिणे कारण सांगलें. पूण म्हाका ते पटलें ना. ती म्हज्या पासून कितेंतरी लिपयता अशें बेठेंच म्हाका दिसपाक लागलें. देखून हांवें मनांत चितलें, एकदा व्हेलें जाल्यार हें चेडूं परत हागां पावपाक कुस्तार.

"अशें म्हणटा? बरें, व्हर. चेडूं तुजें. आमच्यानी व्हरू नाका म्हणूं येता ? पूण हाका परत हाडीनासतना पयशांक मात येंवनाका" - हांवें भंय घातलो.

"ना पात्रांव तुमी समजता तशें न्हूं. म्हाकाय बी हिका घरा व्हेल्ली नाका, पूण आमची दादला सद्दां सोरो पिवन येता आनी हिका एकदा आपणाक हाडून दाखय म्हणून खोंप माथ्यार घेता. तेच्या मनांत कितें आसा देवाक खबर. आयज हिका व्हेली ना जाल्यार म्हाका मार चुकची ना. दुबाव धरिनासतना हिका म्हाज्या वांगडा घाडात तुमी. हांव सांजची हाडून पायता म्हणजे पायता' - उलयता उलयता तिचे दोळे भरून आयले. घोवान तिचेर कसलेंतरी दडपण हाडलां आसतलें अशें म्हाका दिसलें.

चा बी दिवन आमी घाटणीवांगडा चेडवाक धाडलें. वतना बायलेन आपली एक

पोरनी साडी तिका दिली.

सांगिल्ल्या प्रमाण सांजचे तें चेडूं आंयलें. पावपाक मात कोणूच येंवक नाशि घरांत पावून तें आबूज शें जालें. उलोवपाक आडखळूक शें लागलें. ताची ही वे वागणूक पळोवन म्हाका दिसलें, तांच्या घराकडेन नक्कीच कितेंतरी घडलां. किते घ हें जाणाजावन घेवपाखातीर हांवें ताका तरेतरेन प्रस्न विचारलें. पूण पोरान तोंड उग नां. हांवें फाट सोडली ना. निमाणे, बापायन आपणाक आनी अम्माक खूब म इतलेंच सांगलें. कित्याक ? तें मात सांगलें ना.

ही गजाल आयकून कित्याक म्हूण कोण जाणा म्हाका परत परत दिसूंक लाग आयज कितेंतरी घडपाचें आसा! हावें शादूर रावपाचें थारायलें. पूण बायलेक हातुंतलें कितेंच सांगलें ना.

जेवन खावन आमी न्हिदलीं. हांव जागोच रावून भायली जाग घेतालो.

बरे राती चेडवान लायट पेटयली. हांव मदल्या सालांत आयलों. न्हिदील्लेकडेन रडटालें जांवये. ताचे दोळे सुजून मोठे जाल्ले. हांवें परत कितें घडलां म्हूण विचारतकू मात ताच्यान कश्शेंच रावूंकनज जालें.

"हांव ह्या दिसानी मदल्या सालांत न्हिदता हें कशेंतरी अप्पाक कळ्ळां. देखू ताणें सांगलां, आयज रातच्या एकाक आपूण येतलों. कोण्णाक जाग कळयनासत खिळी काड. हांव पयलीं तयार जालें ना. म्हूण अप्पान म्हाका कमरातल्या पट्ट्या मारलें. अम्मानूय विरोध केलो म्हूण तिकाय मार खावचो पडलो. निमाणे मार चुकोवपाखाती हांव खिळी काडपाक तयार जालें. तुमकां बी सांगलें जाल्यार जितेंच मारपाची ता धमकी दिल्या. पूण हांव दार काडचे ना. खंयचेय परिस्थितींत दार काडचें ना." घराकडेन घडिल्लो सगळो प्रकार रडत ताणें म्हाका सांगलो.

गजाल आयकून खिणभर मन सुन्न जालें. कसलो खेव हो? पोरसाक राखण मेळची म्हणून आमी आडो घालतात. पूण आड्यानूच जर पोरसाक तोंड लायलें जाल्या कोणाक सांगपाचें ?

जल्माक येतनाच काय कोण बरें वायट शिकून येना. हांगा आयल्या उपरांत मागीर आवय बापाय कडल्यान, समाजाकडल्यान, बरें वायट शिकतात आनी त्या प्रमाण वागतात. म्हणटकच वायट शिकवण मेळून आमचीं भुरगी पाड जालीं जाल्यार गुन्यांव कोणाचो ? आवय-बापायचो काय समाजाचो ?

हांवें घडयाळ पळयली. सवाय बारा जाल्लीं. भायर सरून पोलिसेक कळोवपाक
ठ नाशिल्लो. म्हूण बेगिबेगीन लायट पालयली आनी येता त्या प्रसंगाक धिटायेन तोंड
वपाचें हांवें थारायलें.

जुस्त एकाक भायल्या दाराकडेन हांवें जाग आयकली. तसो हांवें कोनश्यांत उबो
रून दवरिल्लो दांडो हातांत घेतलो आनी जतनायेन दार काडलें. अपेक्षेप्रमाण तो
नीस भितर सरता आसतनाच हांवें कळाव करनासतना हातांतलो दांडो ताच्या तकलेर
ातलो.

आवाज आयकून शेजाऱ्यां - पाजाऱ्यां जागीं जालीं. चेडू "आप्पा, अप्पा" म्हणून
डपाक लागलें. हांवे दोरयेन त्या मनशाचे हात पांय बांदले. ताच्या उजव्या पांयाकडेन
ांदिल्लो रामपुरी चाकू पळोवन तो कितले तयारेन आयिल्लो हाची सहज कल्पना
ताली.

हांवें स्कुटर भायर काडली. आनी शेजारच्या एका दादल्याक ताचेर नदर दवरपाक
ांगून पोलीस स्टेशनाची वाट धरली.

●

शेजात्र

तारखेच्या कोतान ह्या रूमार रावपाक येवन आयज म्हाका सारको एक म्ह
पुराय जाता. हरशी सदच्यासारखो काल सांजचो हांव घरा वचपाचो. पूण पयर स
उलयता उलयता 'तें' म्हणूंक लागलें, चूक जाली, 'ती' म्हणूंक लागली....

ताचें कितें आसा, ते वर्सांनी म्हज्याकूय ल्हान आसत, न्हय ल्हान आसाच,
गळयात पांच स पोवनाचो चकचकीत मणी आसा. देखून ताका तें म्हणपाक म्हाका
ऽ दिसना. आतां आंकवारपणातली वळख बी आशिल्ली जाल्यार वेगळें आशि
तिवूय ना. म्हणटकूच एके बायलेक 'ते' कशें म्हणपाचें ? कमीत कमी गळयांत म
आशिल्ल्या वीस वर्सांचे लेगीत हिंदू बायलेक हांव तरी 'ती' म्हणटा आनी गळयांत म
नाशिल्ल्यान पन्नास वर्साच्या लेगीत बायलेक 'तें" म्हणटा. हाका आडवाद फकत घ
मेल्ली बायल....

तर, पयर ती म्हणपाक लागली, - 'शेनवारदीस घरा वचूंनाका आं ?"

'कित्याक ?' - हांवे अजापान विचारलें.

'आयतार दीस जेवपाक तुकां आमगेर खासा आमंत्रण' - हांसत हांसत ति
जाप दिली.

'विशेश कितें तर गे ? - ती कितेंतरी म्हज्या पासून लिपयता अशें दिशिल्ल्या
मुद्दाम हांवें विचाल्लें.

"तें तुका तेच दीस कळटलें!' - ती परत अर्थगर्भीत हांसली.

'हांवे वोगीच दोन तीन मिनटां चिंतिल्लेवरीं केलें आनी कांयच उलयनासतन

ह्रेर व्हडलो उपकार केल्ले भशेन 'जायत' अशे तरेन तकली हालयली.

जालेंय जाल्यार घराकडचें पडलां कोणाक ? फकत जाणटी आवय आसा घराकडेन. दचेभशेन शेनवारदीस सांजची म्हजी वाट पळयतली आनी 'आयज आपलो पूत येवना गो ?' म्हूण हुसको करीत न्हिदतली. पूण ती हुस्को करतली म्हूण आयज ही संद फयल्यार परतून केन्ना मेळत सांगू नज! घडये केन्नाच मेळनासतना रावत. वेळ काय णाखातीर रावना न्हय ! वेळार वेळ आनी शिगम्यार खेळ खेळटा तोच खरो शाणो!

जायतेफावट म्हाका दिसता तिची आनी म्हजी इतली दाट वळख जावपाक आमचें दल्या जल्माचें कितेंतरी नातें ना तर अतृप्त इत्सा बी आसा जांवक जाय. ना जाल्यार एकाच म्हयन्याभितर एका तपाची वळख आशिल्लेवरी ती म्हजेकडेन वागची नाशिल्ली. गल्यार कोणाकूय पुराणातलीं वांयगीं कशीं दिसूं येता, पूण प्रत्यक्षात म्हजे जिणेंत हें टक घडटा म्हणटकूच म्हाकातरी विस्वास दवरचोच पडटा.

ही 'ती' म्हळयार म्हजी एक शेजान्न ! अर्थात हांव ह्या रूमार रावपाक आयल्यां देसच्यान. म्हळयार फकत ह्या एका म्हयन्या पयलीसावन.

हांवें रूम ताब्यांत घेतिल्लो ते दिसाची गजाल. सामान सुमान सारखें जाग्याक वन जनेलाकडेन उबो रावून हांव भोवतणचो वाठार नियाळटालों.

चोंयवशीन शेकानशेक पातळिल्लें शेत. तातूंत मदींच एक मळ. ताचेर धा बारा ॉटस. तातुंतल्या, हांव रावता त्या धरून पांच प्लॉटानी बंगले टायप घरां उबीं आशिल्लीं. किच्या कांय प्लॉटानीं घरां बांदपाचीं कामां चालू आशिल्लीं. तर हेर कांय प्लॉटांनी ाक लागता तें सामान येवन पडटालें. अशे तरेन गांवांभायर आशिल्लें तें बोडकें मळ का नव्या गांवांची आंगोस्तरां चडयतालें.

अचकीत आमच्या फुडल्यान आशिल्ल्या एका बंगल्याच्या जनेलार एक सोबीत दर बायल म्हाका बारीक तेळटा ती दिश्टी पडली. सुरवातीक हातूंत म्हाका व्हडलेशें जाप दिसलें ना. कारण नवो मनीस गांवात दिसलो म्हणटकच कोणूय अजापान ळयताच. पूण चार पांच मिनटां मलप्यो हालयनासतना ती म्हाकाय पळयत राविल्ल्यान व दुबावलों. तसो हांव कुडीन सणसणीत दिसतालों ही वेगळी गजाल. पूण एक जारी बायल म्हाका पळयत रावता हें म्हाका कशेशेंच दिसलें. पूण ती जर म्हाका ळयता जाल्यार हांवें कित्याक तिका पळोवची न्हय ! म्हूण हावेंय तिचेर नदर थीर ली. खऱ्यानीच सुंदर बायल कोणाक म्हणची ? हें तिका पळोवन थारावचें, इतली ती

सुंदर आशिल्ली.

.पळयता पळयता ती म्हजेकडेन वळख आशिल्ले भशेन हांसली. तेन्ना मात चक्रावलों. हांवे मेंदवाक ताण दिवन आदल्यो मदल्यो सगळयो यादी दोळयांमुखार ह पळयल्यो. पूण तिका खंयच पळयल्ल्योचो म्हाका कांय उगडास जायना जालो. म्हूण जनेलाकडल्यान कुशीक सरलों. कारण ती आंकवार चली बी जाल्ली जाल्यार सुजसर तिका पळयत रावतलों आशिल्लों. पूण एके वळखनाशिल्ले बायलमनश मागीर ती कितलींय सोबीत आसूं, पयलेच भेटींत दोळयांक दोळ लावन घुरकून पळो इतलो हांव निखालस निलाजरो न्हय.

हांव जनेलाकडल्या कुशीन सरलों खरो, पूण जनेला आड रावून तिच्या हालचाली हांवे नदर दवरली. हांव कुशीक सरनाफुडें ती धांवत भायर आंगणांत आयली. पूण मात परतून तिका दिश्टी पडलोच ना. कित्याक न्हय ? परक्या गावांत पयलोच दी बरें आसा वायट आसा. सामाळून रावप सदांच बरें. नस्तें लचांड कोणाक जाय? शि आसल्यार भुतां कितलींय मेळत.

हांव तसोच खाटीर आड पडलों. म्होवाच्या पोळयार मूस हुळहुळटात तशे तिज्याविशी कितलेशेच बरें वायटं विचार म्हजे तकलेंत नाचूंक लागले.

"एऽ आई?" कोणेतरी बायलेन आमचे घर मालकीणीक भायल्यान नाजूक उ केलो.

भितरल्यान 'ओऽ' दीत ती भायर आयली. आनी 'कोण वंदना गो?' अशें म्ह हांसत तिका येवकार दिल्लो हांवें आयकलो.

'नवो कोण भाडेकार आयला काय कितें गे ?" आयिल्ल्या व्यक्तीन वासपूस के आनी दुसऱ्याच खिणाक येदोळ त्या जनेलार दिश्टी पडिल्ली ती बायल आमच्या घरमालकि सयत म्हज्या रूमाच्या दारामुखार येवन उबी रावली. म्हज्या पोटांत पांच पांच! जरतर बायलेन म्हजेविशी इल्लोपासून दुबाव आमच्या घरमालकिणीकडेन परगटायत जाल्य सोमतीच म्हज्या कमरार खोंट पडटली हें हांवें त्याच खिणाक ताडलें. म्हूण मनातल मनात हांवें आकांतान देवाक एक उलो मारल्लो. आनी कितें अजाप? कांयच गडब करनासतना रूमांत अशीऽ एक वयल्यावयर व्हिस्त मारून ती गेलीं. हांवें समाधानाच एक उस्कार सोडलो. पूण त्याच बरोबर ही सामकी 'चालू' क़ाय कितें ? असो ए दुबाव म्हज्या मनांत पाळांमुळां घट करपाक लागलों.

दुसरेच दीस सहज उलयता उलयता हांवें आमच्या घरमालकिणीकडेन तिची बर घालून म्हणटात तशी काडली.

'ती एक नवीच काजारी बायल, सभावान खूब मायेस्त, दोन म्हयन्याफाटीं तिचे न जालां, घोव दुबय आसता, घरात मांय मांव आनी ती अशीं तिगांच मनशां, दर यन्याक तांका दुबयच्यान दोन अडेचहजार रूपया येतात आनी ताचेर तांचो संवसार ब्रान चल्ला म्हणपाचें कळ्ळें'

ही गजाल आयकून मात म्हज्या मनांत तिच्याविशीं आयिल्ल्या दुबावाचीं पाळां-ळां घट जालीं. पयलेच दीस ती म्हाका तशी कित्याक पळयताली हाचो म्हाका इल्लो लो अर्थ होलमूंक लागलो.

पयशांच्या नेटार कितेय करूं येता अशें जायत्या पयशेकारांक दिसता. पूण पयशे वन मनीस विकते घेवंक येतात तांचें मन न्हय, हें तांका कोण सांगतलो ? हजारानी त्या घरा धाडले म्हणटकूच बायल घराकडेन सुखान आसतली, न्हय, आसुकूंच जाय! शें दुबयकारांक दिसता जांवये. पूण पोटाच्या भुकेबरोबर आनीकूय जायत्यो भुको सतात हें ते सोपेपणी विसरतात आनी त्योच भुको जायते फावट अधोगतीक वयतात.

आपूण कसोंय आसूं, आपली बायल मात सामकी सोबीत, सुंदर आसूंक जाय ही यच्या दर एका तरनाट्याची अपेक्षा आसता. तिका पळोवन हेरानी आपल्या नशिबाचो वास करचो अशें लेगीत कांयजाणाक दिसता. हातूंत गैर अशें कांयच ना हें हांवूंय न्य करतां. पूण तिका व्यवस्थीत नंदोवंक जाय हातूंत दुबाव आसूंक शकना. आमच्या तिहासाचे दाखले लेगीत दाखोवन दितात की बायलमनशेक सांबाळची पट्टा. ंकवारपणांत आवय बापायन, लग्न जाली म्हणटकूच घोवान आनी म्हातारपणांत रग्यानी. पूण दुर्दैव हेंच की कांय तरनाटे हडकून हेंच करीनात. ते तिच्या वांगडा एक न म्हयनें संवसार करतात आनी पयशांचे आशेक भायर धांवतात. मागीर ती तरी बडी सती सावित्री कशीं कशी रावतलीं ? एक वेळ आंकवार चली दादल्याच्या हवासाबगर कितलोंय तेप आपली लज राखून रावूंक शकता. पूण न्हय काजारी यल! एकदा दादल्याच्या घामाची गोडी कळिल्ली खंयचीय बायल मनीस मनासारखो सरो दादलो मेळ्ळो जाल्यार सोपेपणी अलिप्त रावूंक शकना. हो तांचोतरी गुन्याव सो म्हणपाचो? हो सैमाचो नेम. चड उण्या प्रमाणांत सगळयाकूंच लागू पडटा म्हळयार ता. मागीर ह्या नेमाक म्हजी शेजान्नतरी कित्याक आडवाद आसची ?

बरें, घराकडेन तरी तिका सांबाळपी, तिचेर शेक गाजोवपी असो कोण आ
जाय आशिल्लो काय नाका ? तेंय ना. जाणटो मांव आनी मांय आसात घराकडेन.
बाबडीं सुनेक देख शिकयतली काय आपलो जीव सांबाळटलीं ? तातूंत करून आतां
सगळें रामाचें राज्य ! आतांच्यो सुनो केन्ना कितें करीत हें ब्रह्मदेवाच्या बापायक लेग
कळूंक कुस्तार. बरें, मावांन वा मांयन बऱ्या वायटाच्यो चार गजाली सुनेक सांग
आनी फाल्यां सुनेन आपल्या घोवाक एकाक चार करून सागंलें जाल्यार हे जाण
पिरायेर तीं बाबडी वाऱ्यार पडूंक शकतात. कारण लग्न जाल्लो चलो पयलो बायले
मागीर आवय-बापायचो. म्हणटकच ताणीं सगळें पळोवन करून फटें कामुरलें जाल्य
अजाप तें कितें ?

आतां निमाणो उरलों तो हांव. म्हजी तर खंयचेच परिस्थितींत चूक ना. हें हां
खंय रावून सिध्द करूंक शकतां. जिका कोणाचोतरी सांगात जाय आशिल्लो, हांवें दिल
तोंडाची खाज भागसर तिका कोणाकडेनतरी उलोवंक जाय आशिल्लें, हांव मेळ
लागच्या लागीं. हांव तिगेर केन्नाच गेलो ना. तीच म्हज्या रूमार येताली. खूब गजा
सांगताली. प्रत्येक फावट तिच्या दोळयांत एक अतृप्त आस म्हाका स्पश्ट दिसताल
आतां एक नवीच काजारी बायल जिचो घोव दुबय आसता तिच्या दोळयांत कस
अतृप्त आस आसूंक शकना हें सांगपाक कोणा ज्योतिशाची गरज ना. पूण हा
जिवितांत केन्नाच अतिताय केली ना. कारण हांव बेस बरो जाणा आशिल्लों. केन्नायत
म्हाका तिच्या कडल्यान आपोवणें येतलें आनी हांव व्हांवते गंगेत हात धुवन घेतलों
अशे करप पाप हें म्हाका तरी मान्य ना. वयल्यान अशे करप पूण्य अशेंच हाव म्हण
कारण एका भुकेन कंगाल जाल्ल्या मनशाक वाडप हें निखालस पाप न्हय.

खरें म्हळयार आमचें स्वताचें घर सोडून दुसऱ्यांगेर रावप म्हाका मात्तूय आवडना
लागींच्या सोयऱ्यांगेर गेल्यार पासून रोकडोच घरा परतुपी मनीस हांव. पूण तिक
लागून, हांव एका परक्या गावांत आसा अशें म्हाका ह्या म्हयन्याभरांत केन्नाच चुकू
लेगीत दिसूंक ना. वयल्यान शेनवारदीस घरा गेल्यार केन्ना काय एकदां परतो येयनस
दिसता.

ती सद्दां सांजची आमच्या घरमालकिणीगेर येता आनी 'आई अशें जालें, आई
तशें जालें', करून तिका चार गजाली सांगता आनी चडसो वेळ म्हजे कडेन उलोवपां
घालयता. अशी आमची इश्टागत उमाशे उप्रांत उदेवपी चंद्रिमाभशेन दिसानदीस पांवड्यां

ड्यानी वाडल्या. हांव जाल्यार आमचे इश्टागतीच्या पुनवेचीच वाट पळयतालो म्हळयार ता. आनी ती संद तिणे जेवणाक आपयल्यान आपसूक चलून आयली...

टण्ण ऽऽऽ घड्याळीच्या ठोक्यान हांव शिंतीदार आयलों. दनपारचें सारखें एक जाल्लें. तिणे म्हाका साडेबारा एकाच्या सुमाराक घराकडेन आपयल्लो. हांव बेगींन ोन उठलों, हातपांय तोंड धुले, चेर पोंव बी माल्लो आनी नवी मुस्तायकी चडोवन यर सरलों,

अपेक्षेप्रमाण तांगेर म्हाका हुनहुनीत येवकार मेळ्ळो. सुरवातीकतरी तिच्याबगर ांत म्हाका कोणूच दिश्टी पडलो ना. हांवें बारीक अदमास घेतलों. पूण कोणाचीच गमाग लागली ना. हांवेंय तांचेविशीं एका उतरान वासपुस केली ना. घडये फुडली ामोड गडगडीत वचची म्हूण तिणें पयलींच तांचो बंदोबस्त केला जांवये म्हूण वगी लों.

'बस आं' - म्हाका बसपाक सांगून ती भितर गेली.

हांवें मेजावयलो एक अंक उखल्लो. योगायोग तरी कितें ? मुखपृष्ठाचेरूच एके गडे बायलेचें चित्र दिश्टी पडलें. हांवें दोळयांची उमेद भागसर तें चित्र पळोवन घेतलें. ग एके अनामीक आशेन शिरशिरलें. आनीक कितेंय बी आसत काय ? म्हूण ळोवपाक हांवें आख्खो अंक वयल्या वयर चाळून पळयलो पूण भावना उंचाबळ करपी खाणा वा चित्रां म्हाका तातूंत दिसलीं ना. पूण म्हज्या मनांत रिगिल्लो वासेनेचो किडो त चडूच हुळहुळपाक लागिलो. खिणांखिणांक म्हजें मन माकडाभशेन हागां थंय उडयो रपाक लागलें. म्हज्या आंगात एके तरेचो शिरशिरोसो भरपाक लागलो. जीव बेठोच कूळ - पिळूक जावपाक लागलो.

आंग मोडीत हांव कदेलीवयलो उठलों. खिणभर दिसलें, असोच भितर धांवून चो आनी तिका घट्ट वेंगेंन धरची! पूण खूब कस्टान मनाक लगाम घातलो. जें पसुक हाता तोंडाकडेन आयलां ताका वेगळी कलाटणी दिवप बरें न्हय, असो म्हज्या कांच हांवें समजायलो.

हांव दुसऱ्या एका कदेलार वचून बसलों, थंय सद्च्या पेपरांचो दाळ आशिल्लो. वें बेठोच वयलो एक पेपर उखल्लो. पेपराच्या पयल्याच पानार सकयल्ल्या अर्दान ळक अक्षरांत छापिल्लें.

"वीस वर्सांचे सुनेचेर मावांचो बलात्कार"

“घरांत कोणनासो पळोवन.....”

फुडलें आनी म्हज्यान वाचूंक जायना जालें. हांव सामको पेटलों. बशिल्ले कडें थरथरूंक लागलों. वासनेचे उमाळयार उमाळे फुटूंक लागले. तेच धुंदीत हांव उठ आनी भितर गेलों. दारावटेन फाट करून ती वाडटाली. फाटलो फुडलो विचार करनासत हांवे तिका घट्ट धल्ली.

“नीचऽऽ” - हातांतल्या दोवल्याचो दाणोच तिणे म्हंज्या पोटांर मोंकलो. ह वळवळत फाटीं सरलों.

“थू तुजे अकलेर.” आनी खरेपणान ती म्हजेर थुकली. तिच्या दोळयांनी उ पेटटालो.

“सुण्या अकलेच्या, आरे राजबिंडाभशेन दिसपी तुज्या मुखामळा फाटल्यान इतलो बुरूथ विचारांचो आसशी अशें सपनांत लेगीत चितूंक नाशिल्लें. हांवे, आरे, एकदम इतलो अकलेक कसो आयलो काय म्हणटा हांव ?” ती रागान कडकडूं लागली. तिच्या दोळयांक दोळे मेळोवपाक म्हज्यान जायना जालें.

सट्ट करून तिणे म्हज्या मुस्तायकेच्या गोलाक धरलो आनी भरभरीत ओडू भायल्या सालांत हाडलो. घडिल्ल्या प्रसंगान हांव इतलो गर्भगळीत जाल्लों की म्हज्य आंगावयलो तिचो हात फाफडून उडोवपाक पासून म्हज्यान जालें ना. तिणे आलमा उगडून एक आलबम भायर काडलो.

‘पळय दोळे पेच्चून पळय हे फोटो. कामवासनेची साय बी दोळयांर चड़िल्ल आसल्यार सारकी पुसून उडय आनी मागीर पळय. तरूच तुकां कळटलें. हांव तुकां कि म्हूण मानता पळय तें” - अलबम काडून तिणे म्हज्या आंगार उडयलो.

हांवे दोळे पेच्च्यून ते फोटो पळयलें. मातसो आनिकूय म्हऱ्यात धरून पळयले. हय सारखो हांव. कांयच फारफेर ना. नाक, दोळे, तोंड सगळें म्हजेच भशेन. केंसांची स्टायल तर सारखी म्हजीच. तोंडार फुलिल्लो हांसो लेगीत म्हजेच भशेन.

“आज ताचो वाडदीस. पूण तो आतां ना ह्या संवसारांत. दोन वर्सां फाटीं आमक चौगा भयणीक भावा भायरीं करून गेलो. तू पयलेंच खेप दिश्टी पडलो तेन्ना म्हज्य दोळयांचेर म्हाकांय विस्वास बसलो ना. म्हाका दिसलें. म्हजो खाशा भाव म्हज्या मुखार उबो आसा! आनी त्याच खिणाक हांवें थारायलें. तो सोपूंक ना. तो तुज्या रूपान जितो

ासा. ताचो पुनर्जन्म जाला. देखून आयज हांवें तुकां आपयल्लो, तुज्या रूपान ताचो ाडदीस मनोवपाक" - म्हज्या खांदार तकली तेकोवन ती भळभळीत रडूंक लागली. ीच्या दुकांनी म्हजो खांद भिजपाक लागलो आनी तिचेविशींचो म्हजो गैरसमज त्या कां वांगडाच व्हांवून वचपाक लागलो.

●

प्रयोग

"विनोदाच्या पप्पा, आमचो बाबू आयला" - दारारंच उबें रावून माधवीचें व्हडले चलयेन म्हाका सांगलें आनी तें तशेंच भायर धांवलें. म्हज्या तोंडार हांसो फुल्लो तातूंत खोशये परस·गर्व चड आशिल्लो.

हरशीं माधवी आपल्या माणकुल्याक घेवन घरा आयिल्ली खबर सकाळींच म्हज्या कानार पडल्ल्या. कित्याक पडची ना? आमचें आनी माधवीचें बिराड फकत एके वण्टीन वेगळायलां. आनी आयतार जाल्ल्यान हांव तर घराच आशिल्लों. इतलेंय न्हय तर ते मोटमोट्यान उलयतालें. पूण हांव मात ताजे खबरेक गेलो ना. तसो तें हॉस्पिटलांत सुटिल्लें तेन्ना एक दीस ताजे खबरेक वचून आयिल्लो. हांव एक शेजारी ह्या नात्यान. वांगडा बायल आनी व्हडलो चलो आशिल्लीं. पूण आमचें नातें एक शेजारी हाच्या परस नक्कीच चड आशिल्लें.

खरें म्हळयार ताका आयज घरा हाडलां म्हूण हांवें तांगेर वचपाकूच जाय आशिल्लों. पूण गेलो ना. कित्याक गेलो ना, हें म्हज्या म्हाकांच खबर ना, म्हूण माधवीन आपले व्हडले चलयेक धाडून म्हाका खुणायलो जातलो, म्हणटात न्हय, समझनेवालेको इशारा काफी होता है.

कुळारा कितेंतरी देवसपण आशिल्ल्यान शेनवार दिसूच म्हजी घरकान्न तिगांय चल्यांक घेवन कुळारा गेल्ली. हरशीं ते आशिल्लें जाल्यार मुजरत माधवीचे खबरेक वचपाचें. कारण माधवीची खासा इश्टीण तें. मॅट्रिकेक वांगडाच बसून वांगडाच नापास जाल्लीं खंय दोगांय. बायलांची जात ती ! एकदा सहज उलयता उलयता वीणान सांगून उडयलें म्हाका. आतां बायलेची इश्टीण म्हणटकच म्हजींय इश्टीणूच जाली ना ? म्हूण

म्हजी आनी माधवीची इश्टागत हेर शेजाऱ्यांपरस मातशी दाट देखून रेकादाचो मान राखपाखातीर म्हाका तांगेर वच्चोच पडलों. हांवें आंगार खोमीस चडयलें आनी लुंगेनच भायर सरलों.

'यो' - स्वता माधवीनच म्हाका येवकार दिलो. आपल्या बाबुचे सुकत घातिल्ले माणें व्हरपाक तें भायर आयिल्लें.

"खंय रे तूं ? जाग ना माग. रागार आमचेर ?" हांव वगीसो पळोवन माधवीनच विचारलें.

'तुमचेर रागार जांवन खंय वतलो हांव ?'

'फकाणां करीत हांव मदल्या सालांत गेलों.

पाळण्यांत बाबू खेळटालो. हांवें ताका धरलो. पोर आंगारूपान आवयचे बडीर गेल्लो. पूण भुंवयो मात दाट आशिल्ल्यो आनी माथ्याक खुबूच केस आशिल्ले. हरशीं बापूय तुळ तुळीत खड्डो. भुरगेपणांत आपणाक भरपूर केस आशिल्ले म्हूण सांगतालो तो एक दीस. कदाचीत खरें आसतूय बी. कोणे सांगचें? पूण त्या माणकुल्याचे केंस पळोवन म्हाका मात म्हज्या तिगांय चल्यांची याद जाली. ते जांल्ले तेन्ना तांकांय अशेच दाट दाट भुवयो आनी माथ्याक खूब केंस आशिल्ले.

हांवें त्या माणकुल्याच्या दाव्या पायांचीं बोटां पळयलीं. निमणी दोन बोटां सुरवातीक एकामेकाक दसून नाखटांकडेन वेगळीं जाल्लीं. हांवें बेठोच म्हज्या पायांक हात लायलो आनी म्हज्या हावूंच हांसलों. लागींच माधवी आशिल्लें. तेंवूय हांसलें. खरेंच मोनी भास काळजानूच पारखुपाची.

"बाबू सारखो तुजेच भशेन हांसता, दोळे धांपून" - माधवीन बाबुची तोखणाय केली. पूण म्हज्या पोटांत पांच पांच जालीं. कारण म्हऱ्यानूच ताचो घोव उबो आशिल्लो. ताची मांय भायर भितर बोवाळटाली. तांका बेठोच दुबाव बी येत जाल्यार. सहज उलयल्लें मोट्यार पडूंक शकता.

'हांसतलोच न्हय? हांव शेजारी मगो ताचो. भुरग्यांक थोडेतरी गूण शेजाऱ्याले येवंकूंच जाय" - हांवें हांसत मखलासी केली.

"विणा कुळारा गेलां खंय ?" - विशय बदलापाक ताणें म्हजे घरकान्नीची खबर घेतली.

हावें 'हय' म्हूण तकली हालयली.

'जेवता खंय तर तूं?" - ताणें वासपूस केली.

"आमचें भामिनी भोजनालय आसाच न्हय गो."

"आयज तूं जेवपाक खाणावळींत वचूं नाका. फकत शीत कर. हुमण आनी तोंडांक आमी दितां " – ताणें सुचयलें.

बरो वरभर हांव तांगेर बसलों. आयल्यो पयल्यो खूब गजाली केल्यो. थोडो वगत व्राजो घोव लेगीत आमच्या वांगडा गजालींक बसलो. आनी ताचे मांयन दिल्ली च्या पिवन हांव भायर सरलों.

घरा येवन हांवें कशेंतरी शीत रांदले. एकाक सुमार माधवीच्या मांयन सुंगटांचें हुमण, चार बांगड्याच्यो तळिल्ले कुडके आनी वाटीभर मुगाच्यो गांठी धाडून दिल्यो. सुसेगाद भरपूर जेवलों. आनी खाटीर आड पडलों. पूण दोळो लागता ? फाटले सगळे प्रसंग तकलेच्या तळयांत यादिचे शेंवटे कशे उडयो मारपाक लागले.

हय. सारकें अकरा म्हयन्या पयलीं ह्या नाटकाक सुरवात जाल्ली. म्हाका तो म्हयनो तर बाद आसाच पूण तारीख लेगीत बेस बरी याद आसा.

म्हाका तिसरो चलो जाल्लो त्या तिसऱ्या दिसाची गजाल. खरें म्हळयार म्हाका चल्याच्या जाग्यार चली जाल्लें जाय आशिल्लें पूण ऑर्डर तशी सप्लाय मेळपाक भुरगीं कितें कारखान्यातल्या भायर सरनात ? मनशानी फकत हातपांय हालोवपाचे. देकून तिसरोय चलोच जाल्ल्यान म्हाका व्हडलिशी खोस भोगली ना.

पूण दुख जालें अशातली गजाल न्हय. तीन सोडून सात आठ चले जाल्यार लेगीत कोणाक दुख जावचें ना. पूण साखरभात पासून सदां जेवपाक बेजार येताच न्हय. देखून आपल्या संवसारांत चलो-चली आसची अशें दिसप साहजिकच. पूण म्हाका चलो जालो म्हूण माधवीक मात वेगळीच खोस भोगली. ताणें म्हजेकडेन पेडे मागपाचे सोडून म्हजे बायलेचे खबरेक वतना स्वता आपणेन एक कील पेडे व्हरून दिले.

तर, म्हाका तिसरो चलो जाल्ल्या तिसरे दिसाची गजाल. व्हडले दोगूय चले आजोळा आशिल्लें. हांवें म्हज्या एका कामाखातीर रजा काडिल्ली. कसोय जाल्यार घरा आसाच बायलेक च्या तरी व्हरून दिवची. तितलेंच ताच्या जिवाक बरें दिसतलें अशें म्हज्या म्हाकांच मनाकडेन दिसलें.

हरशीं जेवण-खाण, च्या-पाणी ताका ताज्या कुळाराचीं मनशां हाडून पायतालींच तरी आसतना घोव ह्या नात्यान म्हज्या हातान केल्लें कितेंतरी व्हरून ताका दिवचें अशें दिशिल्ल्यान सकाळीफुडेंच च्या बी केली आनी हॉस्पीटलांत घेवन गेलो.

धाकटो न्हिदिल्लो. हांवें ताच्या माथ्यावयल्यान हात भोंवडायलो आनी खबर घेवन पंदरा वीस मिनटांनी भायर सरलों. येतना परतून च्या भरून व्हरपाक थंय आशिल्लो रिकामो थर्मास हाडलो.

घरा येवन हांवें कपडे बी बदलले आनी गॅस पेटोवन च्याक आदण दवरलें. इतल्यान कोणेतरी दारार मारलें. दार काड जाल्यार माधवी हांसत दारांत उबें आशिल्लें. हावेंय तोंडभर हांसत ताका येवकार दिलो.

"आयज कामाक वचूंक ना काय कितें ?" भितर येत ताणे विचारलें. आनी विचारीत बद्द रांदचे कुडींत पावलें.

"ना, हरशींच कितेंतरी काम आसा म्हूण रजा काडल्या" – उलयत उलयत हांवय रांदचे कुडींत पावलों.

'कितें करता ? गॅस सो पेटयला म्हूण म्हणटां" – तोपावयलें शिबें उखलून ताणे पळयलें. तोपांत उदक खतखतालें.

'विणाक च्या करून व्हरतां. येदी" - गडवंची वयलो च्या पाल्याचो डबो काडीत हांवे सांगलें.

"ह्यान पयलीं केल्ली केन्ना ?" - म्हज्या हातांतलो डबो ताणे झोपोवन घेतलो. जशी काय म्हाका च्या करपाक कळना हाची ताका खबर आशिल्ली. झक मारीत वगी रावचो पडलो.

तें च्या करता तें पळोवन हांव भायर आयलों. मेजावयल्या घड्याळीर णव वरां जाल्लीं, हावें रेडीओ चालू केलो.

'रूप तेरा मस्ताना, प्यार मेरा दिवाना.. ' हें पद चलतालें.

आकवारपणीं पिकचरांत हें पद पळयतना आंग सामकें झुमझुमतालें. आतां संवय जाल्या. म्हऱ्यांत रावून बायलेन कपडे बदल्ले तरी कांयच दिसना.

"भावोजी तुजे फाटीक शिबां जाल्यांत काय कितें ? म्हजे उगते फाटीर बोट

तेकयत माधवीन विचारलें

"आता म्हाका कशें कळटलें ? म्हजे फाटीक काय दोळे ना न्हय ?" हांवेंय फकाणा केलीं. पूण खरे म्हळयार ताणें फाटीर ते बोटां तेकयल्ल्यान म्हाका वगीच खातकुल्यो शो जाताल्यो.

ताणें आपल्या हाताचो आख्खो तळवो म्हजे फाटीर तेकोंवन ल्हव भोंवडायलो. तेन्ना मात म्हज्या आख्ख्या आंगातल्यान एक शिरशिरीशी धांवली.

हरशीं वीणा आसतना पासून माधवी म्हजेकडेन मनमेकळेपणान वागतालें. हांव पासून ताच्या पोल्याक चिमटो काड, फाटीर थांपट मार, असलें करतालों. तरी लेगीत आयचें ताचें वागप म्हाका मातशें वेगळेंचशें दिसलें.

"च्या जाली ?" - मनांतलो सगळो गोंदळ लिपयत हांवें ताका विचारलें.

जाप दिवच्या बदला ताणें म्हाका एकदम वेंग मारली. ही ताची करणी म्हाका अनपेक्षीत आसुनय सेकंदा कणकणी म्हज्यांतलो दादलो तापूंक लागलो. पूण रोकडोच हांव शादूर जालो. भायलें दार उगतेंच आशिल्लें. सकाळचों णव सवाय णवचो वगत जाल्ल्यान झूप करून कोणूंय पावूंक शकता, हें सगळें चितून हांवें ताची वेंग सोडोवपाची खटपट केली.

"म्हाका जाय" - आपली वेंग घट करीत आनी म्हजे छातयेर तोंड घांशीत तें फुतफुतलें.

"आगो पूण दार....." म्हजी जाप सोंपच्यापयलींच तें धांवत दाराकडेन गेलें आनी भितरल्यान दाराक घालून परत म्हाका वेंग मारली.

एके बायलेन आपणेच जावन वेंग मारली म्हणटकूच दादलो विचार कसलो मडसरेचो करतलो ? हरशीं म्हूण चार पांच म्हयनें हांव उपाशीच आशिल्ल्यान म्हाकाय बायल मनशेचो सांगांत जाय जाय सो दिसतालो. म्हणूनच जायत, कांय मिनटांभितर म्हजेर कसलोतरी सांवार आयलो. दोळे धुंद जाले, तकली भेरेल्ले भशेन जाली. मिनटा मिनटांक कितें बरें, कितें वायट, खंयचें पाप, खंयचें पुण्य, ह्या विचारापासून हांव पयस पयस व्हावून वचूंक लागलों. आनी तें तीन भुरग्यांची आवय हाचो लेगीत म्हाका विसर पडलो. ती एक मादी इतलेंच म्हाका कळटालें.

हांवें आनी मागीर वगत केलो ना. आशिल्ली नाशिल्ली सगळी शक्त एकाठावन ताचेर शेवटलों.

बेगिबेगीन जाल्ल्यान पांचूच मिनटा भितर खेळ सोंपलो. शिरंतरानी व्हांवपी उजो मातसो मातसो न्हिवपाक लागलो. पूण बरोच वगत खरस मात उरली. आंगार घामाच्यो झरी व्हांवपाक लागल्यो. आनी घामाचे थंडसाणेन बी जायत घडये, म्हज्या मनाकडेन बेठेंच दिसपाक लागलें, जें कितें घडलें तें सारकें न्हय. पूण चितून फायदो नाशिल्लों. हांवे तकली हालयली आनी सकळो गोंदळ झडोवन उडयलो.

"अशें करतले म्हणून पयलींच चितून आयिल्लें काय कितें तूं ?" सगळें सोपतकूच फाटल्यानच्यान ताका वेंग मारीत हांवे विचारलें. तें आमच्या आलमारीच्या हारशांत पळोवन केंस आनी साडी सारखी करतालें.

म्हाका ताचे कडल्यान जाप मेळळी ना. झूप करून ताणें भायल्या दाराची खिळी काडली आनी भायर तकली घालून दाव्या उजव्यात पळोवन हांसत भायर सरलें. म्हाका ताच्या धाडसाचें कौतूक दिसलें.

न्हावन धुवन अकरांक सुमार च्या चो थर्मास घेवन हांव हॉस्पिटलांत वचपाक भायर सरलों.

"भावोजी आयज जेवपाक आमगेर येवपाचो आं ?" - माधवीन सांगलें.

हांवें रोकडोच आं म्हणून तकली हालयली. कारण येदोळ ते तशें कित्याक वागलें हें म्हाका जाण जावंक जाय आशिल्लें.

एकाक सुमार माधवी जेवण घेवन म्हज्या बिराडार आयलें.

'एऽ येदोळ तुकां अकस्मात मोण्णे शे मारून आयलें ? खरेंच सांगता तुका, तुजें वागप म्हाका कशेशेंच दिसलें " - हांवें सुरवात केली.

"म्हाका चलो जाय" हातांतले दोनूय तोप मेजार दवरीत मातूय लजनासतना तकली सकल घालून ताणे म्हाका स्पस्ट सांगलें. आमी पसऱ्यार वचून, म्हाका अमकें जाय, म्हूण मागी बी ना ? तसों ताचो निश्चेय ताच्या दर एका उतरांतल्यान कळटलो.

"हय गो. पूण म्हजे कडेन संबंध दवरल्यार तुकां चलोच जातलो म्हूण खंयच्या देवान सांगलां ?" हांवें मातसो आवाज चडयलो. कारण आमी दोगांय काजारी जाल्ल्यान

इल्लोसो पासून कोणाकूय दुबाव आयलो जाल्यार दोगांयचे संवसार मातये भरव
जावपाची भिरांत आशिल्ली.

"हे विशीं 'हांवे' खूब चवकशी केल्या. कांय दोतोरपासून म्हणटात की ज्या दादल्यापासून चलेच जातात ताचेकडेन शारिरीक संबंध दवरल्यार फकत चलयोच जावपी बायलेक चलो जावंक शकता. कारण चलो वा चली जावप हें दादल्याच्या वीर्या अवलंबून आसता खंय" - तें उलोवपाचे थारलें आनी म्हज्या दोळयांत पळोवन ताणे फुडें सांगलें - हें म्हजें काम वाऱ्यार घालिनासतना फकत तूंच करुंक शकता. करता न्हय? - ताचो आवाज मातसो घोगरो जालो. तातूंत म्हाका आकांताची याचना दिसली.

"आनी म्हज्यापासून तुकां परतीय चलीच जाली जाल्यार ?' हांवें दुबाव उलोवन दाखयलो.

'तशें जालें जाल्यार म्हज्या असलें कपल फुटकें हांवूंच अशें हांव समजन. फाटोफाट तिगूय चलयोच जाल्ल्यान मांय तर म्हज्या फाटल्यान लागल्या. घोवापासून म्हजेकडेन पयलीं सारखो वागना. फकत चलयोच जाल्यो हो कितें म्हजोच गुन्यांव ? पूण सगळी म्हाकांच दुशण दितात. शेजारी पाजारीपासून म्हजेकडेन काकुळटेन पळयतात. अशे परिस्थितींत हांवें कितें करपाचें ?" तें गंभीर जावन उलोवपाक लागलें.

'ही रिस्क घेवचे परस तूं कोणाकूच पोसको कित्याक घेना?' हांवें सुचयलें.

'पोसको तो पोसकोच. तो म्हज्या रक्ता मासाचो जांवक शकना. आनी पोसको कोणे घेवपाचो ? जांका भुरगींय ना ताणें. कशींय जाल्यार आमकां भुरगीं आसाच न्हय? हांव तुकां सांगतां, फकत एकल्या घोवान पसून म्हाका समजून घेतिल्ले जाल्यार आयज हांव इतल्या सकयल्या पांवड्यार पावचेंच नाशिल्लें. चलो जाल्लो म्हाका नाकां जाला? पूण म्हजी बाजू कोण समजुनच घेना. म्हाका दिसता बायलां आडमार्गाक लागपाक खुबशे फावट दादलेच कारण आसतात.

तशें हांव हांचीय चूक करीना. म्हजो घोव आवय बापायचो एकलोच पूत. म्हणटकूच ताका आपलो वंशज जाय सो दिसलो जाल्यार अजाप न्हय. म्हूण हांवें हो मार्ग आपणायलो, एक प्रयोग म्हणून. सादल्यार सादलें. आनी आस बाळगितां, तूं तरी म्हाका समजून घेतलो आनी म्हाका भीक घालतलों" - ताचे दोळे भरुन आयले.

हांव भावनावश जालों. कोणतरी म्हज्या काळजाच्या गोंड्याक हात घालून हालयता अशें म्हाका दिसपाक लागलें. म्हाका ताची बाजू पटपाक लागली.

'ही भीक काय दान, पाप काय पूण्य हेंच कळना म्हाका. पूण इतलें जरुर जाणा
ी हे करणेन एका विस्कटुंक आयिल्ल्या संवसाराची परती घडी बसता सारखी जर
ायत, जाल्यार ह्या पापाक लेगीत आपखोशयेन माथें मारपाक हांव तयार आसा" हांवें
ाका वेंगेंत घेवन थापटिलें.

ह्या कानाची खबर त्या कानाक कळपाक दिनासतना आमी परतीं परतीं एकठांय
वेंक लागलीं. केन्ना घरांत केन्ना भायर अशें करता आसतना आपल्या घोवापासून
आपणाक गर्भ धरचो न्हय हाची जतनाय तें घेतालेंच. एका म्हयन्या भितर पांच स अर्द
ीस रजा सोपयल्यो हांवें आनी एक दीस कळ्ळें की माधवीक दीस गेल्यात!

दीस गेले, म्हयनें सोंपले आनी बरोबर णव म्हयने णव दिसानी माधवीक चलोच
ालो.

ह्या दिसानी न्हिदता, बसता उठटा आसतना ज्युस्त हेंच चित्र म्हज्या तकलेंत
ाचत आसता.

●

प्लॉट

भौमानेस्त रमाकांत,

नमस्कार,

तूं पणजे प्लॉट घेवपाक सोदता म्हूण आयजूंच तुमच्या परेशाकडल्यान कळ्ळें. तशें जाल्यार मिरामार व्रतना कांपालाच्या मातशें मुखार रस्त्याक तेकुनच दावे वटेन १०० x ५० मेतरां लांबायेचो म्हजो एक प्लॉट विकपाक आसा. हांव तसो दर बी चड सांगचो ना. स वर्सां पयलीं हावें जे दरेन तो विकतो घेतिल्लो तेच दरेन, विकपाक तयार आसा. हाचो अर्थ म्हाका दुसरो प्लॉट वा घर मेळ्ळां, अशें समजुनाका. तशें म्हाका स्वताचें घर-दार, भाट-बेंस कांयच ना. अशें आसुनय हांव हो प्लॉट विकपाक फुडे सरलां हे पळोवन म्हाका पिशें बी लागूंक ना मूं ? अशें तुकां दिसूंक शकता. पूण ना. देवा दयेन आनी मेल्ल्यां गेल्ल्यांच्या पुण्यायेन आजून तरी लागूंक ना. पूण ह्या आठ धा दिसा भितर जर तूं जांव आनी कोणूंय सभागो हो प्लॉट विकतो घेवपाक फुडें आयलो ना जाल्यार मात लागूंक शकता.

दिसानदीस वाडपी घरभाड्याक लागून ल्हानशेंच जांव मागीर तें, पूण आपलें स्वताचें घर आसचें अशें कोणाकूय दिसप साहजिकूच. देखून मोटे खटपटीन हावें हो प्लॉट विकतो घेतिल्लो. कितलो खोशी जाल्लों हांव हो प्लॉट मेळिल्लो तेन्ना ! प्लॉट म्हज्या नांवांर जाल्लो ते दीस लागींच्या इश्टांक ल्हानशी पार्टी लेगीत दिल्ली हावें. आयुश्यांत पयलेच फावट कितेंतरी मेळयल्ल्याची खोस भोगिल्ली म्हाका. म्हजी बायल तर इंद्रपद मेळयल्ले वरी खोशी दिसताली. देखून फुडल्या कामाक आमी नेटान सुरवात केली.

पंदराच दिसां भितर धा लोड चिरे हाडून प्लॉटाच्या भोंवतणी पयलीं दुरीग घालून घेतलें. सरकारी फार्मांतल्यान चार कवाथे, चार गार्फा हाडून आठूय दिवकांक रोयलीं. तरे तरेची गुलाबाचीं आनी हेर जायत्या फुलांचीं झाडां हाडून लायलीं. आतां सवकास फावता तशें इल्लें इल्लें सामान एकठांय करून वर्सा भितर घर उबे करचें हें म्हजें सपन आशिल्लें. पूण आमच्या ह्या भरील्ल्या संवसाराक कोणाची दिस्ट लागली म्हणून कोण जाणा, म्हयन्मान सुमार आमकां दोगांयक प्रोमोशन दिवन दमणाक बदली केल्या म्हणपाची ऑर्डर हातांत पडली. सगळे उमेदीर एकदम विरजण पडले.

बदली रद्द करून घेवपाक हांवें खूब खटपट केली. वळखिच्यांक सगळयांक हालोवंन पळयले. सायबांक सागवाती पावयल्यो. पूण कोणेंच कानामनार घेतलें ना. कमीत कमी गोंयांतल्या गोंयांत खंय तरी बदली करात म्हणून विनवणी करून पळयली. पूण ना. खंयच कश्शेंच सादलें ना. घर फिरलें थंय वाशे कित्याक फिरचे नात ? तिडकीन दोगांय दोन दोन म्हयने मेडिकल रजेर रावलीं. रजा सोंपली पूण बदली कायम उरली.

'सद्याक वचात. मागीर पळोवया' हीं उतरां आयकुपाक सायबाक घराकडेन वचून सलाम मारचो पडलो.

बायल म्हणपाक लागली, आपूण ना जाल्यार नोकरेचो राजिनामो दिता ! केदीं पिशेपणां ? हुंदराच्या रागान घराक उजो लायिल्लो हिशेब जालो ना हो ? ही सिर्विस करताली म्हणूनच तर बऱ्यो बऱ्यो सोयरिकोनी सोडून हांव हिचेकडेन लग्न जाल्लों. ना जाल्यार हे म्हारगायेंत एकल्याचे जोडीन घर बांदपाचें खरें ? तेंवूय शारांत विकती जमीन घेवन ? वयल्यान गांठीक दोगां भुरगी! निर्शेल्ल्या मनान भुरग्यांक हॉस्टेलांत दवरून आमी दमणाक गेलीं.

दमणाक गेल्याउपरांत चार पांच म्हयन्यांनी सेकेंड सॅटर्डे, आयतार आनी सोमारादीस हॉलीडे अश्यो सेग्गीत तीन दीस रजा मेळिल्ल्यान ताका तेकून आनीक तीन दीस रजा घेवन हांव एकलोच गोंयांत आयलो.

भुरग्यांची खबर घेवन बद्द हांवें प्लॉटार धांव मारली. पळय जाल्यार आमच्या प्लॉटांत एक खोंप उबी आसा! म्हाका माल्ली भिरभिरी. खोंप हुमटून उडोवन भितर आशिल्ल्यांक खोंट मारून धांवडांवचीं म्हणून हांव दुरगाच्या भितर मात सरलां, एक सुणो भोंकत म्हज्या आंगार आयलो. आनी फाटोफाट भुरग्यांक हांडीर मारिल्ली एक घाटीण भायर सरली.

"तुमकां हांगां रावपाक कोणे परवानगी दिल्ली ?" सुण्याकूय मोट्या आवाज
हांव तिचेर तापलों.

हांव कोण तो तिका रोकडेंच कळ्ळें जावंये, सट्करून हांडीर आशिल्ल्या भुरग्या
म्हज्या पांयांर दवरून ती घोऽघोऽ करून रडपाक लागली.

'एऽ असल्या नाटकांक भीक घालपी मनीस हांव न्हय समजली ? विचार पाचा
कांयच नासतना तुमी हागा भिंतर सरलींच कशीं ? हो किते तुमच्या आज्याचो फांत
सरलीं भितर, बांदली खोंप म्हणपाक ? - हांवें दया माया मातूय दाखयली ना.

"चूक जाली पात्राम. चार दीस जाली, हामची मेस्त्री हामचेकडेन झगाडली आनी
हामकां कामावयल्यान धांवडायली. हामची पांच दिसाची पगार शुद्दा खाल्ली मेल्ल्यान
हामकां रावपाक खंयच आसरो मेळ्ळो ना. म्हणून हामीं हिंगा येयली पात्राम. ह्य
जमनीची पांयगूण बरी आसा मात्राम. ही आमची बाळाक हिंगा येवचे आदले दीस
जोरान सामकी फडफडताली. अय्यो पापा. पूण हिंगा येयल्या उपरांत दुसरेच दीस
कितेंच वखद-पाणी करिनासतना सडसडीत जाली. देवाचे उपकार. आनी थोऽडे दीस
आमी हिंगा रावाता मात्राम. तुम् उठ म्हणटा तेन्ना हामी उठटा. आमची कितें आसा
आज हिंगा जाल्यार फाल्यां थिंगा अशें भोंवन रावपाची" - अशें म्हणून परत भळा भळ
रडपाक लागली.

म्हज्यान सगळें पळोंव येता. एकादल्याचो खून केल्लो लेगीत. पूण बायलांच्य
दोळ्यांतली दुकां मात म्हज्यान कश्शींच पळोंवनजो.

"बरें बरें. रडप बंद कर पयलीं ' - हांव म्हण्टा थंय आसा, ती एकदम रडपाची
बंद जाली. ब्रेक लायिल्ले भशेन.

"कोण कोण रावता तुमी हांगां ?"

"हांव आनी मजो घोंव ?" - म्हज्या पायांर दवरिल्ल्या भुरग्याक परत हांडीर
मारीत तिणे जाप दिली.

"खंय तो ?"

"तो सकाळी घरा भायर सरलेली पात्राम. आतां येवपाची जाली."

इतल्यान पुंजायल्ल्यो लाकडाच्यो थोड्यो बडयो घेवन तो आयलो.

तिणें ताका म्हजी वळख सांगली. तोंडभर हांसत तो म्हाका पांयां पडलो. पळोवपाक

री म्हाका तो एक भावराती मनीस कसो दिसलो.

"नांव कितें रे तुजें ?" - भाटकाराच्या रुबाबान हांवे ताका विचारलें.

"पुट्टप्पा पात्राम" - नमळायेन ताणे जाप दिली.

"तूं हागा बरे भशेन रावतलो मरे ?" हांवें ताकीद दिवन विचारलें. नेटान हांसत ाणें बैला भशेन 'हय' म्हणून तकली हालयली.

'तशें जाल्यार सारखें आयकून घे. हांगा कसलींच बुरशेपणा जांवक जायना. हे मचे खोंपीक आनी कितेंच करूंक फावना. ना जाल्यार वणटी बी काडशात ! तुमची ांडून आनीक कोणाचीच खोंप ह्या जाग्यार दिसूंक फावना. दिसली जाल्यार तुमकां ांवडायतलों आनी तांका दवरतलों. हांव सद्याक दमणाक आसतां. चार पांच, चार ांच म्हयन्यानी येयत रावतलों. तेन्ना म्हाका ही गार्फा हे कवाथे कळकवीत जाल्ले दिस्टी डूंक जाय. ह्या फुलांच्या झाडांक अशींच फुलां फुलिल्लीं आसूंक जाय. कितें ?

"बरें पात्राम' - पुटटपाच्या बदला मुमुखी हांसत ताचे बायलेनूच जाप दिली. पूण ांव हांसलो ना. कारण हांसता तो फसता म्हणपाची जाण म्हाका आशिल्ली.

बोवाळांत बोवाळ करून हांवें आनीक दोन लोड चिरे घेतले, पुटटप्पाचे वळखीन ्की कडेन सवाय भितर थोडें मदेर मेळ्ळें, तेंय घेवन दवरल्लें. सिमिटा खातीर मामलेदाराकडेन ्क अर्ज उडोवन दवरलो. आनी पुटटापाक फावल्यो सगळयो सुचोवण्यो दिवन हांवे मणची वाट धरली.

म्हजे बायलेक ही खबर कळनाफुडें तिणें सामको जगदंबेचो अवतार घेतलो.

"तुमकां मात्तूंय कशें वेव्हार गिन्यान ना काय म्हणटा हांव. मेळटा ताचेर विस्वास ्वरप? फाल्यां तो घाटी भायर सरपाक तयार ना जालो जाल्यार कितें करतले तुमी? ांख मारीत बसतलें?"

"आगो निशा, चुट्टेच्या सोरपाक भिवन ह्या संवसारांत दीस काडपाचे आसात? ्क दोन वर्सां आमच्या प्लॉटांत खोंप काडून उल्लो म्हणून किते प्लॉट ताचो जाता? ातां कितल्याश्याय अर्दकुट्या इमारतीनी घाटयानी संवसार थाटिल्ले पळयतात आमी. हूण कितें त्यो इमारती तांच्यो जातल्यो ? हांव कितें पिसो न्हय. हांवें म्हणून खूब बरो ायट, फाटलो फुडलो विचार करूनच ताका आमच्या प्लॉटांत रावपाक परवानगी देल्या. हरशीं म्हणन आमच्या प्लॉटार नदर दवरपी आमचो असो कोणू आमकां जायच ाशिल्लो न्हय ? त्या जाग्यार हो घाटी फुक्या सवाय! आतां आमी घराक लागता तें ्क एक सामान एकठांय करप आनी दोन तीन वर्सांनी बदली जावन गोंयात पावतकूच

मागीर एकदम घराक हात घालप." हांवें तिका थंडसाणेन समजावपाचो यत्न केलं आनी मजा म्हळयार तिका हें सगळें व्यवस्थीत पटलें.

परत चार पांच म्हयने म्हाका गोंयात येवपाची संद मेळ्ळीच ना. पूण पुट्टपाकडे पत्र वेंव्हार चालूच आशिल्लो. प्रत्येक चिटयेंत तो आमकां कवाथ्याची, गार्फाचीं फुल झाडांची खबर चुकनासतना बरयतालो.

वर्साच्या माथ्यार एक एक म्हयन्याची रजा काडून आमी गोंयांत आयलीं. गोंयच्य भुंयेर पांय लागनाफुडें पयलीं आमी प्लॉटा कडेन धांव मारली. तर तें पळयतलो किते खोंपीच्या जाग्यार दोन पाख्याचें घर उबें आसा! वयल्यान चुडटांच्या जाग्यार कळमेल पत्रे चडयल्यात. ते वाऱ्यान उडून वचचे न्हय म्हूणून तांचेर ल्हान ल्हान चिऱ्याचे कुडवे दवरल्यात. घराच्या चारूय वटेन व्यवस्थित चिऱ्यार चिरो दवरून पारेती कश्यो काडल्यात हें सगळें पळोवन म्हजे बायलेचें पित्त खुबळ्ळें. तिणें पुट्टापाक सामको धारेर धरलो.

"तुमी समजतात तशें न्हू बाय तें. ती मदेर वतांत करपताली न्ही म्हणून ताक सावळी केल्या."

पळयत जाल्यार खऱ्यानीच सगळें मदेर भितर व्यवस्थित माणून दवरिल्लें. म्हाक 'सू'ऽ दिसलें.

हे फावट हांवें वारांवाचो एक लोड घेतलो आनी पुटटप्पाच्या वळखीन एक मुकदमा कडल्यान दोन लोड रेवेंची वेवस्था केली.

दीस अशेच हांसत खेळत वताले. एकवटेन पुटटप्पाच्यो बऱ्यापणाच्यो चिटये शेग्गीत येताल्यो आनी दुसरे वटेन म्हजी बदलेची खटपट नेटान चालू आशिल्ली. नशीब म्हूण कितलो तेप आमचेर फाट फिरोवन रावतलें ? एक दीस फुडो करचोच पडलो एकदाची परत आमची बदली पणजे जाली.

सुदैवान बदलेची ऑर्डर हातांत पडिल्ले तिसरेच दीस दमणसाव एक खाली ट्रक गोंयांत वचपाचो आसा म्हणपाची खबर म्हाका कळ्ळी. हांवे आनी वगत केलो ना. सगळयो फॉरमालदादी एकाच दिसाभितर सोपोंवन साटली पोटली बांदून तो ट्रक हांवे धरलो.

प्लॉटाकडेन पावून हांव मातसो घुस्पलों. कारण म्हाका थंय पुट्टप्पाली खोंप वा पत्र्याचें घर दिस्टी पडलें ना. दिसतालें तें आमच्या प्लॉटांत एका बंगल्यांचें नेटान चलिल्लें काम. हांवें थंयच एका मनश्याकडेन वासपूस केली. ताणें म्हाका एका काळया कुळकुळीत पूण धवीफुल लुंगी न्हेशिल्ल्या मनश्याकेडन व्हेलो.

'हें कितें चलयलां तुमी ? म्हज्या प्लॉटांत घर काडपाक कोणें परवानगी दिली तुमकां ?" - हांव आड्डलों.

येन्नाधर म्हजी घरकान्नूय थंय पाविल्ली. तिवूय मातसो आवाज चडोवन उलयली.

"हें पळयात तुमचो कितेंतरी गैरसमज जाला सो दिसता. हो पुटटप्पा म्हणटात ताचो प्लॉट. एका म्हयन्या पयलीं ताणें हो प्लॉट म्हाका ह्या सगळ्या सामाना सकट विकला. जाय जाल्यार तुमच्यान सगळे दुकमेंत तपासून पळोवं येता" - अशें म्हणत ताणें म्हाका त्या प्लॉटाचे इश्कुरतुल, बंगल्याचो प्लांत बी दाखयलो.

म्हाका वांगडाच शेळो घाम फुटलो. दोळे धांपून उगडटा म्हणटासर कोणेतरी म्हाका बुड्डून खाल्लो, म्हजें सर्वस्व लुटून व्हेल्लें. म्हज्या अबरगदपणाचो फायदो घेवन पुट्टप्पासारकिल्या एका साद्या, आनाडी मनशान म्हाका जल्माची ख्यास्त घडयल्ली. म्हजी बायल तर एकूच किळांच मारून जमनीर पडली ती आजुनय तेंच धुंवळींत आसा. तिणे बाबडेन आपलें सगळें भांगर शिंगर विकून प्लॉटा खातीर पयशे उबे केल्ले. देखून म्हज्यापरस तिका चड शॉक बशिल्लो म्हळ्यार जाता. दोतोरान सांगलां, तिका वखद पाणी व्यवस्थीत केलें ना जाल्यार ती पिशी जांवक शकता.

हांवें एका बऱ्या नावाजत्या आदवोगादाक फुडें काडून कोर्टाचें दार खटखटायलें. न्याय देवता न्हिदूंक नाशिल्ली. पुटटप्पाली सगळीं पाडीं कर्मा भायर सरलीं. ताणें बनावट कागदपत्रां तयार करून म्हजो प्लॉट त्या मनश्याक विकिल्लो म्हणपाचें सिध्द जालें. हें भानगडींत मामलेदार ऑफिसांत आनी सर्वे ऑफिसांत काम करपी ताचे दोग गांव भांव ताका फितुर आशिल्ले म्हणूनच सगळें उजवाडाक आयलें.

सद्या पुटटप्पा फरार आसा. पोलीस ताचो सोद घेतात. म्हाका प्लॉट दिल्ल्या भाटकाराचे साक्षेक लागून हालींच म्हजो प्लॉट म्हाका मेळ्ळा.

पूण एकेवटेन हो कोर्ट कचेरीचो खर्च, दुसरे वटेन बायलेचो, तिसरेवटेन भुरग्यांचो, अशें जांवन हांव सामको अर्थिक अडचणीत सापडलां. देखून घर काडपाचें सपन बेमुदत फुडें धुकलून हांव हो प्लॉट विकपाक फुडें सरलां. गरजवंतान.........

●

जात्रा

आमची "जात्रा स्पेशल" बस सुटपाक सुमार धा बारा मिनटां बाकी आशि
चडशे यात्रीक आपापलें सामान सुमान सारखें जाग्याक लावन बस सुटपाचीच
पळयताले. गोकर्णाच्या शिवरात्रेक लागून बस स्पेशल आशिल्ल्यान सगळी सिटां लोव
पयलींच रिजर्व करून दवरिल्लीं. स्टेंडींग यात्रीक तर बाबडे एकामेकांक सामके खे
म्हणटा तशे उबे आशिल्ले. अशें आसुनय अजापाची गजाल म्हळयार म्हज्या कुशी
सीट मात रिकामींच दिसतालें. आपणाक बी मेळत हे आशेन जायते जाणानी
सिटाविशीं म्हज्यालागीं वासपूस केली. पूण खरें म्हळयार हांवूच त्या सिटाविशीं कां
नकळो आशिल्लों.

"ह्या सिटार चली बी ना मूं ?" अचकीत एक विचार म्हज्या मनाक आपडून गे

खिणभर ह्या विचारान हांव भुल्लुसलों. हांव कोण ? खंय वचपाक भायर सरल
म्हजी पिराय कितें ? हें सगळें विसरून हांव काळजाच्या खंयतरी कोनश्याक सुखाव
म्हज्या आंगार मुठभर मास चडिल्लेभशेन म्हाका दिसलें. हांव हड्डें फुलोंवन मात
तायट बसलों आनी चक्र करून म्हजी नदर बशिंतल्या हारशांत दिसपी म्हज्या पडबिं
पडलीं. हांव फुलिल्लो तितलोय आंवुळळो. कारण हांव पन्नास वर्साचो एक आंक
जाणटो हाची म्हाका त्या पडबिंबान याद करून दिली.

हांवें एक लांब सुस्कार सोडीत हारशांतल्या पडबिंबाक पळयत सहज म्हज
मुखावळावयल्यान हात भोंवडायलो. लग्न जांव वा जांव नाका, पिराय ही कोणाकू
रावना. वर्सा कणकणी पिराय वाडत वता आनी मनीस जांणटो जांयत रावता. तसो
हांवूय जाणटो जाल्लों. म्हणटकूच एका जाणट्याचे कुशीक चली बसोंव ना जाल्य

ागीर जाणटी बसोंव, व्हडलोसो कितें फरक पडपाचो आसा ?

हें हांवें वयल्यावयर चितलें खरें. पूण म्हजो स्वाभिमान जागो जालो.

"कोणाक कापास्ताद आसा जाणटो म्हूण म्हजेकडेन बोंट दाखोवपाची ? फकत हांगां थंय पिकिल्ले थोडे केस सोडल्यार हांव पन्नास वर्सांचो जाणटो म्हूण सोपेपणी कोणाच्यानच सांगू नज. कारण ह्या पन्नास वर्सांच्या पिरायेर लेगीत हांव सामको चाळीस वर्सांच्या दादल्या भशेन आंगा पेरान भरून दिसतालों. अशें म्हज्या भितर हांव चित्तालों. इतल्यान 'पात्रांव, आमच्या आईकडेन मातशें लक्ष दियात आं?" - कोणाच्यातरी विनवणेन हांव चितनाच्या तनरितल्यान भायर आयलों.

एकोणीस वीस वर्सांचो एक तरनाटो, सुमार पन्नास साठ वर्सांचे एके जाण्टेलेक म्हज्या कुशिनच्या त्या रिकामी सिटार बसयत म्हाका सांगतालो. हांवें जाय दिनासतना ते जाणटेलेक बारीक पळोवन घेतली.

रूंद मुखामळ, चेपटे पोले, पान खावन तांबडे जाल्ले दांत, सामके भितर गेल्ले. पूण व्हडले लिकलिकपी दोळे, गरूडाभशेन लांब पातळ नाक, सामके धवे जाल्ले केस, आनी बारीक हात पांय, ही तिची दशा पळोवन हांवें मनांत म्हटले, हे पिरायेर हिका आनी बाबडेक खंयच्या देवान सांगल्या काय जात्रा ?

हांव आपणाकुच पळयता हें तिच्या लक्षांत आयलें जांवये, ती हय न्हय शी हांसली. पूण हांवें मात तोंडार कसलोच हावभाव दाखयनासतना त्या तरनाट्याकडेन पळोवन 'जायत' अशे तरेन तकली हालयली.

'देव तुमचें बरें करूं" - त्या तरनाट्यान म्हाका आशिर्वाद दिलो!

बस सुट्टना भितल्ल्यानी भायल्यांचें आनी भायल्यानी भितल्ल्यांचें हात हालोवन बरें चितलें. असो एकलोच यात्रीक कोणाकूच हात दाखयनासतना निर्विकार मनान बशिंत बशिल्लो, तो म्हळयार हांव. कारण हात दाखोवपाक म्हजो असो म्हाका पावोवपाक प्रासार कोणूच येंवक नाशिल्लो. खरें म्हळयार म्हाका कोणाची गरजूच नाशिल्ली. पंचवीस वर्सा मिलटरींत शिर्विस करून रिटायर जाल्ल्या म्हज्या सारकिल्ल्या मनशाक जात्रेच्या निमतान भोंवडेक वतना दुसऱ्यांच्या निरोपाची कितें गरज ! आनी हरशीं म्हूण बायल भुरगीं नाशिल्ल्या म्हज्या सारकिल्ल्या जाणट्याक निरोप दितलो तरी कोण ? एक एकदा दिसता आंकवार रावून हांवें व्हडली चुक बी करूंक ना मूं? पूण रोकडेंच म्हजें दुसरें मन म्हाका विचारता - "लिलूक विसरूंक शकतलो आशिल्लो तूं?"

खरेंच, सत्तावीस वर्सां जालीं हे गजालीक. पूण लिलूची याद मात सत्तावीस दी
जाल्ले भशेन जिवी तट्टीच आसा म्हज्या काळजांत...

तिगां धुवेर हांव एकलोच आनी निमणो पूत जाल्ल्यान घरा म्हजी न्हयनसर्त
अपुरबाय जाताली. ताका लागुनच जावये म्हजी घुमशेणां, मस्त्यापणां दिसान दी
वाडटालीं. अपुरबायेन हांव आलमपेड्यार जावचो न्हय म्हूण बापायन शिकपाक म्हा
व्हडले भयणिगेर दवरिल्लो. पूण तिसऱ्याच वर्सा म्हजो बापूय ॲक्सिनेंत जावन भा
पडिल्ल्यान म्हाका परत घरा हाडलो. त्या ल्हान पिराचेर लेगीत बापायच्या मरणा
म्हजेर परिणाम जालो. म्हजी अवजाळीपणां, आडांगिपणां आपशींच निवळ्ळीं.
भशेन शिकून फस्ट क्लासीन एस. सी. पास जालों. कॉलेजीक वचचे पयलीं भयणि
वचून येवचेशें दिशिल्ल्यान एकदीस अचकीत स सात वर्सांच्या खंडा उपरांत तां
पावलों.

बायलांक कुळाराची मनशी घोवाच्या गांवात दिस्टी पडलीं म्हणटकूच सर्ग मेळिल
भशेन दिसता, अशें म्हणटात तें फट न्हय. तिणे म्हाका कितें विचारलें आनी कितें ना
म्हज्यान सांगुनज. जेन्ना आयल्यो पयल्यो गजाली विचारून तिचें तोंड वळ्ळें तेन्नाच म्हा
च्या बी दिंवक जाय हें तिच्या लक्षात आयलें. म्हाका बसपाक सांगून च्या करपाक त
भितर गेली. सहज मेजावयलो एक पेपर उखलून हांवें चाळपाक सुरवात केली.

इतल्यान भायर आंगणांत कोणाच्यातरी पावलांचो आवाज आयकून हांवें वळू
पळयलें. एक पंदरा सोळा वर्सांचे चली भितर येतालें. पयसल्यानूच आमची नदरे
नदर मेळ्ळी. आवयस, ताचे ते व्हडले व्हडले लिकलिकी दोळे पळोवन हांव भारावल
भशेन जालों. कोणूय जांव मागीर, म्हज्या भयणीगेर येता न्हय म्हूण हांवें बेठोच तोंडा
हांसो पिकयलो. पूण ताणे आपल्या दोळ्यांची उगड धांप करून, चाफ्याच्या कळय
भशेन आशिल्लें नाक मुड्डून फुडल्यान हड्डयार खेळपी विणयांक फाटीर आपटून नेटा
भितर गेलें. बशिल्लेकडेन म्हाका झेलाद पिकासांव जालें. हरशी हांवें दोळो वा फोकाण
बी मारिल्ली जाल्यार वेगळी गजाल आशिल्ली. पूण म्हजो कसलोच गुन्यांव नासतना त
चली म्हजेर पिकार कित्याक जालें तेंच म्हाका कळ्ळें ना.

"व्हनीबाय, कोण गे तो भायर बसला तो?" ते चलयेन भितर वचून तक्रारिच्या
सुरांत विचारलें.

'आगो, आमचो आनंद मगो तो ' – हो भयणीचो आवाज हांवें वळखलो.

“आं, आनंद तो?’ – ते चलयेन अजापान विचाल्लें.

“आरे, म्हळयार हें चली म्हाका वळखता तर!” - बशिल्ले कडेन हांवें तर्क केलो.

इतल्यान तीन कप च्या आनी तीन बश्यांनी लाडू घेवन तें चली आनी म्हजी भयण ायर आयलीं. हांव मातसो गंभीर तोंड करून बसलों.

“आरे आनंद, लिलू तुकां वळखलेंच ना खंय!’ – हातांतल्यो कप बश्यो मेजार वरीत भयणीन सांगलें.

‘कितें ? म्हळयार.. हें लिलु? My God !” - म्हज्या तोंडातल्यान अजापभरीत तरां भायर सरलीं. कारण म्हाका येवजातालें तें स सात वर्सां पयलींचें म्हज्या वांगडा गडपी साडेतीन फुट उबारीचें किडकिडीत शेजाऱ्यालें लिलू ! पूण तेंच लिलू आयज ाडे पांच फुट उबार वाडून सामकें तें S भशेन दिसतालें.

हरशीं भयणीगेर शिकपाक आसतना शेजारी पाजारी जायते फावट आमकां घोव ायलां म्हूण चाळयतालीं. म्हाका खूब लज दिसताली. पूण लिलू मात म्हाका सांडून ोणाच वांगडा खेळूंक वचनाशिल्लें. कोणेंय फॉकाणानी ‘तूं आनंदा वांगडा लगीन जाता ो? म्हूण विचारल्यार ‘हय’ म्हूण सगळयां हुज्जीर म्हजो हांत धरतालें.

व्हनीबाय व्हनीबाय करीत दुसरे दीस सकाळीं धांक सुमार लिलू आयलें. हांव ोडून घरांत कोणूंच नाशिल्लो. भयण बाजारांत गेल्लीं. भुरगीं शाळेंत गेल्लीं, भावोजी ऑफिसात गेल्लो. हांव उलयनासतना वोगीच रावलों.

“सायबाली चूक मागपाक अर्ज करचो पडटलो काय कितें?” - हांव गंभीर सो ळोवन लिलुन पोले फुगोवन म्हाका विचारलें. बेज्यार जालें म्हणटकच अंशें पोले ुगोवन उलोवपाची ताकां पयली सांवन संवय आनी ती म्हाका खूब मानवताली. हांव ांसत नदर हालयनासतना ताका पळयत रावलों. तेंय म्हाकांच पळयतालें. ताचे दोळे हजेर इतले थीर जाल्ले की म्हजें पडबिंब ताच्या दोनांय दोळयांनी म्हाका स्पस्ट दिसतालें. यली भशेन ते नदरेंत भुरगेपण नाशिल्लें. एके तरेचें आव्हान आशिल्लें. पळयता ळयता हांव भारावल्ले भशेन जालों. म्हज्या मनांत ताच्याविशीं जी एक आपुलकाय ाशिल्ली, जी एक ओड आशिल्ली ती चड थीर जाली. घडये तो आमच्या मोगाचो खरो ुरो उदेंत बी जावये. हांव दोन पावलां फुडें गेलों. दावो हात ताच्या खांदार दवरलो ानी उजव्या हातान ताच्या पोल्याक मायेमोगान एक चिमटोसो काडलो. ताच्या ुखामळावयल्या बेज्याराचो जागो हांश्यांन घेतलो.

"आगो पिश्या, म्हज्या लिलुचेर हांव रागार कसो जांव ?" ताच्या माथ्यार
भोंवडायत हांवें सांगलें.

"खरेंच? आनीक एकदा म्हण पळोवया? तुज्या तोंडातल्यान हितीं उतरां आय
आयकन शीं दिसतात" - अशें म्हणत ताणे म्हाका घट्ट वेंग मारली...

आंगार कितेंतरी जडशें जाणवलें आनी हांव चितनाच्या तनरितल्यान जागो जा
कुशीन पळय जाल्यार जाणटेली सुसेगाद आपली तकली म्हज्या खांदार दवरून झेमता
झेमेत तिचो पालव बरोच कुशीन सरिल्ल्यान फल्ग पोलकातल्यान तिची थाना म्ह
नाशिल्ल्यो सुक्यो पोळयो कशी हुमकळटालीं तीं दिसतालीं. हो देखाव पळोवन कसले
बुरशे विचार म्हज्या मनांत रिगले ना. बुरशे विचार भावनेचेर आधारिल्ले आसूक शक
देखुनच जायत घडये, नागडी उगडी भोंवता ती मोनजात पळोवन आमच्यो भाव
केन्नाय उचांबळ जायनात.

जाणटी मनीस, न्हिदता जाल्यार न्हिंदू बाबडी म्हूण खांद हालयनासतना जतनाये
हांवें तिचो पालव सारखो केलो. म्हजें लिलू... तेंय बाबडें अशेंच परिस्थितीच्या मोडा
सापडून चिडडून मुडडून संवसाराच्या कोनशाक खंयतरी गुटली जांवन पडिल्लें आसत
काय? बेठें चितुनूय म्हजो जीव कासावीस जालो.

'ना. शक्य ना. तें बाबडें आसूं आपल्या घरा सुखान. संवसारांतली सगळीं, सुख
ताच्या पायांकडेन लोळुदीं" - आयज सत्तावीस वर्सा उपरांत लेगीत म्हजें मन ताच्या
अर्दान उबें रावलें. म्हजो आनी ताचो एकवट जांवक पावलो ना हातूंत ताचोत
बाबड्याचो कितें गुन्यांव ? तो नशिबान रचयल्लो एक खेळ...

कॉलेजच्या पयल्याच वर्साची परीक्षा. हांव नेटान शिकतालों. परीक्षेंत फस्ट क्लासीं
पास जावन लिलू कडल्यान शाबासकी घेवची ही त्या फाटली इत्सा. हरशी पयली साव
हांव फस्ट क्लासीक आनी फस्ट क्लासीन म्हाका केन्नाच दगो दिंवक नाशिल्लो. म्हणू
मोट्या विस्वासान पेपरबी बरयले. आनी परीक्षा सोपतकच लिलू खातीर परत भयणिगे
वचचे शें दिसलें. वचचे वचून लिलूंक मेळटलों, दोळे भरून पळयतलों. ताची याद जाल
म्हणटकच कितलो आनी कसो बेचैन जातालों हें सगळें सांगतलों.... अश्यो कितल्योश्योच
गजाली ताका सांगपाखातीर मनांत साठोवन दवरल्यो.

सदचे भशेन सामको नेटान म्हाका भयणिगेर येवकार मेळ्ळो. सहज उलयत
उलयतां लिलुच्या लग्नाची खबर आयली. म्हजे कान शिटूक जाले.

'तूं सात आठ दीस पयलीं येवपाचो. ज्युस्त लिलुच्या लग्नाक पावतलो ाशिल्लो........" भयण सांगताली पूण ह्या एकाच वाक्यान म्हज्या काळजांत कच ांलें.

सुरवातीक जर म्हज्या कानार म्हाकांच विस्वास बसना जालो. लिलू लग्न जालें ? ाका कांयच कळयनासतना? कशें शक्य आसा? हींच उतरां परत परत म्हज्या कानांत ुंवपाक लागलीं. म्हजेर आकांत कोसळ्ळो. दोळयांमुखार काळोखच काळोख दिसपाक ागलो. तरणे पिरायेर केल्लो आमुरपिको मोग तो आमचो. आमची काळजांक काळंजा ाशिल्लीं. पूण लिलूक हाची जाणविकाय कशी उरली ना हाचेंच म्हाका भोंवन भोंवन अजाप दिसपाक लागलें.

"लग्ना पयलीं लिलू घरच्या वांगडा खूब तेम खेळ्ळें. आपणाक इतले बेगीन लग्न ावचें ना हें एकूंच ताचें म्हणणें आशिल्लें. पूण कित्याखातीर लग्नाक तयार ना तें मात ांगनाशिल्लें. आपलो हट्ट पुरो करपाखातीर तीन चार दीस उपाशी लेगीत रावलें तें. ूण घरचीं वगी रावतात ? ताणीं फोर्सान ताचें लग्न लावन दिलें" - घडिल्ली गजाल ोड्या भितर भयणीन म्हका सांगली.

समजूंक जाय तें हांव समजलो. म्हणटात न्हय, समझने वालेको इशारा काफी होता ै. लिलु ना त्या गावांत एक दीस काडप लेगीत म्हज्यान नजो जालें. एक म्हत्त्वाचे काम आसा म्हूण भयणीक सांगून तेच दीस सांजचो हांव घरा परतलों.

लिलुक लागून हांव सामको भ्रमिस्ट कसो जालों. म्हाका कित्यानच आसक्त दिसना जाली. जेवपाक जाय म्हूण जेवप. खावपाक जाय म्हूण खावप, जावपाक लागलें. ्हजें. ही म्हजी वागणूक आईचे नदरेंतल्यान सुटली ना. तिणें आरतून परतून खूब फावट ्हज्या मनांतलें जाणून घेवपाची खटपट केली. पूण हांवे तोंडांतल्यान जाप काडली ना. कारण तिका सांगून कांयच फायदो ना हाची म्हाका पुराय जाणविकाय आशिल्ली.

हे मजगती म्हजे परिक्षेचो निकाल लागून हांव फस्ट क्लासीन पास जालों. पूण ्हाका मात्तुय खोस भोगली ना. आनी कॉलेजींत दुसऱ्या वर्साचो प्रवेशूंय घेतलो ना.

वर्स देड वर्सा भितरूच म्हाका कळून चुकलें की हांव हे भशेन लिलूचो हुसको घेवन बसलों जाल्यार म्हाका पिशें लागलें बगर रावचें ना. म्हूण कोणाकच सांगनासतना एक दीस मिलटरींत भर्ती जालों. इत्सा एकूच आशिल्ली, घरा रावून लिलुचे यादीन पिसो जावचे परस देशाचे चाकरेक आसतना वीर मर्ण येवचें आनी जिणेचें सार्थक जावचें.

पूण ना. वीर मर्ण येवपाक लेगीत नशीब लागता. हांव मिलटरींत आसतना दो
गेर्रा जालीं. दोनय फावट हांव गेर्रांत आसा. सामको फुडें. पूण म्हाका कांयच जालें न
म्हाका जाल्यार दिसता जो मर्णाक भिना ताका मर्ण भिता आनी जो मर्णाक भि
ताका मर्ण भेस्टायता.

पंचवीस वर्सा मिलटरींत चाकरी करून रिटायर जावन हांव घरा आयलों. पू
लिलूक मात विसरूंक शकलो ना.

हांव सोडून घरांत आनीक कोणूय नाशिल्लो. आई तर हांव मिलटरींत भर
जाल्या उपरांत म्हज्या हुसक्यान हो संवसार सोडून गेली. म्हूण जिवितांतले निमाणे दी
देव देव करून काडचे अशें हावें थारायल्लें.

हरशी मिलिटरींत आसतना हांव खूब भोंविल्लों. हिमालय ते कन्याकुमारी आन
आसाम ते कच्छ मेरेनचो सगळो वाठार दोन दोन, तीन तीन, फावट माड्डील्लो. म्हळया
वर्साच्या माथ्यार दोन म्हयने रजा मेळटाली ती वड करून हांव भोंवडेनच घालयतालें
तरी आसतना पयलीं पळयल्लीं तिर्थां परतींय पळयन दिसतालीं.

जायते फावट एक विचार म्हज्या मनांत धुमशेणां कांडटालो. जाणें जुवानपणां
म्हाका सतायलो. म्हज्यों आशा आकांक्षा मातये भरवण केल्यो त्या देवाक ह्या जाणटेपणां
कित्याक भजपाक जाय ? पूण हे विचार खिणयाळे थारताले. कारण देवाच्या दर्शनान
देवाच्या चिंतनान म्हज्या मनांक एक वेगळीच धादोसकाय भोगताली. म्हजें थकील्लें मन
थाऱ्यार येतालें...

"कितें चित्ता बाबा?" ..... जाण्टेलेन म्हजी खबर घेतली. आनी हांव खूब वर्साच्या
न्हिदेतल्यान उठिल्ले भशेन वास्तवीक संवसारांत आयलों. हांव म्हज्याच चितनांत इतले
घुस्पल्लों की ती केन्ना जागी जाली हें लेगीत म्हाका कळळें ना.

"कांय ना गे. बेठोच दोळे धांपून न्हीद येता जाल्यार पळयतालों" – कितेंतरी
उलोवंक जाय म्हूण हांव उलयलो. हरशीं म्हज्या काळजाक पडिल्ले हुलोप तिका सांगून
फायदो तरी कितें आशिल्लों? पूण मागीर विचार केलो आतां फाटले सगळें चितुन कितें
करपाचें आसा ? मोन्यानी बसचे परस जाण्टलेकडेन कितेतरी उलोवन टायमपास
करचो.

"आगे, ह्या जाणट्यापणांत तुकां हो देव आनी धरम कित्याक जाय आशिल्लो ?

त्रेक गेल्यारूच देव मेळटा अशें कितें आसा ? तूं जिवाक मात बेठोच त्रास करून तली" - तिच्याविशी म्हज्या मनांत आशिल्ली काकुळट हांवें उलोवन दाखयलीं.

"आनीक कितें उरलां बाबा म्हजे हे जिणेंत ? कोणाक म्हणपाचें न्हय पूण सऱ्यांक सांगलें म्हणटकच मन ल्हव ल्हव जाता म्हूण सांगता. आंकवारणांत जाच्या मोगान पडली ताचेकडेन लग्न जांवक पावली ना. जेचे कडेन लग्न जाली तो पांच साडेपांच वर्सांचोच सांगात दिवन म्हाका एकलेक ह्या संवसारांत सांडून गेलो. दोगां भुरगीं आशिल्लीं गांठीक म्हूण आत्मघात बी केलो ना. तांका ल्हानाची व्हड करपाक ही कूड झरयली. आतां देवाचे दयेन चलयेचें लग्न जालां. बऱ्या घरा पडल्या. चलो शिर्वीसेक आसा, कसोंय जांव पोटा पेजेक लागलो म्हळयार जाता. म्हणटकच आतां हांसको ना डुसको. खूब वर्सां जालीं. शिवरात्रेक वचपाचो खूब सोस आशिल्लो. पूण ऐन त्या वगतार कितें ना कितें काम उप्रासतालें आनी जात्रेक वचपाचो बेत रद्द करचो पडटालो. पूण अंदू अचकीत संद जुळून आयली. म्हूण म्हटलें वचून येवया एकदां. त्या लिंगार माथें तेकलें म्हणटकच हांव सुखान जीव सोडपाक मेकळी' - बायलांचे तोंड तें, म्हज्या एकाच प्रस्नाचेर जाण्टेलेन आपली सगळी काणी सांगून सोपयली.

तिची ही काणी आयकून म्हाका समदुख्खी मनीस मेळिल्ल्याचो आनंद जालो. म्हाका दिसलें की दुख्ख म्हणटा तें फकत म्हज्याच न्हय तर म्हज्या असल्या कितल्याश्याच लोकांच्या वाट्याक आयलां. म्हूण तिचे चुरचुरे करीत हांवें तिका सांगलें -

"चिंतिल्लें सादत जाल्यार दळिद्र कित्याक बादत ? अशी एक म्हण आसा. सगळयांच्याच नशिबांत कितें सूख नासता. आतां हेंच पळय न्हय. मोग्याक वगडावन तूं संवसार सूख तरी पळोंवक पावली. पूण हांव मोगिकेक लागून म्हजें सर्वस्व वगडावन बसलों. सदद्या म्हजी जीण म्हणजे सुकाणें नाशिल्लें व्हडें जालां. तें एक दीस खंयच्यातरी खडपार आपटून चुरो जातलें हातूंत दुबाव ना" - हांवें एक दीर्घ सुस्कार सोडलो आनी जनेलांतल्यान भायर पळोवंक लागलों. म्हजें मन लिलूचे यादीन चडूच उदास जालें.

जाणटेलीय वगीच रावलीं. थोडो वेळ आमचेमदी शांतताय पातळ्ळी. आमची बस कारवार फाटी उडोवन खंयचो तरी चडाव काडटाली. आमच्या मदलें मोनेपण म्हाका तोंपपाक लागलें.

"तूं गावांन खंयची गे ?" - आमच्या मदल्या गंभीरतायेची खरसाण कमी करपाखातीर हांवें तिका विचारलें.

“हांव बाबा कुंभारजुवेंची, पूण म्हजें कुळार आगशे कामती वाड्यार.”

“आरे, तशें जाल्यार लिलूक म्हळयार लिलावती कामतीक वळखता आसतली न्हय ?” हांवे उमेदीन विचारलें.

‘निळकंठ कांमतीली चली मूं ?” - तिणे म्हज्या तोंडाक पळयत अजापान विचार...

“हय’ - हांवें तकली हालयली. कितल्याश्याच वर्सानी लिलूची खबर सांग... मनीस मेळिल्ल्यान हांव मनांतल्यान खोशी जालों.

“हावूंच ती.”

“कितें ? म्हळयार... म्हळयार.. तूं ...” म्हज्या तोंडातल्यान उतरांच भायर सर... जालीं. हांव दोळे पेच्चून तिकाच पळयत उरलों.

मोगिका

चलता चलता हांवें मनगटावयल्या घड्याळीर नदर मारली. धा जावन पांच मिनटां जाल्लीं. खंयचेंय परिस्थितीत सवायधांची ट्रेन म्हाका धरपाकूच जाय आशिल्लीं. म्हूण हांवें मातशी नेटान पावलां उखलूंक सुरवात केली. हरशी कायदेशीर ती ट्रेन धांक सुटूंक जाय. पूण कायदयाचें पडलां कोणाक ? आतां पांच वर्सा जायत आयलीं, हांव पळयता, ती ट्रेन सवाय धा पयलीं केन्नाच सुटूंक ना. मागीर आयजूच धांक कशी सुटत ? असो मनांतल्या मनांत झगडत हांव झपझप पावलां उखलतालों.

"अमोलऽ" - कोणेतरी बायलेन म्हाका मोट्यान उलो केलो. नकळटा म्हज्या चलपाचो गतीक ब्रेक लागलो. पूण हांव थारलों ना. चलता चलता फाटल्यान् वळून पयस मेरेन हांवे एक नदर मारली. वळखिचो असो कोणूय दिश्टी पडलो ना. हरशी म्हूण ह्या वास्को शारांत गोंयकार म्हणटा तो सोदून लेगीत सापडूंक कुस्तार अशी परिस्थिती जाल्या.

कोण खंयच्या अमोलाक उलो करना म्हूण कोण जाणा ? हाका ताका पळयत चल्लो जाल्यार ट्रेन चुकतली आनी म्हज्या फुडल्या कामाक पाड पडटली म्हूण पयलीच्या नेटान परतून म्हजे वाटेक लागपाक वळटा आसतनाच 'ढ़ा'ऽ करून एके घाटणीक आदळ्ळों. म्हजें आदळप तिका बरें ऽ दिसलें जांवक जाय, ती हय न्हयशी हांसली. मुरवतीक हांवंय मातसो हांसलो आनी थंयच फसलो.

'एनरी? कण् काणोल्ला ?" - ती म्हजेर तापली. तापली म्हळयार तिच्या तोंडातल्यान पेजाद उतरां भायर सरली म्हूण तापली म्हणपाची. ना जाल्यार एनरी काय शेंदरी म्हणटा तें कळटा कोणाक?

हरशी कितेंय जांव पूण हांव तिका आपटलों, म्हणटकूच चूक म्हजी. ही नैतीक जापसालदारकी आपणावन जाप काडनासतना हांव म्हजे वाटेक लागलों.

"अमोल ऽ" - परत फाटल्यातल्यान तोच आवाज आयकूंक आयलो. हे फावट तो आवाज म्हाका मातसो वळखिचो कसो दिशिल्ल्यान हांव थंयच उबो रावलों. थंयच उबो रावपाक आनीक एक कारण आशिल्लें. येदोळची चूक परतून घडिल्ली म्हाका नाका आशिल्ली.

रस्त्याचे दुसरेवटेन म्हज्यापासून कांय फुटाच्या अंतरार आशिल्ले एके बायलेन म्हाका हात हालोवन वळख दाखयली. घडये आपणेनूच उलो मारिल्लो हें दाखोवपाक ती हात हालयताली जावंये. पूण सट्ट करून म्हाका तिची वळख मेळ्ळी ना. तिचें तें व्हडल्या फ्रेमिचें वक्ल तर सुरवातीक म्हाका दुर्बिणच कशें दिसलें. देखून हांव थंय घुस्पलों. दुर्बिण लावन पळोवपा इतलो खऱ्यानीच हांव 'मोटो मनीस' काय? असो म्हज्या म्हाकाच हांवे प्रस्न विचारल्लो ? पूण ती रस्तो हुपून म्हऱ्यांत पावनाफुडें म्हजी म्हाकांच लज जाली. कारण ते आशिल्लें रोशन !

"कसलो मनीस रे तूं ? सामको बाप्पा कसो! हांवें तुकां कितलें उलो मारले जाणा? तुंवें आयकुनूच घेवंक ना. वाग फाटीक लागिल्ले भशेन फाटीं पळयत खंय धांवतालो ?" तक्रारीच्या सुरात ताणें विचारलें.

हरशीं ताचें लग्न जावन तीन वर्सां सोपलीं. आनी लग्ना उपरांतची आमची ही पयलीच भेट. तरी आसतना पयलीं सारखेंच तें रागार फुगार जावन उलयलें.

जाप दिनासतना हांव तोंडभर हांसलों.

"कसो आसा तूं?" - ताणे म्हजी खबर घेतली.

"आसा बरो. तुजें कशें चल्लां ?" पांय ते तकली मेरेन ताका पळयत हांवें म्हजी जापसालदारकी निभायली.

"एकदम फस्टक्लास!' दोनांय हातांनी फाटले वटेन धरिल्ली पर्स हालयत छाती फुडें काडून हांसत ताणें जाप दिली.

"खरेंच आं. तूं भलायकेन कितलेशेंच सुदारलां. घोव बरोच वयल्यावयर करता दिसता' - सुरवातूच हांवें ज्योकान केली.

तें हांसलें. पूण लजलें ना. जालेंय जाल्यार आतांच्या सुशिक्षीत बायलांक लजपाक कळना. त्यान परस लजपाक जमना म्हणप चड बरें.

"खंय धांवतालो रे इतले ताकतिकेन ?' तें मुळपदार आयलें.

"सवाय धांची ट्रेन धरपाक' - हांवें सांगलें.

'कळाव जालो जाल्यार घराकडेन बायल हजेरी घेता दिसता?' जिबेन एकेवटेन पोलो फुगोवन सेंडल्सच्या खोंटार आपली कूड धोलयत ताणे म्हजे बायलेच्या सभावाचो अदमास घेवपाचो यत्न केलो.

"ए! तूं बी जाल्लें जाल्यार करतलें आशिल्लें तशें. म्हजी बायल बाबडी सामकी सादी भोळी मगो" - हांवें बायलेचो पाखो घेतलो.

"हय तर, तुजी बायल न्हय तर ती ? तुवें तिचो पाखो घेंवपाकूंच जाय. एक खेप पळयल्या हांवें तुजे ते बायलेक" मान हालयत व्हडलो सोद लायिल्लेभशेन ताणे सांगलें.

"बरें जालें ना ? आतां केन्नाय मेळ्ळी जाल्यार वळख आनी करून दिवपाची गरज ना" - हांवें फोण्ण मारलें.

"तिका पळोवन म्हाका 'मट आँड जेफ' व्यंगचित्राची याद जाली. तूं लांब लांब लंबू आनी ती येदीशी ठेंगू" - व्हडलो विनोद केल्लेभशेन तें हांसलें. पूण हांवे सांगांत दिलो ना.

"म्हाका तुजी काकुळट दिसता" - ताणे म्हजे चुरचुरे केले.

"कित्याक गो बाये?" - अजापान हांवें विचारलें.

"हांवें एकदा एक विनोद वाचिल्लो. मोटवो मनीस दूद पिता, मध्यम उंचिचो अमृत पिता आनी तुज्या सारखो लंबू खंय माती खाता. तुजी आनी तुजे बायलेची उंचाय पळयल्यार तूं नक्कीच माती खाता काय दिसता' - तें खळखळून हांसलें. म्हाकांय मातसो हांसो आयलोच. पूण लजशी जाल्ल्यान रोकडोच गंभीर जालों. हें रोकडेंच ताच्या लक्षांत आयलें.

'ए ऽ खऱ्यानीच तूं खंय धांवतालो रे ? – ताणे रोकडेंच पान परतिलें.

"धांवतलो आनी खंय ? तूं जाणा मगो शेडडयाची धांव आड्यामेरेन म्हूण" - हांवें खरें सांगपाचें टाळ्ळें. पूण ताका तें पटले ना. आमचो तिनूच वर्सांचो मोग खरो, पूण

म्हज्या मनाचो अचूक थाव घेवपा इतलें तें नक्कीच म्हज्या लागीं पाविल्लें.

"सांगना मरे ? बरें आसा. घरच्यो खबरो हेरांक सांगपाच्यो नासतात न्हय ?" गरजे भायर तें रागार शें जालें.

खिणभर म्हाका दिसलें, ताका सांगची म्हजी ताकतीक. ते मदत करतलें हे आशे न्हय, तें विचारता म्हूण. पूण तोंडातल्यान उतरांच भायर फुटना जालीं.

हरशीं तें खूब मायेस्त, सामकें जिवाक जीव दिवपी. आजून पासून म्हजी अडच कळत जाल्यार आपलेकडेन जाता तो फावोर करपी. कारण म्हजेर खूब मोग केलो ताणे जितलो करूंक फावनाशिल्लो तितलो. पूण हांवूच मातसो बेमान जालो. बेमान म्हणच परस परिस्थितीफुडे लाचार जावन हांवें हात तेकयले म्हळयार जाता.

पंचवीस पोवना भांगर आनी पंदरा हजार रूपया दोत सांगून म्हाका सुमनाची सोयरिगत येत सावन आवय-बापायन एक सारखें म्हज्या फाटल्यान लग्नांचें पिरपि लायलें. हांवें खंबीर मनान म्हजी रोशनाकडेन आशिल्ल्या इश्टागतीची तांका कल्पन दिली. पूण ताच्या कडल्यान व्हडलीशी दोंत मेळची ना हें कळटकूच सगळयांनी म्हाक उजरावन काडलो. सुरवातीक हांवेंय कॅर काडलें ना. पूण त्याच सुमाराक म्हजे तिसं भयणीक एक सोयरिगत चलून आयली. दिवपा घेवपाचें व्हडलेशें नाशिल्लेंच. तर आसतना सादी रीत म्हूण चार काकणा आनी व्हकलेच्या गळयांत किर्तेतरी करपाकूच जाय आशिल्लें. तें करपाक लेगीत आमच्या दादुकडेन पानदुडू नाशिल्लो. रीण म्हूण काडून काडून कितलें काडटलों ? रीण काडपाचें बरें आसा, पूण ते दिवपी आसूंक ज़ाय न्हय? हांव धर्म संकस्टांत सापडलों. धरल्यार चाबता. सोडल्यार पळटा अशी म्हजी गत जाली. आरतो परतो खूब विचार करून निमाणे, सुमनाची सोयरिगत धरली जाल्यार तांच्या कडल्यान मेळपी दोतीन आमची दोनूय लग्नां व्यवस्थीत लांव येतात, अशें वेव्हारी गणीत मांडून हांवे रोशनाच्या मोगाक सुरींग लायलें.

हांव सुमनाकडेन लग्नाक खंयचे परिस्थितींत तयार जालों हें हांवें रोशनाक पटोवन दिवपाचो खूब यत्न केलो. पूण ताणे म्हजें कितेंच आयकून घेतलें ना. वयल्यान म्हज्या काळजात झोम सारखें एक उतर मात ताणे दिवन दवरलें. 'तुज्या जिवार चलयांक लग्न करपाक तुज्या बापायन ताका जन्माक घातिल्लीं?

म्हजें लग्न जाल्या उपरांत पाच स म्हयन्यानी तेंय लग्न जालें, एका फामाद दोतोराकडेन. म्हाका ताणे व्हंवळीक पत्रिका धाडिल्ली. घडये पिकार करपाक बी जायत.

पूण लग्नाक हांव गेलोना ही वेगळी गजाल.

त्या उपरांतची आमची ही पयलीच भेट. बद्द तीन वर्सांनी. वर्सां सोपलीं म्हूण मोग मरता ?

"थंड कितेय घेवया?' हांव वगीसो पळोवन ताणेच विशयाक कलाटणी दिली.

नकळटा म्हजो हात मुस्तायकेच्या बॉल्सावटेन गेलो. तशे पंचवीस तीस रूपया आशिल्ले म्हज्या बॉल्सांत. पूण संवयचो गूण ! कोणाच्यान मोडूं येता ?

"चल या" – ताचें मन राखपाखातीर हांवें सांगलें. ह्या बोवाळांत एका म्हत्त्वाच्या कामाक लागून ऑफिसांतल्यान फावोरान एका वरा खातीर हांव भायर सरलां हाचो लेगीत म्हाका विसर पडलो.

लागींच आशिल्ल्या एका कोल्डड्रिंक्स हाऊसच्या फॅमिली रूमांत आमी भितर सरलीं.

म्हऱ्यांत आयिल्ल्या वेटराक ताणेच ओर्डर दिली. हांव मात ताका बारीक नियाळटालों...

दोतोराची सोयरीगत ताका बरीच मानवल्या हें ताच्यांत जाल्ले सुधारणेवयल्यान सहज कळटालें. चेपटे पोले गुलगुलीत जाल्ले, गळयाकडच्यो खाची मांसान भरून आयिल्ल्यो. हात सुळसुळीत दिसताले. ताका पळयता पळयता हांव बेचैन जालों. ताका घट्ट वेगेंत धरून ताचो एक हुनहुनीत उमो घेवचो कसो दिसलो. उमो वोंठाचो घेवचो काय पोल्याचो घेवचो ? हाचेर बरोच वगत हांव विचार करीत उरलों. खरे म्हळयार तशें करप मनाक पटनाशिल्लें. कारण कांय खिणाच्या सुखाखातीर उमो घेवपाक गेलों आनी जर ताचो गैरसमज जालो जाल्यार एके बरे इश्टीणीक हांव वगडावन बसतलों म्हणपाची म्हाका भिरांत दिसताली.

ए ऽ कितें चित्ता ? - सारको आशिल्लो पदर वगीच परतून सारको करीत ताणे म्हाका विचारलें. हांवें कच करुन आंग काडलें. पूण आबूज मात जालो ना.

"तूं सुखी आसा न्हय' मनांतलो गोंदळ लिपयत प्रसंगाक फावो सारको हांवें प्रस्न केलो तें सुस्कारलें.

"परिस्थितीत म्हाका सुखी केलें. तुजी इश्टागत तुटल्या उपरांत हांवें एक नवें सूत्र आपणायलें. हांव जाचेर मोग करता ताचे परस म्हजेर जो मोग करता तोच म्हजो बरे

भशेन सांबाळ करूंक शकता! आनी हें सूत्र फळाक आयलें. ते म्हजेर खूब मोग करता
हांव सुखी आसा."

इतल्यान वेटर थंड घेवन आयलो.

"खऱ्यानीच म्हाका न सांगपासारखी गजाल ?" काडयेन लस्सी खिरायत तें पर
मूळ प्रस्नाचेर आयलें.

"खंयची गजाल?" हांवे पिशें कांबुरलें.

"तूं सामको ताकतिकेनसो कित्याक धांवतालो ?" खिणभर हांवे सकयलो वों
वयल्या दांतानी दामलो. रागान न्हय, विचार करीत. आनी निमाणो मनाचो सामक
निश्चेव करून सांगलें,

"म्हजी बायल इस्पिशेंत आसा. परवा तिचें एक ओपरेसांव थारलां. ओपरेसां
म्हणटकच खर्चाची बाजू आयली न्हय? म्हूण एका इश्टाकडेन पांच हजार रूपयां
लागून हांवे तोंड फापुडलां. ताणे आतां साडे अकरांक सुमार मडगांव स्टेशनार मेळ म्हू
सांगिल्लें."

"पयशे मेळटलेच म्हूण ग्यारंटी आसा?" - रोकडेंच ताणे विचारलें.

"पळोवया दुसऱ्याच्या हातांतलें काम. दिता तेन्ना खरें" - हांव वेव्हार उलयलों.

"खंयच्या इस्पिशेंत आसा ?" आपली पर्स उगडीत ताणे विचारलें.

"हांवें हॉस्पीटलाचें नांव सांगलें.

उलयता उलयता ताणे एक चेक बरयलो आनी घडी करून म्हज्या बॉलसां
घालूंक लागलें.

"हांवें बॉलसार हात धरलो.

"भीक न्हय. रीण म्हणून घे. हरशीं त्या इश्टाकडल्यान घेतलोच आशिल्लो न्हय ?
त्या बदला हे इश्टिणीकडल्यान."

"घोवाक.... कितें.... सांगतलें ?" उलयता आसतना हांव आडखळ्ळों.

"तांका हांव खरें तें सांगतलें. संकुचीत विचारांचे न्हय तें ? कितलेंय जाल्यार
दोतोर पळय तें"

म्हजें काळीज भरून आयलें. ताच्या त्यागान हांव भारावल्ले भशेन जालों. ताका ते कळळे जांवये,

"जायते फावट त्यागान सूख आसता" - म्हज्या हातार हात दवरून ताणे मायेमोगान दामलो.

म्हाका ताच्या काळजाची भास कळ्ळी. हरशीं हांवें रोशनाची खूब रूपां पळयल्लीं. पूण आयज तें म्हाका एका वेगळयाच रूपांत दिसलें.

●

मिरास

दादाच्या घरालागी पावून घरांतल्या वातावरणाचो अदमास घेवपाक खिणभर हांव सोपाणाचेरूच उबो रावलों आनी अनमनत कडमडत दारार मारलें.

"आरे भावोजी, यो यो एकलोच ? बायलेक बी कित्याक हाडूंक ना ?" तोंडभर हांसत व्हनीन येवकार दिलो. तिच्या तोंडार फुलिल्लो हांसो पळोवन म्हज्या जिवाक बरें दिसलें.

तशी ती मायेक एकदम बरी. पूण हांवूच मातसो तवनास. मातसो कित्याक? बरोच तवनास. हें म्हाका आता कळटा. तेन्नाच कळिल्लें जाल्यार हे अशें घडूंक पावचेंच नाशिल्लें.

"दादा बी खंय?" - वासपूस करीत हांव एके खुर्चेर बसलों.

'मडगावां गेल्यात"- तिच्या ह्या खुलाश्यार हांव वगीच रावलों.

'पांच साडेपांच मेरेन पावतलें' - हांव वगीसो पळोवन तिणेंच फुडें सांगलें.

'आतां रोकडोच मेळिल्लो जाल्यार बरें जावपाचें.' हांवे बेठीच ताकतीक शी दाखयली.

"चड म्हत्त्वाचें काम?" - तितलेच उमळशिकेन तिणें विचारलें.

"च्ये. तशें म्हत्त्वाचें न्हय. हरशींय कितेंतरी उलोवंक जाय आशिल्लें' हांवें मारून व्हेलें. ती वगीच रावली. खिणभर आमचे मदीं शांतताय पातळ्ळी.

'तू कपडे बी बदल. हांव च्याक दवरतां" ती भितर गेली.

हांव स्पेशल कुडींत भितर सरलों हय, स्पेशल कुडच ती ! घराकडेन शिकपाक

म्हाका एकांत मेळचो म्हूण दादान मुद्दाम म्हजेखातीर व्हरांडाचेरूच ती बांदून घेतिल्ली. ती कूड बांदता आसतना ताणें म्हज्याविशीं खूब सपना पळयल्लीं. हांवे म्हजे तांकी प्रमाण ती जपपाची यत्न करतालों. पूण कांय गजाली दादाच्या मना विरूध्द घडल्यो खऱ्यो.

हांव तरी कितें करूं ? मनशाक करता ती संवय, सुरवातीक मागलें तेन्ना मागले तितले पयशे मेळूंक लागले म्हूण हांव खर्च करीत रावलों. करता करता इश्ट वाडले, फॉलगां वाडलीं आनी फाटोफाट खर्चूंय वाडलो. पूण दादाकडल्यान पयशांची पुरवण मात वाडली ना. म्हूण रीण काडलें. तें दिसान दीस वाडत गेलें. कांय दिसानी रीण मेळपाचें बंद जालें. आनी रिणाचे वसुलेक लोक दादाच्या घराकडेन पासून पावपाक लागले. सुरवातीक दादा खूब बेजार जालो. पूण शेवटाक हांवें केल्ल्या पापांक ताका जाप दिवचीच पडली.

हाची ख्यास्त म्हूण असोच एक दीस कोणाचो तरी राग दादान म्हजेर काडलो. पूण हांव आयकता ? म्हजें खऱ्यानीच चुकिल्लें तेन्नापासून हांवें ताच्याकडल्यान दावें उजवें घेंवक नाशिल्लें. मागीर म्हजी चूक नासताना हांव आयकून घेतां ? हांवें आनी वगत केलो ना. साटली पोटली बांदली आनी बद्द गांवघराची वाट धरली...

"च्या घे आं" - व्हनिच्या उतरानी हांव शिंतीदार आयलों.

"पिवपाक उदक बी जाय ?"

च्या चें कोप आनी सांडग्याची बशी मेजार दवरून भितर वता वता तिणें विचारलें हांवें मानेनूच नाका म्हूण सांगलें.

च्या पिवन रिकामो कप आनी बशी घेवन हांव रांदचे कुडींत गेलों. व्हनीक हें आवडलें ना.

"हें कितें रे नाका आशिल्लें ?" - म्हज्या हातांतली कप बशी घेयत तिणें म्हळें.

कितें जालें हाडल्यार ? हांव कितें परकी न्हय ? हांव आनी तुमचोच हें दाखोवपाक हांवें मुद्दाम म्हळें.

"अशें हांवें खंय म्हळां ? पूण तुवेंच मात परक्यापणां केलीं " - व्हनीन म्हजी हुशारकी काळांतरासयत परत केली.

हांव परत स्पेशल कुडींत आयलों. आतां ती दादाच्या व्हडल्या चल्याची स्पेशल कूड. म्हजीं पुस्तकां दवरपाक केल्ल्या फळयांचेर आतां ताची पुस्तकां दिसतालीं.

कमीत कमी हांव तरी खूब शिकचो अशें दादाक मनापासून दिसतालें. ते खातीर लागता तें आनी मागता तें ताणे म्हाका दिलें. हांवे फॉल्गां मारलींच पूण बरे भशेन अभ्यासूय केलो. आनी एकदाचो पदवीधर जालों. आता पदवीधर जाल्या उपरांत पासून ताणें म्हाका परत परत तापोवप म्हज्या मनाक रुचना जालें. देखून ताचें घर सोडून म्हाका आमच्या मुळाव्या घरा वचचो पडलो.

गावांत आमचें दोनेक एकर जमीन आनी पन्नाशेक माडाचें भाट आसा. त्याना भायर शारांत पांच हजार मेत्र सुमार दोंगराळ जमीन आसा. ही इतलीच बापायन आमचे खातीर करून दवरील्ली मिरास. मदलो भाव घरा रावून हें सगळें पळयता. तो स्वता शेतांत काम कश्ट करपी मनीस. तो म्हाका जायते फावट सांगतालो. मनशान स्वताच्या कामाक केन्नाच लजूंक फावना. म्हाराभशेन घोळून राजा भशेन खावपाक जाय. पूण हांव हो सगळो शेरमांव उजव्या कानान आयकून दाव्या कानान भायर मारतालों. कारण म्हज्या सारकिल्या मेणाच्या बावल्याक शेतांतलीं कामां जमूं नाका ? तातूंत करून हांव आनी चार पुस्तकां शिकिल्लो मनीस म्हणपाचो तुरो! मागीर शेतांत देंवलो जाल्यार लज न्हय? म्हूण गावांत बेकार लौडी कसो भोंवपाबगर हांव कितेंच करूंक पावलो ना. आनी अकस्मात एक दीस म्हाका परतून शारांत व्हरपाक दादा गावांत आयलो. म्हाका दिसता मदल्या भावानूच ताका चीट बरोवन म्हज्याविशी कळयल्लें बी जायत.

हांव खंयतरी पेजेक लागलो जाल्यार आपल्या माथ्यावयलें वजें ल्हव जातलें अशें दादाक दिसलें जातलें. ताणें म्हाका एके कंपनीत कारकून म्हूण कामाक लायलो. पगार म्हयन्याक पांचशे रूपया थारले.

'हांवें मन लांवन शिर्वीस केली. वर्सा भितर पांचशा वयल्यान शंबराचेर पावलों. आनी कामार फिक्सूंय जालों.

शिर्विसेक लागिल्ल्या तरनाट्यांचे पत्ते चलयांच्या बापायक कोण दितात म्हूण कोण जाणा. दोन तीग जाण म्हाका सोयरिगती घेवन म्हज्या फाटल्यान लागले. दादान लेगीत एक सोयरीगत हाडली. पूण त्यान पयलींच हांवें एकेकडेन सूत जुळयलें.

चली गरिबागेलीच. पूण सोबीत सुंदर आशिल्ली. पूण दोत मेळपाची आस्त नाशिल्ल्यान घरच्यांक चड करून दादा व्हनीक, घोस्ताक गेली ना. हांवूय कोणाक बदलो

ना. तेर्म केलो आनी देवळांत वचून सवाय भितर मस्त लग्न करून घेतलें.

दीस हांसत खेळत सरताले. आनी एक दीस ल्हानशे चुकीक लागून मेनेजरान सगळयां हुजीर म्हाका उजरावन काडलो. पूण हांव तरी कमी ? हांवें बापाय समान आशिल्ल्या म्हज्या व्हडल्या भावाचें केन्ना आयकून घेतले ना, तें ह्या मॅनेजराकडल्यान घेता? गेलो तेल लायत म्हूण उखल्लेली जीब लायली ताळयाक. परत्याक परतें दिलें. आनी हाचो परिणाम कितें जातलो हाची जाणविकाय आशिल्ल्यान सोमतोय राजीनामोंच दिवन उडयलो.

म्हजी ही करणी दादाक मानवली ना. हांवें राजिनामो दिवपाचोच न्हय, आपूण सगळें निभावन व्हरतलो आशिल्लों अशे ताचें म्हणणे आशिल्लें. जाल्लें गेल्लें सगळें विसरून परतून कामार हाजीर जावपाचो ताणे म्हाका सल्लो दिलो, हांव काना मनार घेतलें ना. ह्या विशयावयल्यान दोन तीन फावट ताचें आनी म्हजें तोंडाक तोंड जालें. पूण हांव केर करतां ? म्हाका मारतें म्हणता तें खबरूच नाशिल्लें. निमाणें एक दीस तिडकेसरशीं दादाचें घर सोडून हांवें मावोड्या बिराड थाटलें.

दर दिसा नेमाळयानी कामाच्यो जायराती येताल्यो. हांव बरोवन घालतालों. कांय कडल्यान आपोवणे येतालें कांय कडल्यान येनाशिल्लें. पूण खंयच जुळनाशिल्लें ही वस्तुस्थिती. अशे अर्ज करून करून वर्स सोंपलें. पूण हांव मात बेकारूच उल्लों. शिर्विस मेळोवप दिसता तितलें सोपें काम न्हय हें म्हाका पटपाक लागलें. घडये दादाकडेन फावोर मागिल्लो जाल्यार तो खंयतरी पळयतो आशिल्लो. पूण हावेंच मनात थारायल्लें, मोडल्यार उपकरता पूण बागवचो ना.

कितलेंयतरी जालें तरी मावोडें तें मावोडेंच. थंय जावंय मनश्यान चड तेप रावप म्हळयार स्वताक विकून घेवप हें पटपाक म्हाका कळाव लागलो ना. म्हूण जाता तितल्या बेगीन हांवें मावोडच्यान बिराड हालोवपाचें थारायलें. पूण त्यान पयलीं खंयतरी शिर्विसेचो आलाशिरो मेळोवप गरजेचो आशिल्लो. म्हूण नेटान हांवें यत्न सुरू केले.

त्याच सुमाराक पांच हजार कॅश दिंयत जाल्यार एके बेंकेंत शिर्विस आसा अशें म्हाका एकल्याकडल्यान कळ्ळें. पूण पाच हजार हाडटलो खंयच्यान ? म्हजे कडेन खारें खातलो म्हळयार दमडी नाशिल्ली. दादाकडेन मागल्यार मेळटले आशिल्ले. पूण लाचारी म्हाका मान्य नाशिल्ली. निमाणे, बायलेन एक उपाय सुचयलो. इस्टेटीचे वांटे करप! शेत एकल्याक, भाट दुसऱ्याक, आनी दोंगराळ जमीन तिसऱ्याक. म्हज्या वाट्याक येता तो

वांटो कोणाकूय विकप. ना जाल्यार कोणा कडेनूय घाण दवरप आनी शिर्विसेक लाग
हांवे हाजेर आरतो परतो खूब विचार केलो. आनी थारायलें. इस्टेटीचो हक्काचो वां
मागप..

आंगणात कोणाचींतरीं पावलां वाजलीं. हांवें कुडीच्या जनेलातल्यान भायर व्हिर
मारली. दादा येतालो. हांव बेगिबेगीन फुडें गेलों.

"आरें वसंत, तूं केन्ना आयलों ?" - जशें काय आमचो पयलीं कसलोच वा
जावंक नाशिल्लो इतले सहजतायेन दादान म्हजी खबर घेतली.

"व्हेदोळ तिनाक सुमार आयिल्लों" - हांवें जाप दिली.

'बायलेक बी हाडल्या मरे ?'

"ना. हात लागना म्हूण येवंक ना" – हांवे बंडल मारलें पूण म्हज्याकूय चा
पावसाळे चड काडिल्लो मनीस तो! ताचे कडेन पचता ?

"मागीर दोन तीन दीस रावून येवपाचो. आयजूच येवपाची ताकतीक कित्याक
केली ?" ताणें म्हाका उतराक धरलो. हांव निरूत्तर जालों.

"कितें विशेश?" म्हज्या कुशिनच्या कदेलीर बसत ताणें विचारलें. म्हजें गाराणे
मागपाक म्हाका आयतीच संद मेळ्ळी.

"एकीकडेन एक शिर्विस आसा... " हांवें सुरवात मात केल्या, ताणें म्हाक
आडायत सांगलें.

"हें पळय वसंत, शिर्विस म्हळयार दुसऱ्याची चाकरी. मागीर तूं प्युन म्हूण काम
कर ना जाल्यार मॅनेजर म्हूण. थंय उतरा पावलाक अभिमान बाळगून कोताक येना. तू
कितेंय म्हण, पूण तूं पयलीं जंय कामाक आशिल्लो तो मेनेजर खरोच बरो मनीस. आरे,
म्हज्या आळवाक कितली सोलां लागतात हें म्हाका दुसऱ्यान शिकोवपाची गरज ना. शेत
तुजेंच कितेंतरी चुकिल्लें. म्हूण मॅनेजरान तुकां तापयल्लो हातूंत म्हाका जाल्यार इल्लोय
दुबाव ना."

"आरे, चुकल्यार कोणाक कोण तापयना? आता हेंच पळय न्हय, हांव दोन
ट्रकाचो पात्रांव. पूण म्हजी मातशी चूक मेळ्ळयार म्हजो ड्रायव्हर पासून म्हाका तापयता.
तातूंत कितें व्हडलेशें ? मनश्यान आपली चूक सरळ मान्य करप हो लेगीत तांच्यातलो

एक व्हडलो गूण. आरे, जिणेंतले सगळेच निर्णय भावनावश जावन घेवपाचे नासतात. जायते फावट मनांत नासूनपासून कर्तव्याची कास धरची पडटा. पूण दुर्दैव हेंच की तुका आयुश्श्यांत केन्नाच हें जमलें ना. जमलें तें एकूच फॉल्गां, देखून स्पश्ट सांगता, आता मात खंयचेच परिस्थितींत हांव तुजे खातीर कोणाकडेनूच उतर घालपाक तयार ना. भाव जालो म्हणून कितें जालें ? नस्ती अपुरबाय बरी न्हय. आं, आतां शिर्विस करपाचीच जर आता जाल्यार त्या मॅनेजराची चूक माग आनी परत थंयच राव. थंय आजुनय तुकां जाय जाल्यार हांव शिर्विसेक दवरूंक शकता" - दादान आपलो शेरमांव सोपयलों.

म्हाका सामकी तिडक माल्ली. हो दुसरी काय तिसरी शिकिल्लो मनीस म्हाका ब्रम्हज्ञाना शिकयता म्हणजे कितें !

"हांव तुजे कडेन भीक मागपाक येंवक ना?" हांवें एकदम आक्रमक पवित्रो घेतलो.

'मागीर कितें वांटो मागूंक आयला!" आपले करारी दोळे म्हजेर थिरायत खोचक उतरानी ताणें म्हाका विचारलें.

"हय. म्हाका आमचे इस्टेटिंतलो वांटो जाय. ना जाल्यार त्या बदला वांट्याचे पयशे जाय" - हांवे निर्धारान सांगलें.

दादाच्या मुखामळावयली नुरा एकदम बदल्ली. म्हजीं हीं उतरां ताका अनपेक्षीत आशिल्लीं. खिणभर तो वोगीच रावलो. आनी बऱ्या वगतान तो सुस्कारलो.

"हं. तूं इस्टेटीचो वांटो मागपाक आयला तर ! सारखें तुजें. तूं आमचो भाव. म्हणटकूच कायद्यान आमच्या बापायचे इस्टेटीचो १/३ वांटो तुका येणो. पूण एक विसरल्लो तूं. धा ते बावीस म्हळयार लागीं लागीं बारा वर्सा हांवें तुकां पोसलां हें म्हजें तुजेर नैतीक रीण. तेन्ना तुकां जर खऱ्यानीच स्वताचो अभिमान आसा जाल्यार तें रीण तूं पयलीं फारीक कर आनी तुजो वांटो तूं खुश्शाल घेवन वच" - ताच्या ह्या थंड उतरानी म्हाका वांगडाच शेळो घाम काडलो. तो अशें कितेंतरी उलयत अशें हांवें सपनात लेगीत चितूंक नाशिल्लें.

हरशीं नैतीक रीण बी म्हणटात तें कायद्याच्या फास्केंत बसना हाची म्हाका जाणविकाय आशिल्ली. पूण कित्याक म्हूण कोण जाणा, रीण हें उतर म्हज्या काळजाक वचून दसलें. ताका परते सांगपाक म्हज्या तोंडांतल्यान उतरांच भायर सरना जालीं. हांव

अंतरमूख जालों.

"हांव वगीसो पळोवन ताणेंच फुडें सांगपाक सुरवात केली " तुजी तकली जाग्य
आसा जाल्यार जे परिस्थितीतल्यान आमी वयर आयल्या तें चित्र दोळयांमुखार हाडपाच
यत्न कर. तूं तिसरेक आसतना दाय आनी आइ भायर पडिल्लीं. हांव तेन्ना अठ
वर्सांचो आनी रामदास तेरा वर्सांचो. म्हज्या शिक्षणाक चुइ्टी लागली ती लागलीच पू
रामदासय शिकूंक पावलों ना. म्हूण तुकां शिकोवपाच्या वावराक आमी माथें माल्लें. हां
एका ट्रकार किली म्हूण रावलो. रामदास शेतकामत जालो आनी तुजी शाळा चालू
दवरली आनी आमच्यो कितलेश्योंच आशा आकांक्षा कडेक सारून तुजे सगळे लाड पु
केले. तुका बरे भशेन शिकप दिलें. कित्याक ? तूं शिकून आमकां पोसतलो म्हूण न्हय
तर तूं शिकून सवरून आपल्या पायांर उबो रावचो, घराण्याचें, आवय बापायचें नां
वयर काडचें म्हूण. पूण तुवें लाखाचे बारा हजार केले. म्हूण आता म्हाका असो दुबा
येवंक लागला की तुकां शिकोप दिवन आनी चूक बी करूंक न
मूं ?

ना जाल्यार आमका पळय. सादो किली म्हणून कामाक लागिल्लो हांव आय
दोन ट्रकाचो धनी. रामदास घरा रावून खावन जेवन सुसेगाद आसा. आनी तूं मा
शिकून सवरून रस्ताद भोंवता. ही कितें तुजी रस्ताद भोंवपाची पिराय ? आतां कां
तेपान बापूय जातलो तूं. आता तुवें स्वताच्या संवसारा खातीर वावरूंक जाय. तें सोडू
आमचो भावां-भावां भितर आशिल्लो नात्याचो निमणो पोड तोडपाचे दुवाळे लागल्या
तुकां. खरेंच तूं इतलो अकलेक आयिल्लो पळोवन तुका भाव म्हणपाक पासुन ल
दिसता म्हाका.

आरे, बापायच्या त्या भाटां बेसांक गोळ मारचे परस बापायच्या 'नात्यान आम
दिल्ल्या त्या शिक्षणाक गोळ मार. तोच तुजो खरो वांटो'. दादा खिणभर थरलो. ता
आनीक फुडें उलोवचे पयलींच हांव उठलों. म्हजी चूक म्हका कळून चुकिल्ली.

'उठलो कित्याक ?' दादान अधिकारान विचारलें.

"हांव वता" – हांवें जमीन पळयत सांगलें. कित्याक म्हूण कोण जाणा, दादाच्य
तोंडाकडेन पळोवपाक म्हाका धीर जायना जालो.

"खंय?" ताच्यातलो भाव जागो जालो जातलो. ताची उतरां आपशींच नर
जालीं.

“पदरांत आशिल्ल्या शिक्षणाक गोळ मारपाक” - हांवें म्हाका कळिल्ल्या नव्या ग्नेन्यानाची जाण दाखयली. आनी सकयल्या मानेनूच भायर वचूंक लागलो. दादाक केतें सुचलें म्हूण कोण जाणा.

‘राव’ - ताणें सांगलें. हांव थंयच उबो रावलों गुन्यांवकार कसो.

“तुकां वांटोच जाय मरे ?” बरें आसा. परवां यो. रामदासाकूय आपोवन घेवया. आनी वांटे जाल्यार वांटेतरी करून उडोवया. हो एकूच हुसको आशिल्लो आमकां. तुजे कितलेशेच गुन्यांव आमी पोटांत घातल्यात. तातूंत आनी एकाची भर पडली म्हूण संवसार बुडचो ना. हरशी म्हणून इस्टेटीचे वांटे आयज न्हय. फाल्यां करपाकूच जाय. त्या कामाक वगत कित्याक ? एक वेळ आता न केले जाल्यार मात तूं आमकां दुशण दिवक शकता, आपली बरी संद आमी व्हगडायली म्हूण. तेन्ना परवां योच तूं. वांटे करून उडोवया..” बडबडत दादा उठून भितर गेलो.

“हांव येतां” - दारांत उबी आशिल्ल्या व्हनीक सांगून हांव भायर सरलों.

घराकडेन बायल म्हजे वाटेक दोळे लावन बशिल्ली.

“कितें जालें ?” कांचवेन तिणे विचारलें.

“फाल्यां म्हजी वचपाची तयारी कर. हांवें पयलीची शिर्विस परती करपाची थारायल्या” - कपडे बदलीत हावें निर्धारान सांगलें.

खून

"सुरेशबाब एऽ सुरेशबाब ऽऽ" कोणतरी म्हाका मोट्यामोट्यान उलो कर म्हज्या रूमाचें दार गडगडायतालो. पयलीं म्हाका दिसलें, हांव सपनांत बी आसा क कितें ? पूण रोखडोच शाबुदीर येवन हांवें केसवाचो आवाज वळखलो. सकाळीफु केशव आड्डता म्हळयार सेर्त कितेंतरी नविदाद आसूंक जाय. म्हूण खंयच्याखंय पडिल लुंगी भेंडाक सारकी गुटलायत हांवें बेगिबेगीन दार काडलें.

"सुरेशबाब तूं जाणा ?" खरशे खरशेत केसवान विचारलें. ताचो अवतार पळो हांव अर्दो भिलों.

'कितें तें ?" - रोकडेंच ताकतिकेन हांवें विचारलें. पूण फुडलें उलोवंक केसवाच तोंडातल्यान उतरां खंय सुटटालीं ? ताची भियेवन गुळी जाल्ली.

हरशीं खऱ्यानीच हांव कांयच नकळो आशिल्लों. ना म्हटलेंतरी रातच्या धां न्हिदून बदद सकाळीं आठांक उठपी म्हज्या सारकिल्याक रातभर कितें घडलें आ कितें ना, हें सांगलेबगर कळपाक मार्ग नाशिल्लो.

"सुरेशबाब, देवळाचे बांयत एक मडें उफेता! " - घरघऱ्या आवाजान केश एकदाचो उलयलो.

"कोणाचें ?" म्हजे ओंठ हालले.

"सुवर्णाचें अशें म्हणटात!" - केसवाली जाप आयकून म्हाका वांगडाच शेळो घा सुटलो. एकदम एक थंड ल्हार काळजात उठून तकलेवटेन धांविल्ल्याचो भास जाल

ाकली सामकी मेरेल्ले भशेन जाली. हाता पायांक कांपरिशी सुटली. वगीच आदारा खातीर हावें दाराक हात तेकयलो.

"पळोवन येवया यो" - अशें म्हणत आंगार आशिल्ल्या कपड्यांनीच हांव केशवा वांगडा भायर सरलों.

सुवर्णान जीव दिलो ही कल्पनालेगीत म्हाका सहन जायनाशिल्ली. कितलें गोड पोर! सदांच हांसऱ्या तोंडाचें. लिकलिक्या दोळयाचें, गुलगुलीत पोल्यांचें. हांव सददां तांगेर येवपी वचपी मनीस. पूण ह्या दोन तीन दिसांनी तांगेर पावूंक नाशिल्लों. दुदाच्या निमतान हांव वतालों तांगेर. पूण खऱ्यानीच हांव दुदाक लागून तांगेर वतालों काय ताका लागून दुद घेतालों हें सांगप कठीण. दूद दिवपाक म्हऱ्यांत आयलें म्हणटकूच मजेन केन्नाय हांव ताच्या फाटीर थापट बी मारतालों. स्ट्रिक्टली फाटीर, चुकून लेगीत आडेकडेक न्हय. पूण ताणें मात केन्नाच म्हाका परतें म्हणलें ना. मुमुरखें हांसत भितर धांवतालें.

सुर्वेक हांव ताचेकडेन चार पयशे करूंक घडपडतालो. पूण मागीर अशेंऽ भायल्यान कळ्ळें की ताचें आनी नरशिंवाचें बरेंपण आसा. देखून हांवें मनांत म्हळें, हांवें आनी ताच्यावांगडा गरोवप बरें न्हय. म्हूण हांवें ताचो नादूच सोडून दिलो. पूण काळजाच्या एका कोनशाक ताचेविशीं एक तरेची अनामीक ओड ही उल्लीच.

दादले बायलो म्हणनासतना वाटभर लोक चोम्याचोम्यांनी उबे रावून आपापले बुध्दीमत्तेक होलमता तशे आपापल्या भितर अर्थ अनर्थ लायताले. चलतां चलता दोगां-तिगांक मडें खऱ्यानीच कोणाचें ? म्हूण विचारलें. हांवें पूण कोणेंच सारखी जाप दिली ना. जण एकलो आपपाल्याच विचारांनी घुस्पून आशिल्लो दिश्टी पडटालो.

वाटेर बेताल महिला मंडळाच्यो अध्यक्षा श्रीमती सुलोचनाबायन म्हाका पळयलो.

"शीऽ शीऽ शीऽ, कितें चलयलां रे तुमी हें?" सुलोचनाबायन सुरवात करनाफुडे वांगडाच म्हजी बेरींगां आवळ्ळीं. जीव दिता कोण आनी ही विचारता कोणाक ? लोक पयलींच पिकार जाल्लेकडेन आसात. तातूंत म्हज्यासारकिल्ल्याचो मात्सो पासून लोकांक दुबाव येयत जाल्यार सेंपलाकूच म्हज्या हाडांचो पिठो जांवक शकता.

"सुलोचनाबाय, हांव, ग्रामपंचायतीचो सेक्रेटरी'..... पिशांभशेन हांसत हांवें तिका म्हजी वळख दाखोवापचो यत्न केलो. म्हळयार ती म्हाका वळखनाशिल्ली अश्यांतली

गजाल न्हय. पूण रागाच्या भरांत वळख विसरली बी जाल्यार तिका याद जाव
इतलोच म्हजो प्रामाणीक उद्देश आशिल्लो.

"ग्रामपंचायतीचो सेक्रेटरी जांव नाजाल्यार सोसायटीचो सेक्रेटरी जांव, पूण सरक
नोकर मरे ? मागीर कसलीं नाडेपेनां चल्ल्यांत हीं ? गांवांत एके चलयेचो खून जा
मडे त्याच गावांतल्या बांयत मेळटा पूण ताचो मात कोणाकूच वास लागना ? लज
ही" सुलोचनाबाय कुसक हांसली. ती हें सगळें म्हाका कित्याक सांगता हें न कळील्ल
हांवे भुजां हालयलीं.

"भुजां कितें हालयता ? ह्या गांवांत उतरा पावलाक राजकारण चलपाक लाग
इतल्यान कांय जांवक ना. आजुनय असलीं जायतीं अजापां ह्या गावांत दिश्टी पडपा
आसात. घराघरानीं असले खून जावपाचे आसात" - सुलोचनाबाय भर रस्त्यार उ
रावून भाशण केल्ल्यावरी हात हालयत झेलयत तोंडाक येता तें बडबडपाक लागली.

हांव म्हणटा बडबड तूं. पूण म्हाका आनी भितर कित्याक ओडटा ? नसतें लचा
देखून हावें पान परतुपाचो यत्न केलो.

"पूण तो खुनूच कित्यावयल्यान म्हणटा तूं ? आत्मघात जांव नजो ?" – ह
दुबाव काडलो.

"आरे सभाग्या, बांयचे आख्खें उदक तांबडें - बिण्ण जालां. म्हाका सांग,
आत्मघात जाल्लो जाल्यार उदक तांबडे जावपाचें ?' तिणे म्हाकांच पिशांत काडलो.

"हांव जाणा, हांवूच कित्याक ? सगळो गांव जाणा, ह्या खुनांत व्हडल्या व्हडल्
मनशांचे हात आसात. देखून ह्या खुनाची निःपक्षपातीपणान चौकशी जावन गुन्यावकारा
चडान चड ख्यास्त जाल्यारूच लोकांचो न्यायनिवाड्यावयलो विस्वास तिगतलो. तेखाती
फाल्यांच हांव आमच्या बेताळ महिला मंडळाचो मोर्चो घेवन मामलेदाराफुड्यांत वचपी
आनी गरज पडल्यार हे प्रकरण सी. बी. आय. कडेन सोपोवचें म्हूण मरसर उपासा
बसपी" सुलोचनाबायन आपणाली फुडली कार्यावळ जाहीर केली.

"पूण मामलेदार कालच्यान आठ दीस रजेर गेला." तिची फावट फुकट वचच
न्हय म्हूण हांवे सुचयलें.

"पाडपडिल्ल्याक ह्याच दिसानी रजेर वचूंक जाय आशिल्लो ?" आपणाल्या आवाजाची
उंचाय दाखोवपाची बरी संद चुकली म्हूण बाबडेक चुरचुरे लागले दिसता.

उलयता उलयता म्हाका मदींच सांडलो आनी ती दुसऱ्या वांगडा उलोंवक लागली. हे संदेचो फायदो घेंवन हांवें ल्हवूच थंयच्यान कूस मारली.

मात्सो फुडें गेला मात, ग्रामपंचायतीच्या विरोधी पंगडाचो मुखेली त्रिविक्रमान म्हज्या बचकुलांक धरून फॉर्सान म्हाका उबो केलो.

"पळय कशें चल्लां तुजे राज्य ?" ताणे सुरवात केली. म्हाका मारली भिरभिरी. मारपाचीच न्हय आरे, हांव एक सादो भोळो ग्रामपंचायतीचो सेक्रेटरी आनी हे किते तें काय विचारल्यार जसो काय हांव मुखेलमंत्रीच जाल्लेभशेन सगळें म्हाका उलोवन दाखयतात. म्हणजे मोंव आसा थंयच खणींत रावपाचें अशें जालें ना ? पूण हांवें पाशेंस काडलें. म्हळें चड उणे कितेय उलयलो जाल्यार गणेश केल्लो खेतो जायत. म्हूण तो सांगता तें आयकत रावलों.

"एका फोटाफाट तीन खेपो ह्या लोकानी त्याच सरपंचाक वेंचून हाडला न्हय ? भोगात म्हणचें आतां. दिसता तशें नासता म्हूण जग फसता. म्हज्या सारकिल्या प्रामाणीक मनशांक मोल ना हागां. हो सरपंच वयल्यान बरो, पूण भितरल्यान कोल्ली. मागीर असले खून कित्याक जावचे नात ? असल्यो आजनेरी जावच्यो न्हय म्हूण ताणे कितें जापसालदारकी घेतल्या हय तर ? ना. हांव म्हणटा घेतलो कसो ताकांय अशेंच घडिल्लें जाय? आतां खून जातकूच थंय झक मारीत उबो रावला. कित्याक सांग पळोवया ? लोकाच्या दोळयांक उदक लावपाक. हांव म्हणटा आतां पोलिसेक बी कळोवपाचे कोणे? म्हज्या आज्यान ?

म्हाका जाल्यार दिसता ह्या खुनांत सरपंचाच्याच भावाचो हात आसूंक जाय. तोच नाचतालो न्हय रे त्या सुवर्णा वांगडा ? पूण जातीचो भट नायकुट्याक चेडूं दिता ? पोराचें पित्त खुबळळें. हुंदराची उडी फाटल्या पोटल्यार म्हणटात. फाटल्यान राखपी आसाच. केलो खून...."

"पूण खून सुवर्णाचोच म्हूण सारको कळ्ळो?" हांवे ताका आडायत विचारलें.

त्रिविक्रमान कपलार हात मारून घेतलो.

"येदो वगत कित्याक विचारूंक ना ? आरवें रामायण आयकून आतां रामाची सीता कोण काय म्हूण विचारता ?" तो म्हजेर तापलो.

"आरे पूण विचारपाक तुवें म्हाका संद खंय दिल्या ?" हांवेच म्हजी बाजू मांडली.

“हय रे सायबा, आपाभटाल्या सुवर्णाचो खून. कित्याक तुकां दुबाव ?” खऱ्या म्हाका तो दुबावान पळोंवक लागलो.

“च्ये म्हाका दुबाव कित्याक ? पूण खून ताचोच हे कित्यावयल्यान काय म्हण हांव ?”

“मड्याच्या आंगार आसा त्या आंगवस्त्रावयल्यान. काल सुवर्णाय तसलीच तां साडी न्हेशिल्लें खंय”

“कोण म्हणटा?’ – हांव आकांतान आड्ड्लों.

“तिची आवय म्हणटा” - तितल्याच थंड साणेन ताणे जाप दिली.

म्हज्या काळजांत चर्र्र जालें. पावसाच्या दिसांनी ओलीं बेगीन सुकचीं म्ह फोर्सान पिळटात, तशें कोणेतरी दोनूय हातांनी घट्ट धरून म्हजें काळीज पिळ्ळेभशे जालें.

“आता तो नरशिंव नायक खंय आसा ?” आडखळत हांवें विचारलें.

“आसतलो खंयच्याय शिंवाचे घोलींत !” राजकारणी मनशाक सोबसारखेंच त उलयलो.

“हांव मातसो बांयकडेन वचून येतां” - अशें म्हणत हांव थंयच्यान धांवत सुटलो म्हज्या फाटल्यान केशवूंय येतालो.

देवळाच्या शेर्काभितर वाव मेळनाशिल्लो. हावाशिवा करून हांव बांयमेरेन पावलो आनी बांयत पळयलें,

बांय बरी रूंद आशिल्ल्यान खोल आसून पासून मडें ओमथें आसा ते स्पस्ट कळटालें. ताचे केंस सुटून फाटीर आनी मानेभवतणी उपेताले बांयचें उदक तांब दिसतालेंच पूण काळसार चड मारतालें. घडये लोकांच्या गर्देक बी लागून जांवक शकत असो हांवे तर्क केलो.

“आरे कुशीन सरात, कुशीन सरात”- क़ोणतरी गर्देतल्यान वाट काडीत बांयवटेन येतालो.

हांवे फाटीं वळून पळय जाल्यार स्वताक समाजसुधारक समजुपी रामो एका हातांत राजू आनी दुसऱ्या हातांत गरो घेवन येतालो.

“कित्याक रे तो गरो ?” हांवें ताका हडकिलो.

“मडे परतुपाक! दुबाव कित्याक? कोणाचें तें सारकें पळोवया मरे” - गऱ्याक राजू बांदीत अभिमान ताणें सांगलें.

“आरे, पिसावला काय कितें रे तूं? ही आयडिया दिवपी कोण बुदवंत सांपडलो तुकां ? ह्या मड्याचें जेन्ना पोस्टमॉर्टेम जातलें तेन्ना ताजो गरो वा वारांव तोपून खून केला म्हूण जर रिपोर्ट मेळत जाल्यार मागीर गऱ्याचो सोद सुरु जातलो आनी तू सापडटलो. मागीर बस खडी फोडीत” - हांवें ताका भंय घातलो.

राम्याक आनीक जाय ? सोमतोच गरो आनी राजू घेवन घरची वाट धरली ताणें.

“ठोऽ ठो ऽ ठोऽऽऽ” - पयस खंयतरी फोगोट्यांचो आवाज जालो आनी फाटोफाट नरशिंव सुवर्णा वांगडा लग्न जावन आयला म्हणपाची खबर कोणेतरी हाडली. घेऽ, गर्देतले अर्दे लोक आपाभटाल्या घरावटेन जाल्यार अर्दे लोक सरपंच्याचे घरावटेन धांवलें. लोकांवांगडा केशवूय धांवलो. हांवूय वचपाचो पूण म्हळें ह्या फॉगेट्यांचो किते भरवंसो ? बऱ्या कामाकूंय जाता आनी पाड्याकामाकूंय

“ख़ऱ्यानीच नरशिंव सुवर्णा वांगडा लग्न जावन आयला” - पाचूच मिनटां भितर केशवान खबर हाडली. म्हाका ‘सू’ऽ जालें. खंयय आसूं बाबडे बरे भशेन” हांवें मनातल्या मनात आशिर्वाद दिलो.

आतां मात आमची उमळशीक आनिकूय वाडली. सुवर्णा जर जितें आसा जाल्यार हें बायत उफेता तें मडे कोणाचें ?

‘शिवरामबाब, पांडल्याक बांयत देवोंवन मडें कोणाचें तें पळयल्यार बरें न्हय आशिल्लें ?” हांवें सरपंचाक सुचयलें ताका तें पटलें.

“आरे पांडल्या, मडें कोणाचें तें पळोवया. तूं बांयत देंव’ - सरपंचान पांडल्याक फर्मायलें.

“म्हाका एकल्याक भंय दिसता’ - पांडल्यान निमित सांगलें.

“वांगडा पेमल्याक घे मरे ” हांवें सुचयलें.

‘आनिकय जाय जाल्यार दुसरो सांगाती दिवया कितें रे पेमल्या ?” हांवें आनी प्रेमानंदाक पिंडळपाक संद दिलीना.

"आरे केसवा, धांवत वच आनी एक निसण, चार पांच राजू आनी एक व्हडल
पाटलो घेवन यो आनी आयक, येतना एक बाटलीय घेवन यो" पयशे दिवन हांवें ताक
धाडलो. वांगडा प्रेमानंद गेलो.

पंदरा मिनटां भितर सामान सुमान घेवन केशव परतलो. वता आसतना सुशेगा
गेल्लो मनीस येतना धांवत आयिल्लो पळोवन गादयेर कितें घडलां आसतलें ? हाचे
हांवे अदमास केलो.

पावभर पोटांत वचनाफुडें पांडल्याक आदोगाती सुचल्यो "फाल्या पोलीस बी
आमच्या फाटल्यान लागचे ना मरे ?" ताणें दुबाव काडलो.

"तें आमी पळयतां. तुमका कांयच लागचे ना." - सरंपचाकडल्यान अभयदान
मेळटकूच पांडलो आनी प्रेमानंद सवकास सवकास बांयत देवपाक लागले. पांडलो फुडें
आशिल्लो.

"धीर जायना आनीक एक पावभर उडय" - मड्याच्या लागी पावून पांडलो
आड्डलो.

कितें करतलो ? उडोवचोच पडलो.

हातांत मेळिल्ल्या बाटलेतल्यान पांडल्यान वांगडाच दोन तीन घोंट माल्ले आनी
बाटली प्रेमानंदाच्या हातांत दिली.

ताणेय दोन तीन घोंट मारले आनी पांडल्याची फाट थापटिली. पांडल्यान नव्या
नेटान छाती फुडें काडून भंय फापडून उडयलो आनी सगळें बळगें एकठांवन जतनाय मडें
उदारें केलें. आनी एकदम किळांच मारली, "सुरेशबाबा हें मडे न्हय बावलें !"

"बावलें ?" बांयचे धडेर आशिल्ल्या सगळया लोकांच्या तोंडातल्यान अजापाचें
एक ल्हार उसळ्ळें.

"कोपाचेर आसात म्हूण तांका तशें दिसूंक बी ना मरे ?" कोणेतरी दुबाव
काडलो.

'कितेंय जांव. तुमी उखलून फाटल्यांत दवरात. आमी वयर वोडून घेतां " -
सरपंचान सांगलें.

वयर काड जाल्यार खऱ्यानीच एका तणाच्या बावलेक व्यवस्थीत केंसांचो टॉप बी
घालून सुवर्णाचीच चोरून हाडिल्ली तांबडी साडी न्हेसयल्ली.

दिस्टावो

न्हिदेंत आकांताची किंळाच मारून गडबडीन हांव जागो जालों. हांव खंय आसा कितें करतां हें लक्षांत येवपाक म्हाका कितलेशेच सेकंड लागले. भंयान म्हजें हडडें पेटयेच्या भात्या भशेन हालतालें. आंगाक शेळी हूम फुटिल्ली. कामरूंक घेतिल्ले चादरीनूंच हांवें आंग पुसलें.

हांव न्हिदिल्ली कूड तर काळखान सामकी उपाट भरिल्ली. म्हाका त्या काळखाचो भंय सो दिसपाक लागलो. खिणभर दिसलें, लायट पेटोवन झप करून काळोख नाच करचो. पूण लायट पेटयली जाल्यार घरचीं, चड करून आई बी जागी जातली आनी मागीर प्रश्नार प्रश्न विचारतली. म्हूण हांव तसोच काळखानूच बसून रावलों. पूण ताळो सामको सुकून आयिल्लें भशेन दिसपाक लागलो, घडये चड घाम आयिल्लो बी म्हूण जायत, म्हूण उदक पिवपाक म्हाका उठचोच पडलों.

हांवे लायटीचो बटन ऑन केलो. लायट पेटली ना. ‘पाड पडलें हे लायटीचें. जाय तेन्ना मेळपाक नश्शीब ना. लायटीक स्राप घालीत हांवें मेजाचो खण उगतो केलो. कारण फाटीं एकदा एक फस्क हांवें मेजाच्या खणांत दवरिल्ल्याचो म्हाका उगडास जातालो. काळखांत सांसपुनच हांवें ते फस्क काडलें आनी काडी मारली. ‘सूर’ असो आवाज करीत काडी पेटली आनी कितें अजांप ? जुस्त त्याच वगतार एकदम लायट पेटली.

हांव मदलें साल हुपून रांदचे कुडींत गेलों. सदचे भशेन कळसुलेंत उदक भरिल्लें आशिल्ले. हांवें कळसुलीच उखलून घटा-घटा ताळयांत ओतयली. कांय न्हय म्हळयार दोनेक तांबये उदक पोटांत वचनाफुडें जिवाक मातशें बरें दिसलें. उदक पिवन हांव परतून म्हजे कुडींत आयलों.

मेजा वयलें आलार्म घड्याळ पांच वरांचो वेळ दाखयतालें. घरचीं कोणूच उठूंक नाशिल्ल्यान हांव परत ख़ाटीर आड पडलों. पूण कस्सोच दोळो लागना जालो. हें अशें कशें जावचें ! दीसभर मनांत जे जे विचार घोळटात तातुंतले कांय भाग जांव आख्खो भाग सपनांत दिसतात अशें म्हणटात. पूण कौतुकाविशीं हांवें केन्नाच अशें चिंतूंक नाशिल्लें. चितपाचें सोडूच, कौतुकाविशीं असले पाडे विचार म्हज्या मनाक लेगीत आपडूंक शकनात. मागीर हे सपन पडलें कशें ? तेंच फातोडेच्या पारार! फांतोडेर पडिल्लीं सपनां चड करून खरीं जातात अशें जायते फावट हांवे आमच्या घरांतल्या जाण्ट्या जाणकारांच्या तोंडातल्यान आयकल्लें. म्हणटकूच कौतुकाविशीं पडिल्लें हें सपन खरें बी जायना मू ?

मडगांवच्यान सुरेश सो आमगेर आयलो आनी म्हणपाक लागलो, कौतुकाच्या मोटारीक अपघात जांवन तो आकताक सोंपलो. ही खबर आयकून हांव धांवत पडत कसोतरी एकदाचो कौतुकागेर सो पावतां. थंय पळय जाल्यार आंगणांत कौतुकाक शेंदरेर न्हिदयला, आंगार गळ्या मेरे धवें खपन धांपलां, तकलेकडेन दोनय वटेन उजवातीश्यो पेटल्यात. लोक येवन ताच्या धांपिल्ल्या तोंडात साखर घालून ताच्या गुणांचो उगडास काडून रडटात. हें सगळें पळोवन "कौतुक ऽ" असो हांव मोठ्यान किळांचशी मारतां...

फट करून मदल्या सालांतली लायट पेटली. "आरे विवेक, इतले सकाळाफुडे लायट पेटोवन कितें करता ?" आईन वासपुर केली.

'च्ये कांय ना. येदोळ आलार्म आयकून जागो जालों मगें. आनी मागीर कश्शीच न्हींद येना जाली" - मनांतलो गोंदळ लिपयत हांवे आईक जाप दिली.

आई ती ! वयल्या वयर सांगलें म्हूण तिका खरें दिसूं नाका ? तिणे दुबावान कुडभर नदर भिरभिरायली. म्हज्या म्हऱ्यांत येवन कपलाक, गळयाक हात लायलो आनी हांव बरो आसा अशी खात्री जातकूच मातशी हांसली.

"आयज आयतार मरे. स वरां जातात थंय आसात. न्हीद थोडो वेळ" - कुशीन पडिल्ली चादर म्हज्या आंगार घालून ती आपल्या वावराक गेली.

हांवें सुस्कार सोडलो. खरेंच तिचें. आयतारा दीस आंठ साडेआंठ पयलीं सहसा हांव केन्नाच उठना. मागीर च्या-पाणी बी घेवन काशिनाथागेर वचप, थंय इस्पीकानी

खेळपाक बसप वा दिगंबर जांव उमेश आसल्यार तांच्या वांगडा बुध्दीबळ खेळपाक बसप आनी बारा साडेबारांक परतून घरा येवप ही म्हजी आयतारच्या सकाळच्या आदेदसाची थरिल्ली कार्यावळ. म्हणटकूच हांव आयज साडे पाचांक उठिल्लो पळोवन आईक अजाप दिसपाचेंच. पूण तें सपन न्हय जाल्यार हांव तरी इतले बेगीन खंय उटलो आशिल्लों ?

हांव उठून भायर आयलों. तोंड बी धुलें आनी रांदचे कुडीत्त वचून जेवणाच्या मेजार बसलों.

"आई म्हाका च्या दी पळोवया" हांवें सांगलें. आई चपात्यो भाजताली.

"कितें रे ? कितें जालां ? आईची दुबाबी नदर परत म्हाका नियाळूंक लागली. पूण संवय गुणान तिच्यो चपात्यो लाटपाचें काम चालूच आशिल्लें.

"आगे खंय कितें जालां ? तुका म्हणून नाका जाल्लेच दुबाव मगें" हांवें मातसो आवाज चडयलो. कारण खंयचेच परिस्थितीत म्हाका त्या सपनाचो आईकडेन उच्चार करपाचो नाशिल्लो.

म्हज्या आवाजातली खरसाण आईक जाणवली. तिणे मोन्यानी तव्यावयली चपाती काडून ताटांत उडयली. लाटफळया वयली चपाती काडून तव्यार घातली. च्यायेचो तोप दुसरे शेगडेर दवरलो आनी दोन बश्यो काडून एकात भाजी आनी दुसरेंत हुनहुनीत दोन चपात्यो घालून म्हज्या फुड्यांत दवल्ल्यो. बळया जांव मागीर, पूण म्हांका तिचेर तापचें पडलें हाचें म्हाका मनातल्यान खुब वायट दिसलें.

'हांव मातसो मडगांवा वचून येता" चपातेच्या कुडक्यान भाजी तोंडात घालीत हांवें सांगलें.

आइ कितेंच उलयली ना. फक्त नदर वयर करून म्हाका पळोवंक लागली. तिच्या दोळयांत "कित्याक ?" हो प्रश्न नाचतालो.

"मातसो कौतुकाक मेळून येंवक जाय" हांवे खुलासो केलों.

"ताकाक येवन आयदन कित्याक लिपयता? रेणुकाक मेळपाक वता म्हूण सांगल्यार हांव नाका म्हणटली ?" तव्यावयली चपाती परतीत आईन फकाणां केलीं.

"आयस सायबा" - हांवें सकयलो वोंठ वयल्या दातानी चाबलो. खऱ्यानीच

आईच्या जाग्यार दुसरो कोणूय आशिल्लो जाल्यार हातांतली चपाती काडून तोंडार मारपाचो, इतली म्हाका तिडक आयिल्ली. न्हय तेन्ना फोकाणा केल्लीं म्हाका सोसनात.

हांव मानता, रेणुका म्हज्या मामालें चली. शिकपाक हांव मडगांव मामागेर आसतना आमचे सूत जुळ्ळें आनी आमी लग्न जावपाचो निश्चेव केलो. आतां तर ही सामकी जग जाहीर जाल्ली गजाल. रेणुका सुन म्हणून घरच्या सगळ्यांक पसंत आसा. तातुंतल्यान तातूंत आपल्या भावाल्या चलयेकडेन हांव लग्न जाता म्हणून आईक चड खोशी. म्हणटकूच रेणुकाक मेळपाक वतना आईक फट मारपाची म्हाका कितें गरज ? हें आईन चितूंक नाका आशिल्लें ? म्हणून हांव चड बेज्जार.

तशें पळोवंक गेल्यार कौतुकाक आई वळखना अशेंच कांय न्ही. कौतुक म्हजो जिवाभावाचो इशट. इश्कोलांत वांगडाच शिकिल्ले आमी. मेट्रिक जातकूच हांव आर्टसाक गेलों आनी कौतुक सायन्सिक गेलो. फुडें तो दोतोर जालो. आयज कौतुक म्हळयार मडगांव शारांतलो पार्तीचो फामाद दोतोर.

आतां कौतुकाचें घर आमच्या मामाच्या घरा शेजराकूच आशिल्ल्यान आईक रेणुकेचो दुबाव आयलो जातलो ही शक्यता न्हयकारू नज. तरी आसतना हांव सांगता म्हूण म्हज्या म्हणण्याचेर तिणे विस्वास दवरपाचो. पूण जें कितें राती सपनांत घडलें तें सगळें व्यवस्थीत आईक समजावन सांगपाच्या मनस्थितीत हांव नाशिल्ल्यान आईच्या फोकाणांचो सट करून म्हाका राग आयलो. इतलें खरें.

देखून तोंडातल्यान जाप काडीनासतना च्या पिवन हांव भायर आयलों. कपडे चडयले आनी स्कुटर घेवन कौतुकागेर वचपाक भायर सरलों.

सकाळीफुडेंच म्हाका आपल्या घराकडेन पळोवन कौतुकाक अजाप दिसलें.

"शंबर वर्सा आयुश तुकां" म्हजी फाट थापटीत ताणें सुरवात केली. आरे कितें मजा पळय, तुमगेर वचून येता म्हूण आत्तांच आईक सांगतालो हांव. पूण नांव काडीनाफुडें सैतान हाजीर म्हणटात तसो तूं हाजीर जालो. म्हजी फावट वाचयली. तुकां देव बरें करूं'

"आमगेर सो?" - म्हाका बेठोच दुबाव आयलो, हाकांय बी म्हजे भशेन रातीं सपन बी पडूंक ना मूं ?

"सांचें भावना येवपाचें आसा" - कौतुकान खोशयेन सांगलें.

भावना कौतुकाची व्हंकल. मेडिकलाक आसतना तांची दोगांयची वळख जाली.

ृ्टागत वाडली आनी आतां लग्न जावपाची आसात तीं. भावना येवपाचें आसता ते ।स कौतुक हटकून म्हाका आपल्यागेर आपोवन व्हरता आनी तो दीस आमीं व्हडा मेदीन घालयतात. वांगडा रेणुकाय आसता. हें आनी वेगळे सांगपाची गरज ना. ।ामची चौगांयची इश्टागत पळोवन कौतुकाच्या आईन एकदा फकाणानी म्हळळें म्हाका ाटट याद आसा - आरे विवेक, तुमचें चौगांयचें एकाच वेळार एकाच माटवांत लग्न ।रचें आं!"

"म्हाका दिवपाची शंबर वर्सा तुकांच दवर. तूंच ना जाल्यार तीं शंबर वर्सा म्हाका केत्याक हडड्यार घेवपाक ? हांव म्हजेच तंद्रेंत उलोवन गेलों.

" कितें ? हांव खंय ना जाल्यार म्हणटा तूं ?" घुस्पल्ले भशेन कौतुकान विचारलें. ांव वोगीच रावलों.

"आरे कितें जालां ? तुजें तोंड पळयल्यार कसलें तरी मोठे संकस्ट तुजेर कोसळिल्लेवरी देसता" म्हज्या मनांतले कळिल्लेवरी म्हाका बारीक नियाळीत कौतूक उलयलो. हांवें ांवडो गिळ्ळो.

"तुजो सपनाचेर विस्वास आसा ?" - ताकतिकेन हांवें कौतुकाक विचारलें.

"कोण सपना"?

"पापया फकाणां पुरो आतां. रातची पडटात तीं सपना म्हणटा हांव !" हांव तेडकलो.

'आरे पूण तुजें जालां कितें ?" म्हज्या भुजाक धरून हालयत ताणें विचारलें. हांवें ठोच म्हज्या तोंडावयल्यान हात भोंवडायलो.

"हें पळय, तूं म्हाका तुजो खासा इश्ट मानता मरे ?" म्हज्या दोळयांत पळयत ताणें रतून विचारले. हांवें हय म्हूणन तकली हालयली.

"मागीर मनांतलें कितेंच लिपनासतना म्हाका सांग पळोवया?" तुजें मन ल्हव ावपाचो हो एकूच उपाय" - म्हज्या म्हऱ्यांत बसत कौतुकान मायेन म्हळ्ळें.

खिणभर दिसलें, कितेतरी वेगळेंच सांगचें. पूण मागीर मन घट्ट केलें. सांगपा ातीर आयला ते गजालीक आपा लिपा कित्याक ?

"आयज फातोडेर तुजेविशी हांवें एक वायट सपन पळयलें, तुज्या मोटारीक सो

अपघात जावंन तूं आकताक सोंपलो, देखून हे दोन चार दीस तूं मातसो सामाळ
राव." तो म्हजीं फकणां करतलो हें जाणा जावनय हांवें सांगलें.

कौतूक मोठ्यान हांसलो. ताचो हांसो आयकून ताची आवय भायर आयली आन
म्हाका पळोवन हांसत म्हजी खबर घेवंक लागली.

"आं म्हणून तुजें तोंड अशें रडकुरे शें दिसता तर ! च्ये, म्हाका भेस्टावन उडयल
तुवें, म्हाका दिशिल्लें, आर्म बिर्म घेवन कोणतरी तुज्या फाटल्यान लागला की का
कितें? आरे, पदवीधर जावनय असल्या भिकाड्या सपनाचेर विस्वास दवरता तूं ?"

"कसलें सपन ?" कौतुकाचे आवयन मदींच तोंड घातलें.

"कांय ना गे बेठोच तो. हाका बरी कडकडीत शी अेक च्या कर पळोवया. हां
घेवन येता ताका भितर" - फकाणा करीत कौतूक परत हांसलो.

ती भितर गेली.

"आरे एऽ फकाणा करु नाका रे पापया. थोडो सिरियस जा" - हांवें परत
विनवणी केली.

"बरें आतां हांवूय सिरियसली विचारता आं, ह्यान पयली तुकां सपन पडलें आनी
तशेंच घडलें अशे केन्ना जालां ?" - खऱ्यानीच गंभीर तोंड करून ताणें विचारलें.

"म्हणून तर सांगता न्ही रे ! एक दीस आमच्या मॅनेजराचो बापूय भायर पडलो
म्हणून म्हाका सपन पडलें. ऑफिसांत वचून ही गजाल हांवे सगळयांक सांगली आनी
खऱ्यानीच अकरांक सुमार ताचो बापूय भायर पडलो म्हूण ऑफिसांत रेकाद आयलो.

आमचो शेजारी रमाकांताक वळखता न्हय तूं ? म्हाकां पयलींच सपन पडलें की
तांगेर जुंवळे चले जाल्यात ! हावें ही गजाल ताका आनी ताच्या बायलेक सांगली. मागीर
सात आंठ म्हयन्याचेर दोतरानय सांगलें की तिच्या पोटांत जुंवळी भुरगीं आसात म्हूण
आनी खऱ्यानीच तागेर दोन चले जाले.

पोरूं आमचे कंपनीचे गाडयेक अपघात जावन दोगजाण कामगार मेल्ले ही गजाल
तुकां याद आसतलीच. हे गजालीचो पासून एक दीस पयलींच म्हाका दिस्टावो जाल्लो.
हांवें ती गजाल सगळयांक कळीत केल्ली. मेनेजराक पासून ! पूण कोणेच गंभीरतायेन
घेवंक ना. परिणाम कितें जालो ? खऱ्यानीच कंपनीच्या गाडयेक अपघात जावन

गजाण सोंपले ना ?

"अश्या कितल्याशाच बारीक मोठ्या गजालींचो एक दोन दीस पयलींच म्हाका स्टावो जाला आनी तशेंच घडलां. म्हूण म्हणटां........."

"तूं पोलीस खात्यांत भर्ती कित्याक जायना ?" गंभीर तोंड करून कौतुकान चारलें.

"कित्याक म्हणटा तूं ?" तो कित्याखातीर विचारता हें न कळील्ल्यान हांवें परतून श्न केलो.

"न्ही फाल्यां परवां कितें किते घडटलें हें तुका आयजूय कळटा न्हय रे म्हणटकूच यच्याय गजालीचो झपाझप सोद लावन फटाफट तुज्यान प्रोमोशनां घेंव येतात."

"तरीकूय फकाणां ? म्हणटकूच तुकां हांव शिटकावणी दिवपाक आयलो हीं म्हजी शेंपणा जाली तर !"

"आरे लोकांक अमकें अमकें जातलें म्हूण कळून तुका कितें फायदो आसा ? त्या दला एकादलो सोर्तीचो नबंर ना जाल्यार मडक्याचो आंकडो बी दिसता जाल्यार ळय! एका रातयांत लाखाधीश जातलो तूं " - कौतुकान परत फकाणां केलीं. हांवें पलार हात मारून घेतलो.

'कपलार हात मारून कित्याक घेता रे? मातशें चितून पळय अशें अशें घडटलें. हूण तुका दिस्टावो जालो. बरें आसा. फुडे कितें करपाचें ? घडीत हें घडले बगर रावचे म्हूण हात कामरून वोग्गी रावपाचें ? देखून हांव म्हणटां, एखादलें वायट घडीत कशें कोवंयेता हे विशी जर तुकां दिस्टावो जाल्लो जाल्यार खरो आशिल्लो" - कौतुकाल्यो ादवोगासी सुरु जाल्यो.

'पूण हांव म्हणटां म्हज्या रूपान तुकां कोणतरी शिटकायता अशें कित्याक तूं मजना ?"

'बरें समजून घेतलें फुडें कितें करूं ?"

"एक तीन चार दीस गाडी सांभाळून चलय" - हांवे उपदेश केलो.

" हें तुवें कित्याक सांगूंक जाय रे ? तें सगळ्याकूच खबर आसा. आनी फकत वेंच गाडी सांबाळून चलयली म्हूण अपघात जावचोच ना अशें कित्यावयल्यान म्हणटा

तूं ? दुसऱ्यान आपली गाडी हाडून म्हजेर मोखली जाल्यार ?"

"तूं अशें कित्याक करीना ? हे एक तीन चार दीस घरांतलो भायरूच सरू नाक
हांवे एकदम सांगलें.

"पिशें लागला तुकां. पयलींच आमच्या समाजात कुडड्यो समजुती भरल्या
तातूंत हांव आनीकूंय भर घालू ? मागीर हांव शिकून सवरून फायदो कितें? शिक्ष
म्हळयार फकत पोट भरपाचे साधन न्हय. ज्या गजालीक विज्ञानाचो आदार ना ल
गजालीचेर म्हाका जाल्यार विस्वास ना" कौतुकान स्पस्ट सांगलें.

"तशें जाल्यार आयज मेरेन म्हाका जाल्ले कितलेशेच दिस्टावे खरे कशे जाल्या
तर ?"

"त्यो, कावळो बसपाक आनी खांदी मोडपाक, म्हणटात तसल्यो गजाली."

सुस्कार सोडीत हांव वोग्गी पडलों. कारण कौतुका सारखिल्ल्या शिकिल्ल्या सवरील्ल्य
मनश्याक हे सगळें कशें समजांवन सांगचें हेंच म्हाका कळनाशिल्लें.

"आता तूं सांगता म्हूण हांव घरांतच उरलो जाल्ल्यार अपघात जावचो ना हें हां
समजूंक शकता. पूण मरण चुकतलेंच म्हणूनच न्हय. त्यानपरस तुज्या दिस्टाव्याचो हां
स्वता अणभव घेतां."

" आरे तुका सांगल्यार समजना कशें? अपघात जावन तू आकताक सोंपतल
म्हूण दिस्टावो जाल्लेकडेन आसा. अणभव घेवपाक तूं उरचो ना."

"हें पळय, नशिबांतलें कोणाक चुकलां ? म्हज्या नशिबातंच जर असलें मरण
आसा जाल्यार कोणाच्यानच चुकोंव नज. अपघात न्हय जाल्यार बशिल्लेकडेनच थं
जांवक शकता. कोणूंय हातांतलें सारखें करूक शकता, नशिबातलें न्हय. तेन्ना तूं हें सगळ
मनांतले काडून उडय आनी हुसक्या मेकळो राव.तुवें म्हाका सांगपाचें काम व्यवस्थी
केलां हातूंत इल्लोंय दुबाव ना." उलयत कौतुक सोप्या वयलो उठलो.

"हरशीं कितेंय जांव. पूण म्हज्याविशी तुज्या काळजांत उपाट मोग भरला हातूंत
दुबाव ना. म्हणूनच तर म्हज्या मरणाच्या साद्या सपनान लेगीत तूं कासावीस जालो
तुज्या असलो इश्ट म्हाका मेळ्ळो म्हूण हांव स्वताक भाग्यवान समजता. आरे, मन चित्त
ते दुस्मान लेगीत चितिना अशें म्हणटात. आनी तूं तर म्हजो जिवाभावाचो इश्ट. चुकून
पडलें जातलें सपन. फॉरगेट इट' - म्हजी फाट थापटीत म्हाका उठोवन ताणें च्य

ञवपाक म्हूण भितर व्हेलो.

च्या बी पीवन जाप दिवपाक म्हूण हांव मामागेर गेलों. भावना येवपाचें आसा हूण कौतुकान पयलींच रेकाद दिल्ल्यान रेणुका घराच आशिल्लें. ताचेकडेन मनमेकळेपणान भायल्यो पयल्यो गजाली खूब उलयलो. मन बरेंच ल्हव ल्हव शें दिसपाक लागलें. पूण हुज्या दिस्टाव्याविशीं मात हांवें मुद्दामच ताचेकडेन विशय काडूंक ना.

सांजच्या चारांक सुमार भावना आपले सदचे भशेन तें येनाफुडें कौतुकालें घर सामकें खोशयेन भरून वोतपाक लागलें. आमी व्हिडीयोचेर एक पिकचर पळयलें इस्पीकानी खेळ्ळीं. आनी एक एक ग्लास बियर लेगीत मारली. भावनाच्या येंवकाराखातीर कौतुकाचे आईन कोंबडी बारीक केल्ली. ताचोय भरपूर सुवाद घेतलो. ह्या बोवाळांत सकाळीफुडें हांव एक गंभीर विशय कौतुकाक सांगपाक आयिल्लो हाचो लेगीत विसर पडलो म्हाका.

आनी तिसरेच दीस कौतुकाचो बापोल भाव सुरेश आमच्या दारांत हजर!

"सकाळीं णवांक सुमार कौतुकाच्या गाडयेक अपघात जावंन तो आकताक सोंपलो.." सुरेशान जिवाच्याआकातान सांगले. म्हज्या दोळयांमुखार एकदम काळोख आयलो. कसलें तरी दुख काळजांत उठून तकले वटेन धांविल्ले भशेन दिसलें आनी सोमतोच हांव घुंवळ येवन जमनीर कोसळ्ळों.

●

न्हवरो

साडे आंठ वरां जाल्लीं. बस भरिल्ली आसुनय मडगांव मडगांव करीत क्लिन
आनी कंडक्टर पेसेंजरा खातीर बोबो मारताले. ड्रायवर गुरुक गुरुक असो इजिनाचे
आवाज काडून बस रोकडीच सुटटा अशें लोकांक भासयतालो. एक एक करून मडगांव
वचपी लोक बशींत चडत आशिल्ले पूण तो मात खंयच दिसनाशिल्लो. देखून ताक
पळोवपाक जनेलांतल्यान तकली भायर घालून पयसमेरेन हांवें नदर मारली. पळोवन
पळोवन म्हजी मान वळ्ळी. पूण तो काय दिसलो ना.

तो येतलोच ह्या विस्वासान दोगांचो सीट हांव एकलोच आडावन बशिल्लों. कांय
न्हय म्हळयार बशींत चडिल्ल्या पांच स जाणानी त्या सिटाविशी म्हज्या लागीं वासापुस
केली. पूण हांव मात हातांतली पिशवी त्या सिटार दवरून, आसा एकलो सकयल देंवला
अशे म्हूण निभावन व्हरतालों. गर्दी आशिल्ले बशींत हें काम कितले कठीण हाचो म्हाका
खिणाखिणाक अणभव येतालो.

हरशीं साडेआंठाची बस तो सहसा चुकयना हाची खात्री आशिल्ल्यानूच हांवें ताका
सीट धरिल्लो. मागीर आयजू कित्याक कळाव जालो काय ? हो विचार म्हजो मेंदू
कोचावंक लागलो.

बरो असल्यार पुरो - मनांतल्या मनांत हांवें देवाक हात जोडले. आयज रजा बी
काडूंक ना मूं ताणे ? म्हजे दुबावी मन चितपाक लागलें.

"बाप्पा कोण बसला गा ह्या सिटार?" एके सान चलयेक धरिल्ले बायलेन म्हाका
त्या सिटाविशी विचारले भुरग्या खातीर तिका सीटा ना म्हणपाक म्हज्यान जायना जालें.

"तसो एकलो बशिल्लो आसा ह्या सिटार. पूण तरिआसतना बस तूं. भुरगें आसा

ुजे कडेन !" व्हडलो उपकार केल्ले भशेन हांवे त्या सिटार दवरिल्ली पिशवी काडून ांड्येर धरली आनी तिका बसपाक सीट दिलो.

खर ऽऽऽई - असो फोर्सान देरकाल काडपी जांणट्या भशेन आवाज काडीत ड्रायवहरान गियर घातलें.

तो जर ना, जाल्यार हांव मडगांव वचून फायदो कितें ? त्यान परस देंवल्यार बरो - असो मनांतल्या मनांत चितींत सिटावयलो उठपाक करतालों आनी ज्युस्त तेन्नाच धावंत येवन तो बशीर चडटा तो हांवे पळयलो म्हज्या जिवाक सूऽ जालें देवपाक उखलिल्ले कुले हांवे परतून सिटाक तेकयले.

"फाटी वचात, फाटी वचात" - आनिकूय लोकांक भरून घेवपाक कंडक्टर बशींत जागो करपाचो यत्न करपाक लागलो.

"पाडपडल्या हांच्या पोटांक कितलेय पेसेंजर मेळळे म्हूण भरपाचीं नात" गर्देत कोणेतरी राग परगटायलो, तो, उंतरांक मान दिवपी पेसेंजरा भशेन फाटी फाटी येयत म्हज्या म्हऱ्यांत पावलो. हांव मातसो अस्वस्त जालों.

मातसो पयलीं आयिल्लो जाल्यार काय बरो म्हज्या कुशिनच्या सिटार बसतलो आशिल्लो. आनी तो खंयचो ? कितें करता ? नांव गांव कितें ? हें सगळें पद्दतशीर विचारपाक म्हाका आयतीच संद मेळटली आशिल्ली. पूण सगळेंच फसलें.

बशिल्ले कडल्यान मान वयर करून हांव ताका पळोवंक लागलों.

धांवत आयिल्ल्यान ताका मातशीं धांप लागिल्ली. कपलार घामाचे थेंब एकठांय जाल्ले स्पष्ट दिसताले. ताचें गोरे गोरे तोंड तांबडेच जाल्लें. धवें खोमीस घामान भुजार भिजिल्ल्यान बनयनाचो आकार सारखो कळटालो.

कपलाचो घाम पुसून आपल्या केंसावयल्यान स्टायलिस्ट हात भोंवडायत ताणें तकली सकयल केली आनी चक करून आमची नदरेक मेळ्ळी. हांवे हांसून वळख दाखयली. तोवूय तोंडभर हांसलो. बऱ्या मनशांचे हांसप पासून बरें आसता हातूंत दुबाव ना.

"बसता ?" मुरवतीक हांवें विचारलें.

"च्चे च्चे बस तूं " परत तोंडभर हांसलो

खंयच्या ऑफिसांत कामाक आसत काय हो ? हांव परत चितपाक लागलो. म्हळयार आयज सारखी वासपूस करतलो म्हूण भायर सरिल्लो हांव. पूण हे बायलेन लायली. भुरग्याक घेवन मदींच उप्रासली. तें भुरगें तिचे कडेन नाशिल्ले जाल्यार तिका सीट दिवचोच नाशिल्लों. हांवें रागान एक फावट ते बायलेक पळयली. पूण मात आपल्या माणकुल्याक घट्ट गोपांत धरून जनेलांतल्यान खंयतरी भायर पळयता

"तूं खंय देवपी गे ? ती वाटेर खंयतरी देवंत हे आशेन हांवे तिका विचारलें.

'मडगावां' तिची जाप आयकून म्हजी उरिल्ली सुरिल्ली आस पालवली. हांवे ए लांब सुस्कार सोडलो आनी परतुन चितपाच्या भोंवऱ्यांत सापडलों.

मनशाचो सभाव ताच्या रुपावयल्यान ताच्या वागण्यावयल्यान कळटा अशें म्हणटा पूण जायते फावट तो पांगूरता त्या आंगवस्त्रावयल्यान पासून मनशाचो सभाव जा जांव येता. अशें एकदा आयकल्लें हांवें. हें जर खरें आसत जाल्यार तो सभावान एकद बरो आसतलो हातूंत दुबाव ना. कारण हांवें पळयल्ले फावट ताच्या आंगार म्हा फकत धवेच कपडे दिस्टी पडल्यात. आतां ताच्या गोऱ्या कातीक धवे कपडे बेसब सोबतात म्हूण तो धवेच कपडे वापरता बी जाल्यार हांव नकळ. पूण हांवें ताका आमच्य सोनमा खातीर वेचून काडपाक ते धवे कपडे पासून कारणीभूत आसात अशें म्हटल्या अतिताय जावची ना.

तशें आमचें सोनम म्हूण खंयचेच बाबतींत उणे ना. लांबाय - पांच फूट चार इं रूपान. गोरें. शिकप बारावी पास. फुडें शिकतलें आशिल्लें. पूण घराकडेन आम जेवणाचे हाल जातात म्हूण ना इलाजान ताका हांवेंच घरा दवरलें. घर कामाक एकद हुशार. सगळया कडेन समजिकायेन वागपी सभाव. त्यान भायर वीस बावीस पोवनाच्य वस्ती करून दवरिल्ल्यो आसात ताका. आनी कितें जाय ? असलें भुरगें बायल म्हू मेळपाक साता जल्माचें पुण्य पदराक आसूंक जाय! पूण ह्या दिसानी तो विनो आमच्या घराकडेन कावळया भशेन घिट्यो घालता म्हूण म्हाका बेठोच हुसको दिसता

तसो म्हाका सोनमाचेर पुराय विस्वास आसा. पूण म्हजें बापायचें काळीज बेठोच हुसको करता. आवय नाशिल्लें चली म्हूण चड. आमच्या जांण्ट्यानी म्हणून दवरिल्लें आसा न्हय? चली म्हळयार मातयेची मडकी म्हूण! म्हणटकूच वाटेवयल्या वाटसुऱ्या फकाणानी पासून फातर मारलो जाल्यार मडकी फुट्टली ती कुंमाराची, त्रासांत पडटलो तो बाबडो कुंमार. वाटसुऱ्याचें कितें वचचें पडलां ? देखून बरे भशेन सांबाळून बऱ्याश

भुरग्याच्या पदरांत घातलें म्हणटकूच हांव सुटलों. फाटल्यान आनीक एकलें आसा. फुडलें जोंत वता तशेंच फाटलेंय जोंत वतलें. म्हूण सोनमाची चड कुयदाद घेवंची पडटा. फाल्यां लोकानी म्हणपाक नाका, शांबा दादिल्या चल्यानी अशी वाट लायली आनी तशी वाट लायली म्हूण.

तशें लोकाचें व्हडलेशें घेवन बसपी मनीस न्हय हांव. लोक आनी ओंक सारखीच अशें हांव मानता. हरदासाली कथा मूळ पदार म्हणटात तशें कितलेंय बरें कर पुण इल्लेशे वाकडें मेळूं, त्या वाकड्याचेरूच चर्चा करीत बसपी लोक आमचे. आतां इतलें खरें की उदकांत रावून नुस्त्या वांगडा वायटपण बरें न्हय म्हूण लोक अपवादाक मातसो भिवचो पडटा.

"बाप्पा खंय वयता तूं?" कंडक्टरान म्हाका तिकेटी खातीर हडकिलो आनी म्हजी तंद्री भंगली.

"मडगावां. दोन आं" - हांवे बेगिबेगीन पांच रूपयाची नोट काडून कंडक्टराकडेन दिली.

"दुसरो कोण?"

"होऽऽ तो. धवे कपडे घातल्यात तो."

"ताका तूं खंय वळखता ?" - पच करून कंडक्टरान विचारलें.

मदान हे कंडक्टर. हांका शिताफुडें मीठ खावपाची संवय. कोणाक कोण खंय वळखता हें हांका कित्याक लागता? म्हाका दोळे फोडून तिडक मारली ताची.

पूण तो डेली पेसेंजर म्हूण ह्या कंडक्टराच्या वळखीचो बी काय ? तट करून म्हाका उगडास जालो आनी म्हजो रागाचो पारो इल्लो इल्लो देंवपाक लागलो. कारण तो सद्दां हेच बशीर मडगांव वता हाची म्हाका पक्की जाण आशिल्ली.

इतल्यान ताणें म्हाका पळयलो

"हांवे तिकेट काडल्या आं."

"आरे तुमी कित्याक काडली? हांव काडटलो आशिल्लों दोगांयची" - ताणें आपल्या मुस्तायकेच्या बॉलसाक हात लायत सांगलें.

पळय कितली नमळायेची उतरां हाचीं. भरिल्लो गाडगो आवाज करीना म्हण
तें फट न्हय - म्हाका दिसलें.

"कांय नजो. तुवें काडल्यो कितें आनी हांवे काडल्यो कितें एकूंच न्हय?"
आपलेपण दाखयलें.

'देव बरें करूं" हांसत ताणे दिनवास आठयले.

आरे बाबा, आमच्या सोनमाचो हात हांव तुज्या हातांत दितलो पळय तेन्ना देव
करूं म्हणून सांगल्यार जालें - हावें मनांत म्हळें.

आनी म्हाका खात्री आसा, एक न्हय एक दीस तशें तो म्हणटलोच. कार
आमचें सोंनम तशेंच व्हड पांयगुणांचे.

तें जन्मांक आयलें आनी आमचो संवसार चारूय वटेनी खोशयेन उपाट भरपा
लागलो. म्हाका रोकडीच बडती मेळ्ळी, त्याच म्हयन्यांत म्हाका पन्नास हजाराची सो
फुटली, दोन वर्सा जाता म्हणसर बाबूक हाडलो, अशो एका फाटोफाट एक जायत
बऱ्यो बऱ्यो घडणुको घडल्यो. म्हूण म्हाका खात्री दिसता, फाल्यां लग्न जातकूच ह
पोराचे पासून नशीब फुलयलें बगर रावचें ना आमचें सोनम.

एक गजाल हांव मानता की वळख जावपाक, नातें जुळपाक योगायोग जुळ
येवचो पडटा. ते दीस ताणें म्हाका आदार दिवंक नाशिल्लो जाल्यार तो तरी म्हज
उगडासांत खंय उरतलो आशिल्लो ?

त्या दिसा एका म्हत्त्वाच्या कामाक लागून मडगांव गेल्लेकडेन म्हाका बरोच कळा
जालो. धांव धांव करून प्रासार पावलो जाल्यार निमाणें बशीक ही ऽ गर्दी आशिल्ल
पूण घरा तर पावपाकूच जाय आशिल्लो. म्हूण आवा-शिवा करून कसोतरी बशी
चडलों आनी देडा पायांर दारानूच उरलों

"आरे त्या बाप्पाक मातसो वयर घेयात" - कंडक्टर फाटल्यान रावून आड्डाले
पूण बस इतली पॅक आशिल्ली की मातसो हालपाक पासून वाव मेळनाशिल्लो.

बस सुटली आनी हांव खऱ्यानीच कितलो असुरक्षीत आसा हाचो म्हाका दर एक
वलतार अणभव येवपाक लागलो. बशिच्या भायल्या पत्र्याक धरिल्लो म्हजो हात खंयच्यां
खिणाक सुटूंक शकता अशें म्हाका दिसपाक लागलें. हांवे दोन तीन फावट मात
घोळात रे, अशें म्हणून पळयलें. पूण कोणूंच हाल्लो ना.

तो फुडल्याच सिटार दाराच कडेन बशिल्लो. म्हजी धांदळ जाता ती ताका दिसताली. पूण कोणाच्यो गायी म्हशी आनी कोणाक उठाबशी म्हूण तो ओग्गी आशिल्लो जाल्यार कोण जाणा आनी एका वोल्तार खऱ्यानीच म्हजो तोल सुटलो. हांव जमनीर शेवटुपाचो. पूण विजेच्या शिटुकसाणेन ताणें म्हज्या शर्टाक धरलो म्हूण हांव वाटावलों आनी फुडल्या स्टॉपार बस थांबनाफुडे सिटावयलो उठून ताणें म्हाका बसपाक दिलें. खरें म्हळयार ते दीस म्हज्या दोळ्यांनी उपकार रुपी दुकां एकठांय जाल्लीं.

त्या उपरांत जायते फावट तो म्हाका मेळ्ळो. चड करून सकाळी साडे आठांक फोंड्यां प्रासार. बरे भशेन हडकितालो. पूण तो खंयचो ? कितें करता ? हाची हांवें केन्ना वासपूस करूंक नाशिल्ली. आनी गरज आसा अशें म्हाका केन्ना दिसुकूंच नाशिल्लें. पूण फाटल्या सुमानांत तें कामतीलें अपुर्वा कोणावांगडातरी पळून गेलें. आनी आंमचें सोनमूय तेच पिरायेचें हें म्हज्या लक्षात आयलें. म्हणटकूच असलें कितेय घडचे पयलींच ताच्या आंगाक हळद लागूंक जाय अशें म्हाका खरपणान दिसपाक लागलें आनी हांव सोनमाच्या लग्नाचो विचार करता करता अकस्मात हाचो उगडास जालो.

काय बरो भुरगो. जमता जाल्यार कित्याक जुळोवचें न्हय ? असो एक विचार म्हज्या मनांत मूळ धरपाक लागलो. पूण वयल्यावयर रूप पळोवन फायदो ना हाची म्हाका बेसबरी जाणविकाय आशिल्ली. सभाव कसो? करता कितें ? हें म्हत्त्वाचें आशिल्लें. कारण चकचकता तितलेंय कांय भांगर नासता न्हय ? बरो दिसता म्हूण वयल्या वयर रूप पळोवन हावें पांच-पन्नास हजार खर्च करून चली दिलें आनी फाल्या तो लटर फटर थारत जाल्यार म्हजें भांगरा सारखे भुरगें त्रासान पडपाक आसा. लग्ना कितें भावनावश जावन करपाची नासतात. सारखी वासपूस करून निर्णय घेवचे पडटात. फुडलें बरें वायट मागीर तांचें नशीब.

तो कमीच कमी पदवीधर तरी आसतलो. आनी खंयच्याय जाल्यार ऑफिसांत दोन अडेच हजार रुपया पगार घेवपी अधिकारी आसतलो अशें म्हजें मन गवाय दिता. म्हणटकूच लग्न थारपाक फुडलो प्रस्न येतलो तो जातिचो. पूण हांवें पयलींच थारोवन दवरलां, जातीचे व्हडलेशे घेंवन बसपाचें ना. जाती खातीर माती खावपाचे दीस उरल्यात आतां ? आतां तर मातशे खातीर जात खावची पडटा. तरूच फुक्या सवाय सरकारा कडल्यान खंयतरी प्लॉट मेळूंक शकता. म्हणटकूच आमच्या जातचो जालो जाल्यार बरेंच जालें. पूण परजातचो जालो जाल्यार मातशें नाटक करप. तीं मोगान पडून लग्न जातात अशें लोकांक भासवप. एक दोन फावट ताका आमच्या घरा हाडून सोनमाकडेन वळख

करून दिवप. सोनमाक पळोवन वळख मोगांत रूपांतर जावपाक कळाव लागचो । हाची म्हाका शंबर टक्के खात्री आसा. आनी मागीर मोग जालो म्हणटकूच जाती प्रस्न खंय येता ? आनी आयलोंच जाल्यार कोण खंय पर्वा करता?

"बस नव्या प्रासार वयची ना. डायरेक्ट पोरण्या प्रासार वयतली. नव्या प्रास वचपी देवात हागांसर" - मडगांव पावून कंडक्टरान करानांय मारपाक सुरवात केली

तो देंवता बी काय कितें ? हाची हांवें बारीकसाण घेतली. पूण ना. तो देंवलो न आनी देंवतलो तरी कसो? नव्या प्रासावटेन ऑफिसां आसात ?

पोरण्या प्रासार तो देंवलो. फाटोफाट हांवूय देंवलों. आतांतरी ताका लागीं करू विचारपाची संद घेवंक जाय म्हूण बेगिबेगीन ताच्या हांव म्हर्यांत पावलों.

"येता ?" ज्यूस्त तेन्नाच एका मोटर सायकल पायलटान ताका विचारीत ताच्य म्हर्यांत मोटरसायकल हाडून उबी केली.

तो हांसत मोटर सायकलीर बसलो आनी भुऽऽर्र करून गेलो. हांव मात मनांत विचार मनांत घोळयत खूंट कसो थंयच उबो रावलों. परत एक पावट म्हजे आशे विरजण पडलें. इतल्या पयस मडगांव येवन फावट फुकट गेली हाची म्हाका खंत दिसपा लागली. वयल्यान दोन तिकेटीचो दंड सोसचो पडलो म्हूण चड. आतां येद्या व्हडल्य मडगांव शारांत ताका खंय आनी कसो सोदपाचो? ताचें सादे नांव लेगीत खब नाशिल्लें म्हाका.

त्यान परस ताका फोंड्याच खंयतरी मेळून उलोवणी केल्लीं जाल्यार बरें जातल आशिललें अशे म्हाका दिसपाक लागलें. पूण हांव म्हजें चली आपल्या गळयांत बादपा सोदता असो ताका दुबाव बी येंत म्हूण भंय दिसतालो म्हाका.

विचार करीत करीत पांय व्हरतात ते वटेन हांव वतालों इतल्यान, आपणाक पांच मीटर एलिफांत कपडो हाड आं म्हूण पयर सोनम म्हणटालें, ताचो म्हाका उगडास जालो. मडगांव आयिल्लोंच आसा, बॉलसांत पयशेंय बी आसात, व्हरचो पांच मीट एलिफांत कपडो, मडगांव मेरेन आयिल्ली फावट तरी उपेगाक लागली सारखी जातल म्हूण हांव एका कपड्याच्या दुकानांत भितर सरलों.

"कितें जाय बाप्पा?" विचारपी आवाज वळखीचो कसो दिशिल्ल्यान हांवें ते वटेन पळयलें आनी पळयत उरलों. हय, तोच तो. धव्याफूल कपड्यांतलो सेल्समेन, म्हाक

वेचारतालो तोंडार तोच हांसो फुलोवन. त्या हांशाची म्हाका एकदम नसाय शी दिसपाक लागली. म्हजें भांगरा सारखें भुरगें ह्या कपड्याच्या दुकानांत काम करपी पोराक दींव? हळ्या विचारान पासून म्हजें आंग शिरशिरलें. धवें दिसता ते सगळेंच दूद जाल्लें जाल्यार दुदाक उदका इतलो पासून वालोर उरचो नाशिल्लो हातूंत दुबाव ना.

खरें म्हळयार कितेंच घेयनासतना दुकानांत भितर सरिल्लों तसोच भायर सरून वचचो अशें म्हाका खिणभर दिशिल्लें. पूण तशें केलें जाल्यार कितें सादतलें ? होवूय वेचार म्हज्या मनात घोळपाक लागलो.

तशें पळोवंक गेल्यार ताणें काय सोनमाक मागणी घालूंक नाशिल्ली. हांवेंच ताका पळोवन ताचेविंशी व्हडल्यो व्हडल्यो अपेक्षा बाळगिल्यो आनी तो सेल्समेन म्हूण कळटकूच त्यो भंगल्यो हातूंत चूक कोणाची ?

देखून ताचेविशीचो सगळो भ्रम मनांतलो भायर मारून गिरायक दुकानातल्या कपडे विकपी भुरग्याक सांगता तशें कसलीच भीड मुरवत धरिनासतना शांतपणान हावें ताका सांगलें - "पांच मीटर धवी एलिफांत दी."

ताणें कापून दिनाफुडें हांवें गल्ल्यार वचून पयशे फारीक केले आनी दुकानातल्यान भायर सरून प्रासावटेन झपाझप पांय उखलूंक लागलों.

●

इंटरव्यू

दनपारचें एक वर सुमार जाल्लें आसत आमची एकप्रेस बस फूल स्पिडी धांवताली बशींत व्हडलीशी गर्दी नाशिल्ल्यान सुदैवान म्हाका जनेंलाक तेकून सी मेळिल्लो. जनेलातल्यान भितर येवपी वारें दनपारच्या वोताची खरसाण कितलेश पटीन निवळायतालें. हांव सहज सिटाक फाटलेवटेन तकली तेकोंवन फाटल्यान धांव सैमाची सोबीतकाय पळयतालों. पूण तकलेंत मात इंटरव्यूचे विचार घोळटाले. ह विचारांच्या तंद्रीत म्हाका केन्ना दोळो लागलो कळलेंच ना.

अचकीत फुडल्या सिटाचे दांडयेर म्हजी तकली आदळली आनी घाबरो घुब जान हांव जागो जालों. बशिंतले सगळेच प्रवाशी एकामेकाकडेन काचाबूल नदरेन पळयताले हांवे म्हज्या कुशीन बशिल्ल्या मनशाकडेन बोवाळ कसलो म्हूण वासपूस केली. पू ताणेंच तोंड वांकडें करून भुजां हालयलीं आनी हेरांभशेन हेवटेन तेवटेन पळोंव लागलो. म्हूण हांवेय दोळे पुशीत जनेंलातल्यान भायर तकली काडली आनी तो देखा पळोवन म्हज्या म्हाकांय हांसो आयलो.

जाल्लें कितेंकाय म्हळयार एक म्हस आर. टी. ओ. भशेन रस्त्यार मदींच उब आशिल्ली. वोल्ताक लागून ती ड्रायवराक पयलीं दिसली ना. म्हूण ताका अकस्मात ब्रेक मारचो पडिल्लो. देवा दयेन बस पॅक नाशिल्ल्यान कोणाकूच लागले ना. बशिच्य हॉर्नाच्या आवाजाक ती बदना हें पळोवन किलींडर सकल देवून म्हशीक आमुडली आनी बस परत स्पीड घेंवक लागली.

परत म्हजे दोळे जड जावपाक लागले. पूण हांव इंटरव्यूक वचपाक भायर सरला हाची म्हाका परतून जाण जाली. म्हणटकूच वाटभर बशींत न्हिदलो जाल्यार तोंड पडिल्ले

शेन दिसतलें आनी इंटरव्यू घेवप्यांचेर म्हजो प्रभाव पडचो ना. म्हूण झेम निवळावपा ातीर हांवे कुशीन बशिल्ल्या मनशाकडेन आमिकदाद मारपाची थारायलें. ताणे दोळयांक ाळो गोगल लायिल्ल्यान तो झेमता काय जागो आसा हें म्हाका सट करून कळ्ळें ना. खून मातसो सारखो पळोवपाचों हावें यत्न केलो. आनी म्हाका सुको आंवडो गिळचो डलों. कारण म्हज्या शेजराक बशिल्ली व्यक्ती 'तो' न्हय 'तें' आशिल्लें!

आता इतलो वगत ही गजाल म्हज्या लक्षात आयली ना, हातूंत म्हजोतरी किते ुन्यांव ! ताणे जिन पेंट घातिल्ली, फुल हाताचो शर्ट चडयिल्लो, दोळयांक काळो गोगल ोबतालो, फकत घड्याळ सोडल्यार, तीय बी दादल्यांभशेन व्हडली सायज, ताच्या ातांत, कानांत, नाकांत कांयच नाशिल्लें, कपलाकतर गंध सोडूच, सादी तिकली ेगीत नाशिल्ली. आनी भरींत भर म्हणटा तशें ताणे दादल्या भशेन केंसाचो व्यवस्थीत ट मारिल्लो. पूण सहज छातयेर लक्षगेल्ल्यान एकदम सगळो प्रकार म्हज्या लक्षांत आयिल्लो. कमीच कमी दादल्यां बायलां भितर देवान इतलें तरी वेगळेपण दवरलां म्हूण ांवे ताका आर्गां दिलीं.

मातसो सारखो बसत हांवें ताचेकडेन एक तिरशी नदर मारली. योगायोग तरी केतें ? ज्यूस्त तेन्नाच ताणेंय म्हजे कडेन पळयलें. त्या काळया गोगल्यातल्यान पासून ाचे मोटमोटे दोळे म्हाका दिसले. पूण आमची नदरानदर जायनाफुडें तें हय न्हयशें ांसलें आनी परत फुडें पळोंवक लागलें.

आतां मात म्हजी झेम खंयच्याखंय पळून गेली. कुशीक सोबीत सुंदर चली बशिल्लें आसतना जर म्हाका झेम आयली जाल्यार हांव तरनाटो कसलो ? तशे जायते फावट ांय जाण झेमेच्या निमतान शेजराक बशिल्ल्या चलयेच्या आंगार पडपाचो यत्न करतात ी वेगळी गजाल.

खरें म्हळयार 'टाकेकार ॲंटरप्रायस' हे खाजगी कंपनीतल्यान कॉल आयिल्ल्यान ांव इंटरव्यू खातीर पणजे वतालों. आदले रातीं बरोच वगत मेरेन इंटरव्यूची तयारी रीत बशिल्ल्यान मातशें जागरणशें जाल्लें देखून बशिंत मातसो दोळो लागिल्लो. आनी ूण तें चली खंयच्या स्टॉपार चडलें हें म्हाका कळ्ळें ना. हरशीं ताका पळोवन म्हाका रत परत दिसतालें की हांवे ताका खंयपूण पळयलां. पूण नक्की खंय तें मात लक्षात ेनाशिल्लें. ताकांच विचारचें, असो एक उतावीळो विचार म्हज्या मनांत आयलो पूण ाचो झेत पळोवन ताचेकडेन उलोवपाचें खंय ? परत परत ताचेकडेन पळोंवक लेगीत ्हाका धाडस जायनाजालें.

फुडल्या एका स्टॉफार बस थांबली कांय प्रवासी देंवले, कांय चडले आनी ते परत आपल्या वाटेक लागली. ह्या नवीन चडिल्ल्या एका प्रवाशाच्या हातांत हावें पे पळयलो.

"मातसो पेपर दिता ?" हांवें ताका विनवणी केली. बाबडो भावराती आशिल्ल ताणें रोकडोच दिलो.

पेपर हातांत पडनाफुडें मुखेल खबऱ्याकडेन हुंगून लेगीत पळयनासतना हांवें मद 'पेज' उगती केली आनी 'wanted' कॉलम पळोंवक लागलों. म्हजें हें करतूब म्हज शेजाऱ्रीक अजापाचें दिसलें जांवये !

"खंय वता ?" निमाणें ताणेंच तोंड उगडलें.

"पणजे" - जाप दिवपाक कळाव बी जायत जाल्यार तें रागार जायत म्हूण बेगिबेगीन हांसत हांवें जाप दिली.

'इंटरव्यू आसा काय कितें ?" ताच्या ह्या प्रस्नान मात हांव घुस्पल्ले भशेन जालों

"तुकां कशें कळ्ळें?" - म्हज्या मनांतली उमळशीक तोंडातल्यान भायर सरली.

'तुज्या मुखामळावयल्यान!" ताची रोकडीच जाप.

"आरे बापरे! म्हळयार मनशाच्या मुखामळावयल्यान ताचें काम पारखिता काय कितें तूं ?' खऱ्यांनीच म्हज्या मुखामळावयल्यान हात भोंवडायत हांवें ताची खोंचक तोखणाय केली.

तें अर्थगर्भीत हांसलें. त्या हांशान म्हज्या काळजाचे मात कुडके कुडके जाले आनी सगळेवटेन शिंपडले. ताची सया म्हज्या तोंडार उदेली. हांव काळजांच्यान सुखावलो.

"फकत तोंडावयल्यानूच न्हय परिस्थितीचोंच आदार घेंवन खंयच्याय मनशाबद्दल हांव अदमास बांदूक शकता. पूण हवामान खात्याच्या अंदमासाप्रमाण जायते फावट तो चुकता ही वेगळी गजाल. आतां तुजीच गजाल घेवया. आमचो पेपर हांतात फडनाफुडें मुखेल खबरो लेगीत पळयनासतना बेगिबेगीन तूं 'wanted' खंय आसा काय ? म्हणून पेपरभर सोदपाक लागलो. म्हळयार तू सुशिक्षीत बेकार तरनाटो. दुसरी गजाल तुज्या बोल्सांत पाचव्या रंगाचें पाकीट पळय आसा, ते 'टाकेकार एंटरप्रायस' चे इटरव्यू कॉल आनी तुवें आजंच म्हाका सांगिल्लें, आपूण पणजे वता म्हूण ! म्हळयारूच तू पणजे

रव्हयूक वचपाक भायर सरलों असो अर्थ जालों" - ताचो हो खुलासो आयकून आपान म्हाका तोंडात बोंटा घालचीं कशीं दिसलीं.

हरशी म्हज्या धव्या पोलिस्टर खोमसाचें बोल्स बरेंच पातळ आशिल्ल्यान ताका तें कीट दिसलें. ही जरी वस्तुस्थिती आसली, तरी बायलांची नदर बरीच खर आसता तूंत इल्लोंय दुबाव ना. म्हूणच जायत घडये, जाचें हांवे आजून तोंडसुध्दां सारखें ळोंवक ना. ताणे म्हज्या बोल्सांत कितें आसा तें लेगीत पळयलें जातलें.

हरशीं कितेंय जांव, मनमेकळेपणान उलयतालें म्हूण हावें ताचें नांव विचारलें.

"निर्मला" हांसत ताणे जाप दिली.

"खंय वता तर ?" तोंडाची खाज भागोवपाक वोगीच हांवें वासपूस केली. हरशी हूण सुंदर चलयेकडेन कोणाक उलयत रावचें शे दिसना?

"तुजे भशेन हांवूय 'टाकेकार एंटरप्रायस' हे कंपनीन असिस्टंट एकावंट्टच्या इंटरव्हयू खातीर पणजे वता. हरशीं इंटरव्हयू मडसरेचो. त्या कंपनीचो धनी म्हज्या पापाचो कॉलेज इश्ट म्हणटकूच ती शिर्विस शंबर टक्के म्हाकांच मेळटली हे थाल्लेलेंच आसा. आतां फोर्मालदादेक इंटरव्हयू दिवपाचो आनी टायमपास म्हूण शिर्विस करपाची" - ाऱ्यान हुबपी केस दाव्या हातान सारखे करीत तें सहज उलोवन गेलें. पूण म्हाका मात सणसणून तिडक मारली.

आरे, मारपाचीय न्हय ? खरें म्हळयार शिर्विसेची खरी गरज आसात म्हज्या सारकिल्या गरीब घराण्यातल्या भुरग्याक. पूण ती शिर्विस निर्मलाक मेळटली आनी तें ती टायमपास म्हणून करतलें ! केदो विपर्यास हो ? पूण तोंडार मात कसलोच हावभाव वा तिडक दाखयनासतना हांसत हांवें ताका सांगलें,

"तू वगीच असल्या ह्या सादे सिर्विसेच्या भानगडीत पडटा अशें म्हजें जाल्यार मत. म्हज्या कोतान तुवें सी. आय. डी. खात्यांत भर्ती जांवक जाय."

"कित्याक म्हणटा ?" - मुमुरख्यानी हांसत तिरशें पळयत ताणें म्हाका विचारलें.

"तुकां मुखामळावयल्यान मनशाची पारख कळटाच न्हय गो. म्हणटकूच चोरांक, फटींगांक कांयच न्हय करून सापडांवन तुज्यान बेगोबेग नांव लौकीकाक पावुंयेता" - तिडकेचो वास आशिल्ली म्हजी ही तोखणांय ताका कळ्ळी वा ना म्हूण कोण जाा? पूण तें मात दांत दाखयत मोठ्यान हांसलें.

मडगांवच्या प्रासार बस थांबनाफुडें च्याक म्हूण आपापल्या सिटार सामान दव
जायते प्रवासी देंवले.

'आमीय च्या घेवन येवया ?" ताणेंच म्हाका आपयलो

हरशीं झेम घालोवपाक म्हाकांय बी च्यायेची गरज आशिल्ली. त्यान भायर
शिर्विस तर ताकांच मेळपाची आसा. म्हणटकूच इतल्या पयस आयिल्ल्याचे भाडे म
च्यायेच्या रूपान निर्मला कडल्यान मेळटा जाल्यार कित्याक सोडचें ? असो विचार क
हावें रोकडीच तकली हालयली.

केक आनी च्याची वोर्डर ताणेंच दिली. पांच रूपया तीस पैशे बील जालें. त
सात रूपया काडून प्लेटीन दवरले आनी आमी भायर सरलीं.

"आवयस् ! एक रूपया सत्तर पयशे वेटराक ? मनांतल्या मनांत चितून ह
आंवडो गिळ्ळो.

बस परत आपल्या कामाक लागली. आमची भासाभास मातशी कमी जाली. प
पयलीं परस तें म्हाका खेट्टून बसलें. ताचें ते बेफिकीर उलोवप हांसप खिदळप वल्त
म्हज्या भुजांक भुजां घांसप, जांगडांक जांगडां तेकोवप ही ताचीं करतुबां पळोवन म्हा
ताच्याविशी बेठोच दुबाव सो मारपाक लागलो. कमीच कमी एके घरंदाज चलयेकत
म्हज्या सारकिल्या वळख नाशिल्ल्या चल्या वांगडा अशे करप निखालस सोबना. र
म्हळ्यार ताचेकडेन असले नाचरंग हांवे करपाचे. पूण हांगा उदक परतें व्हांवता
कलीकाल म्हणटा तो हाच्या परस वेगळो आनीक कितें आसतलो ?

तशें पळोवंक गेल्यार हांव म्हणून कितें कमी न्हय ? एक ब्रयापैकी खेळग
जाल्ल्यान आंगापेरान सणसणीत आशिल्लों. आता मेरेन म्हजो रिकोर्डूच असो आ
की चलयो म्हजे कडेन वळख करून घेवपाक आशेतात. कांय चल्यानी म्हजेकडेन आपणे
जावन लग्नाचें उतर घातिल्ली लेगीत उदारणा आसात. तशेंच हें म्हाका फारावपा
सोदता काय ?

हाय सोसायटींत वाडिल्लीं भुरगी चड निर्भींड आसतात हाची म्हाका जाणविका
आसा. तरी आसतना निर्मलेचे वागप पळोवन म्हाका एक वेगळोच दुबाव येवपा
लागलो.

मुंबय सारकिल्ल्या शारांत वांगड्या प्रवाशांक आपल्या सोबीत रूपान पिसो करून ांका नाडपी वा तांची पाकिटां मारपी चलयो आसतात म्हूण हांव आयकून जाणा आशिल्लों हो उगडास जायनाफुडें म्हजें पाकीट शाबूत आसा म्हणपाची बोल्साक हांत ाव हांवें खात्री करून घेतली.

तिनाक सुमार आमची बस पणजे पावली. इंटरव्यू पयलीं आपणाक मातशें कोणाकतरी मेळपाकजाय म्हूण निर्मला बेगिबेगीन टेक्सी करून गेलें. वता असतना म्हाका इंटरव्यू बरो वचूं" अशें म्हणपाक तें विसरलें ना. हांवें एक लांब सुस्कार सोडलो आनी 'टाकेकार एंटरप्रायस' वटेन पावलां उखल्लीं.

सारखो साडेतिनाक इंटरव्यू सुरू जालो इंटरव्यू कसलो! म्हज्यानतरी, फार्स सूरू जालो, अशें म्हूण येता. हांव धरून सगळेच चार उमेदवार आशिल्ले. निर्मला पांचवें. पूण ताचो खंय पत्तोच नाशिल्लो.

तिसरो उमेदवार जातकूच म्हाका आपोवणें आयलें. हांव केबिनांत भितर सरलों. निर्मला भितरूच आशिल्लें. म्हाका पळोवन तें गोड हांसलें मालकय पोरणी वळख आशिल्ले वरी हांसलो. पूण हांव हांसलो ना. म्हाका सामकी तिडक मारताली. दिसतालें, सिनेमातल्या हिरोभशेन तांका आडून सांगचें,

"चोरानो घटट्न जांव तुमचें. तुमी हो सगळो फार्स सरकाराक नागोवपाखातीर करतात. तें बरें आसा. पूण ताका लागून म्हज्या सारकिल्ल्या गरीब, कंगाल भुरग्याची वाट लागता ताचें कितें ? शिर्विस मेळत म्हणून केदया मोठ्या आशेन इंटरव्यूक येतात आमी ? जायते फावट बॉल्सांत पैशे नाजाल्यार रीण काडून लेगीत. आनी तुमी ती शिर्विस पयलींच कोणाकतरी दिवन उडयतात ? कित्याक करूंक जाय हो सगळो वेळचो, पयशांचो विदवंस ? स्वताचे मजे खातीर ? आरे, मजाय पळोवपाची आसत, जाल्यार सिनेमाक वचात, नाटकां पळयात क्लबानी वचात..." अशें खुब कितें कितें उलोवचेशें दिसलें. वोंठ हाल्ले लेगीत. पूण उतरां मात फुटली ना.

मालकान बसपाक खूण करतकूच हांव खामसूत्री बाबल्यावरी मोन्यानी बसलों. ताणें म्हजी सगळीं सर्टिफिकेटां पळयलीं. आनी म्हाका हांत दियत सांगलें,

"परबी. तूं इटरव्यूत पास जालो. तुजी तयारी आसल्यार फाल्याच्यान तूं कामार हाजीर जांवक शकता."

निकाल आयकून हांव एकदम नेव्हॉँज जालों. हें अशें कशें जावचें ? निर्मला मेळपाची शिर्विस म्हाका कशी फाव जाली ! म्हाका जाल्यार कितें करचें, कितें उलोवं तेंच समजनाजालें. हावें निर्मलावटेन पळयलें. खोशी ताच्या मुखामळा वयल्यार हांवताले सामकी. आब्बा, निर्मलाक मेळपाची शिर्विस म्हाका मेळ्ळी तरी निर्मला हांसता ?

चित्ता चित्ता तिट् करून दोन गजाली म्हज्या लक्षांत आयल्यो. पयली गजाल निर्मलेचे आनी मालकाचें तोंडाला पळोवपाक बरींच एक सारखी कशीं दिसतालीं आनी दुसरी गजाल, बशींत जीन पेंटीत आशिल्लें निर्मला मालकाच्या केबिनांत सलावार कमीज घालून आशिल्लें !

"म्हणजे निर्मला मालकाचें चली न्हय मूं ?" केबिनातल्यान भायर सरता आसतना म्हजे तकलेंत विचारचक्र सुरू जालें.

"परबी" म्हज्या फाटोफाट केबिनातल्यान भायर येंयत निर्मलान म्हाका परबी दिली.

'देव बरें करूं खऱ्यानीच म्हाका तुवें चक्रायलो. तूं..."

"हय. ते म्हजे पप्पा."

"माफ कर आं. हांवें तुकां वळखूंक ना" – आडखळत हांव उलयलो.

"कांय तूजो गोंयच्या मुखेलमंत्र्याक सगळे वळखतात. पूण मुखेलमंत्री सगळयांक वळखूंक शकना न्हय ? तूं एके नावाजतो खेळगडो म्हूण हांव तुका बरे वळखतां आनी म्हणून पप्पा कडेन तुजे खातीर फावो मागिल्लो हांवें"

"आनीक एकदा तुकां देव बरें करूं " हांवें मनांतल्यान ताचो दिनवासी जालो आनी ताचो निरोप घेतलो.

चोर

ते दीस इन्स्पेक्टर तारी ऑफिसांत भितर सरलो तोच सामको शिळोणी घालीत. तो खूब खोशी आशिल्ल्याची ती गवाय. ताका कारणूय तशेंच आशिल्लें. एक व्हडलें यश ताणें जोडिल्लें. रोड्रीक आनी ताचें आख्खें कुटूंब काबार करपी खुनीक ताणें खूब हिकमतीन नितिच्या बचक्यांत सापडायल्लो. हरशीं सगळया खबरे पत्रकांतल्यान ताची तुस्त तोखणांय जाल्लीच. पूण ते दीस आय. जि. पी. न मुद्दाम आपोवन व्हरून ताका शाबासकी दिल्ल्यान तो चड खोशी आशिल्लो.

इन्स्पेक्टर तारीच्या फाटोफाट एक तरनाटो ताच्या ऑफिसांत भितर सरलो. फकत भुवंयो उचांवन ताणें त्या तरनाट्याक 'कितें जालां ?' म्हूण विचारलें.

"म्हजे नांव विवेक चोडणकार. एके खाजगी कंपनीत इंजनेर म्हूण कामाक आसा हांव आयज धा ते एक ह्या सुमाराक म्हज्या घरांत चोरी जाल्या" - विवेकान सांगलें.

तारीच्या कपलार पयलींच आशिल्ल्या आठयांत आनीक थोड्या आंठ्याची भर पडली. सकयलो ओंठ दातांनी दामींत ताणें हूं म्हूण तकली हालयली आनी वोगी रावलो. देकून विवेकाकूच फुडें सांगचे पडलें.

"आयज धांक सुमार हाव आनी म्हजी घरकान्न सिनेमाक गेल्लीं. साडे बारांक सुमार सिनेम सुटलो आनी एकाक सुमार आमी परतून घरा पावलीं. कपडे बदलून वस्ती दवरपाक म्हूण म्हजे घरकान्नीन कपाट उगडलें, जाल्यार तिचो बाजुबंद आनी नेकलेस लॉकरांत नाशिल्लो. खंयतरी दाव्या उजव्यान दवल्लन बी जायत म्हूण आमी घरभर सोद घेतलो. पूण कांयच फायदो जालो ना. अजाप म्हळयार आमी घरात भितर सरलीं तेन्ना दुबाव येवपा सारकें कितेंच आमकां दिस्टी पडलें ना. दाराचें कुलूप, धांपिल्ली जनला,

घराचे नळे की तश्शाक तश्शे आशिल्ले. ह्या सगळया परस व्हडली अजापाची गजाल म्हळयार आमच्या लॉकरांत बाजुबंद आनी नेकलेसी वांगडा एक पार वज्राच्यो वेडी भांगतिळो आनी दोन पाटल्यो आशिल्ल्यो. ह्यो वस्ती तशोंच साणून लॉकराक, कपाटाव व्यवस्तीत चावी बी करून चोर गेला." - विवेकान घडिल्लो सगळो प्रकार सांगलो.

"हो पिसो बी न्हय मूं ?" अशा दुबावान तारीन ताका एक फावट पांय ते तकले मेरेन बेठोच नियाळ्ळो.

"तक्रार दिल्या?" तारीन विचारलें.

"हय" - विवेकान बेगिबेगीन सांगलें.

"तुमकां कोणाचो दुबाव बी आसा ? म्हळयार शेजाऱ्यांचो बी " - इन्स्पेक्टर तारीन विचारलें.

"च्चे! दुबाव असो कोणाचोच लागना" - थोड्या विस्वासान आनी मातसो आडखळत विवेक उलयलो.

एका हवालदाराक आनी दोगां पोलिसांक वांगडा घेवन इन्स्पेक्टर तारी विवेकाल्या घराकडेन आयलो. भायल्यान ताणें घरा भोंवतणीं एक इस्त मारली.

तशें विवेकालें घर एकोडेंच आशिल्लें. बाकिची घरां उल्याच्या सादार आशिल्लीं. तरी आसतना दिसा उजवाडा कितेंच मोडतोड करिनासतना त्या घरांत चोरी करप सोपें न्हय अशे ताचें पक्कें मत जालें.

फाव ती जापसालदारकी घेवन इन्स्पेक्टर तारी मदल्या कुडींत भितर सरलो. घराक तिनूच कुडी आशिल्ल्यो. भायली कूड, मदली कूड आनी रांदची कूड. मदली कूड म्हळयारच तांचो बॅडरूम आनी थंयच खाटीक तेकून तें कपाट आशिल्लें.

"तुमीं भायर सरता आसतना त्यो वस्ती ह्या कपाटांत आशिल्लोच हाचो तुमकां सारको उगडास आसा ? इन्स्पेक्टर तारीन विवेकाले बायलेक प्रस्न केलो.

कारण जायते फावट बायलां एकामेकाच्यो वस्ती मागून व्हरतात हाडटात. आनी तशें तिचे वस्ती कोणेंय मागून व्हेल्ल्यो बी आसत जाल्यार तिका उगडास जावचो हो ताचो हेत आशिल्लो.

"हय इन्स्पेक्टर, हांव पकको जाणा. कारण काकणां हीं सदांच तिच्या हातांत

ासतात. पूण सिनेमाक वतना लॉकरांतल्यान स्वता हावें तिका तोडो काडून दिल्लो. ानी तेन्ना लॉकरांत त्यो वस्ती स्वता हावें पळयल्ल्यों - विवेकान विस्वासान सांगलें.

"तुमी बी कोणेय दुबाव येवपा सारको मनीस वा आवाज बी आयकल्लो ?" मिल्ल्या लोकांक उद्देशून इनस्पेक्टर तारीन प्रस्न केलो.

कोणूच कितेंच उलयलो ना. थोडी बायलां मात आपले भितर कितेंतरी फुतूफुतलीं.

"सगळेंच चुकयलें तुमीं. कपाटाक हात लावचे पयलींच जर तुमी आमकां कळयल्लें ाल्यार आमच्यान किदेंतरी करूं येतालें. चोराच्या बोटाचे दाग, ना जाल्यार वास ागोवन सुण्याच्या आदारान चोरा मेरेन पावूं येतालें.... " कितेंच सुचना जावन तारी डबडलो.

"जंय चोरयेचो सादो दुबाव लेगीत आमच्या मनाक आपुडलो ना थंय पोलिसेक ळोवपाचो प्रस्न येताच खंय? कपाट उगडून लॉकरांत पळयला तेन्नाच वस्ती चोरून हेल्यान हें आमकां कळ्ळां" - आपली बाजू सारकी आसा हें विवेकान आनीक एक ावट पटोवन सांगलें.

चोरयेक गेल्ल्या वस्तींची तपशीलवार म्हायती घेवन पोलिसेन रीतसर पंचनामो केलो.

"तुमी कांयच भिवपाची गरज ना. चोर वचून वचून वतलो खंय ? कायद्याचे हात ब्रूब लांब आसतात मि. विवेक. तो खंयचेंच तेर्राक आसूं, आयज न्हय फाल्यां नितिच्या ापळयांत सापडटलोच. तेन्ना आमचे मरीन आमी त्या चोराचो सोद घेयत रावतलेंच. ूण तुमच्याच बी कानार हेविशी कसलींय ल्हान व्हड गजाल आयली जाल्यार रोकडीच आमकां कळोवपाक जाय" - अशीं जीं कांय थारावीक साच्यांतली पोलीस अधिकाऱ्यांली आस्वासना आसतात तातुंतलें एक विवेकाल्या तोंडार मारून पोलीस गेले.

त्या उपरांत सात आठ दीस विवेक सदां पोलीस स्टेशनार वचून वासपूस करतालो. पूण तपास चालू आसा, हाच्या भायर कितेंच ताच्या पदरांत पडलें ना. मागीर मागीर विवेकाक पळोवन पोलीस पासून बेजार शे जावपाक लागले. देखून निमाणे ताणें त्या वस्तीची आशाच सोडली.

इन्स्पेक्टर तारीलें एक खाशेलेपण आशिल्लें. ताचेकडेन गेल्ली केस कितलोय तेप

जालो म्हूण निकाल लागले बगर मात जायनाशिल्ली. चोरयेखातीर खंयच्याय चोरा कैद केलो म्हणटकूच फाटल्यो सगळया पडून आशिल्ल्यो केशी सामक्यो जिव्यो तट्टी जावन ताच्या दोळयामुखार उब्यो रावताल्यो.

असोच पुरसजीन एक दीस इन्स्पेक्टर तारी आपले घरकान्नीक घेवन कांय वस्त करपाखातीर आपा शेटीगेर गेल्लो. हरशीं पयलीं सावन आपा शेटीलो आनी तारीच घराबो म्हळयार जाता. थंय ताका शेटीचे पेटयेर एक नेकलेस आनी एक बाजुबंद दिस पडलो. चक करून ताका विवेकाल्या चोरयेक गेल्ल्या वस्तींची याद जाली. ताणें सह अशी शेटीकडेन ते वस्तीविशी वासपूस केली. त्या त्याच गांवच्या एका मास्तरा वितळावन काकणां आनी सरपळी करपाक दिल्यात म्हणपाचें कळ्ळें.

'पूण ह्यो वस्ती पळोवन तुकां अजाप कित्याक दिसलें?" इन्स्पेक्टर तारीच्य कपलार पडिल्ल्यो आंठयो पळोवन शेटीन विचारलें.

"तीन चार म्हयन्या फाटीं एक नेकलेस आनी एक बाजुबद चोरयेक गेल्यात म्हूण म्हज्यालागीं एक केस आयिल्ली. चोराक सापडावपाचो तेन्ना हांवें खूब यत्न केल्लो. पूण कांयच फायदो जांवक नाशिल्लो पूण आतां ह्यो वस्ती पळोवन म्हाका बेठोच दुबाव येवंक लागला कारण त्या मनशान वर्णन केल्ल्या वस्तींचो आनी ह्या तुजेकडेन वितळावंक दिल्ल्या वस्तींच्यो मोडी एक कश्यो दिसतात म्हाका. आनी नव्योच वस्ती वितळावन दुसऱ्यो वस्ती करपाक दिल्यात हें पळोवन म्हज्या ह्या दुबावांत भर पडटा" आपली नदर त्या वस्तींचेर थिरायत तारीन पोटांतलो दुबाव ओंठार हाडलो.

"आपा तूं म्हाका त्या मास्तराचो मातसो नामो दिशी?" - आपाशेट वोगीसो पळोवन तारीन फुडें सांगलें.

"पूण हांव तुकां सांगतां, तो असली कामां करपी मनीस न्हय" - शेटीन विस्वासान सांगलें.

"दिसता तशें नासता म्हूण जग फसता हें जाणा न्हय तूं ? तो कसलीं कामा करता हे चौकशी केल्या उपरांत कळटलें आनी हावें तरी ताणेंच चोरी केल्या अशें खंय म्हळां? घडये ताणें कोणायकडल्यान विकत्यो घेतल्यात बी जायत!" तारी वेव्हार उलयलो.

"कामीण जाल्ल्यांक सगळेंच हळडुवे दिसता तशें तुमकां पोलिसांक सगळेच चोर कशे दिसतात हातूंत दुबाव ना. देखून हांव तुकां एके शर्तीर ताचो नामो दिवंक शकता. तुमच्या खेळांत ताचे मर्ण जावंक जायना" - शेटीन तारीक शिटकायलो.

"हांव तुकां उतर दितां, तो जर निरपराधी आसात जाल्यार जांव ताका, जांव ाच्या घरच्यांक कसलोच बादिकार जावचो ना. पूण गुन्यांवकारी जर आसत जाल्यार ात... " - फुडली उतरां उलयनासतना तारीन फकत भुजां हालयलीं.

"म्हजी आनीक एक तुकां विनवणी आसा. चौकशेक वतना तूं एकलोच आनी ंदाच कपड्यांत तांगेर वचूंक जाय. एकादल्या सभ्य मनशागेर पोलीस चौकशेक येवप ी केदी लजेची गजाल हाची कदाचीत तुंका कल्पना नासत म्हूण म्हणटा - शेटीन ताका समजायलो.

आपशेटीन दिल्लो नामो घेवन इन्स्पेक्टर तारी मास्तराल्या घराकडेन पावलो. दार धांपिल्लेंच आशिल्लें. भायल्यान दार घर ल्हान आनी सादेंच दिसतालें. दारावयली ावांची पाटी वाचून ताणे कांपिणीचरे बोट दवरलें

धवी पिजाम घातिल्ल्या एका जाण्टेल्यान ताका दार काडलें. ताच्या आंगात बनयान आनी खांदार वालो दिसतालो.

"हांव इन्स्पेक्टर तारी" - आपले करारी दोळे त्या जाणट्याचेर फिरायत तारीन ुरवात केली.

"मास्तर म्हणटात ते तुमीच न्हय?" खात्री करून घेवपाक तारीन विचारलें.

'हय' अशी मास्तरान तकली हालयली.

"सकाळी हांव आपाशेटीगेर गेल्लों ताचे कडेन तुमी कांय नव्योच वस्ती वितळावन दुसऱ्यो वस्ती करपाक दिल्यात हें पळोवन अजापशें दिसलें". तारीच्या ह्या एकाच ाक्यान मास्तर शिरांतरांनी हाल्लो.

"त्यो वस्ती कोणाच्यो?" तारीन सरळ सरळ विचारलें. मास्तर एकदम थंड पडलो. खिणा खिणाक ताच्या तोंडावयलो रंग बदलपाक लागलो. भियेल्ल्या सोंश्या भशेन ताचे दोळे खिणाक तारीच्या तोंडार तर खिणाक जमनीक नियाळपाक लागले आनी तोंडातल्यान एक्क उतर भायर सरना जालें.

"हें पळयात. तुमची खूब म्हायती म्हाका आपा शेटीकडल्यान कळ्ळया एक आदर्श गुरुजी म्हूण हांवूय तुमचो आदर करतां. आता तुमच्यो घरगुती गजाली विचारपाचो म्हाका कसलोच अधिकार ना. हाची म्हाका जाणविकाय आसा. पूण त्यो वस्ती पळोवन म्हाका दुबाव आयलो. म्हूण हांव चौकशेक आयलों. आनी ह्या कामाक तुमचो पुराय सहकार मेळटलो अशी आस्त बाळगितां" - तारीन समजावणेच्या सुरांत सांगलें.

"त्यो म्हज्या व्हडल्या धुवेच्यो" - आपल्या कांपऱ्या आवाजान जाता तितलो ताबो मेळयत मास्तरान सांगलें.

"ती खंय आसता?"

खरी गजाल सांगले बगर आपली धडगत ना हें मास्तरान वळखलें.

'ज्या मनशान आपल्यो वस्ती चोरयेक गेल्यात म्हूण तुमचेकडेन कागाळ केल्या ताची ती बायल'

"म्हळयार तुमी तुमच्याच धुवेच्यो वस्ती चोरल्यो ?" – तारी कायदयान उलयलो.

'आमच्या ह्या नाटकांत ताका पार्ट नाशिल्लो."

'कितें म्हणपाचें आसा तुमकां ?' - तारीन आवाज चडयलो.

"ती एक व्हडली काणी. सात म्हयने सुमार जाले. म्हज्या व्हडल्या धुवेचें लग्न जावन सोयरीगतीची उलोवणी केल्लीं तेन्ना व्हकलेच्या आंगार तोडो, पाटली आनी काकणां आसतलीं अशें न्हवरेकारांक आमी स्पस्ट सांगिल्लें. आनी म्हजें चली सोबीत सुंदर दिसता म्हणून जायत घडये ताणींय ते मान्य केल्लें. पूण लग्नाक धा बारा दीस आसतना न्हवऱ्याचे भयणीन तोडो, पाटली, कांकणां हाच्याभायर व्हंकलेच्या आंगार एक नेकलेस आनी बाजुबंद आसुकूंच जाय असो आग्रो धल्लो. व्हकलेच्या आंगार आशिल्ल्योच वस्ती करपाक म्हाका नाका पुरो जाल्लें. तातूंत आनीक वीस पंचवीस हजाराची मागणी वाडली. लग्न तर सामके तेकून आयिल्लें. लग्न मोडल्यार लजेक म्हारग. वयल्यान लोक हजार तरेचे दुबाव घेतले. फुडें फाटीं मागीर तिचें लग्न जुळपाक पासून कुस्तार. म्हूण ऐपत नासुनय हांवें तें मानून घेतलें. " - तो थारलो. ऑक्लांतल्यान पासून ताच्या दोळयांत उबी जाल्लीं दुकां सारकी कळटालीं.

"तुमकां म्हूण सांगता इन्स्पेक्टर, म्हज्या दुसरे चलयेच्या फकत कानांतली रिगां सोडून ताची गळयांतली सरपळी आनी हातांची काकणां पूसन नितळावचीं पडील्ली म्हाका. आनी सोयऱ्यां धायऱ्यां कडल्यान उदार - उसणें घेवन हांवें तें लग्न सोबोवन व्हेल्ले " - ह्या कस्टान थारोवन धरिल्ली दुकां उदकाच्या नळातल्यान निमाणे थेंब गळटात तशीं ओकलाची सकयली कडा हुपून खरखरीत पोल्यावयल्यान टप टप करून गळून पडलीं.

"आतां फुडल्या म्हयन्यांत म्हजे दुसरे चलयेचें लग्न आसा" - एक दोन मिनटाच्या

शांतताये उपरांत खांदावयल्या वाल्यान तोंड आनी दुकां पुशींत मास्तरान सुरवात केली.

"थळ बरें आसा. न्हवऱ्याची कसलीच मागणी ना. तरी आसतना चालू रीत म्हूण गळयांत आनी हातांत तरी करपाकूच जाय न्हय ? खंयच्यान हाडूं हांव पयशे. कोणाक नागोवंक वचूं ? कोणाकडेन कानपटटयो काडू ? सोयऱ्याकडेन तर उतर घालंपा सारकी सोय ना. आनी आयिल्लें थळ वगडावपा सारकें ना. म्हूण म्हजे व्हडले धुवेनूच हो उपाय सुचयलो. सिनेमाक वच्च्या दोन दीस पयलींच दाराची चावी ताणे म्हजेकडेन दिल्ली. आनी आलमारिची चावी खंय आसतली तें सांगिल्लें. त्या प्रमाण फकत तिच्या नण्देन मागीर बळजबरेन मागून घेतिल्ल्योच वस्ती हांवे फारायल्यो" -'सगळी काणी तशाक तश्शी इन्स्पक्टेर तारी मुखार मांडीत मास्तरान पयलेंच फावट विस्वासान ताच्या दाळयाक दोळे मेळयलें.

"आता सांग, खरो चोर कोण ?' हो प्रस्न मास्तराच्या दोळयांनी नाचतालो.

"वस्तीविशी सगळी काणी हांवें तुमचे मुखार दवरल्या. आता तुमकां जायतो निर्णय तुमी घेवपाचो" - मास्तराचो आवाज मातसो हाल्लो. दोळयांनी परती दुकां उबी जालीं. नितळ मळबांत अकस्मात काळीं कुपां जमतात तशीं. पूण पावस मात झडलो ना.

"तुमीं हे बाबतींत तुमच्या जांवयाक कित्याक विस्वासांत घेतला ना ?" तारीन परतोच प्रस्न उपस्तीत केलोच.

'हांव म्हणटा कांयच फायदो जावचो नाशिल्लों. कारण म्हजे चलयेचें रूप पळोवन ताणेनूच लग्नाची मागणी घातिल्ली पूण बस्तां खातीर जेन्ना ताचो भयण अडावन दाखोवपाक लागली तेन्ना मात तो तोंड धांपून वोग्गी रावलो. हाचें फाटलें राजकारण म्हाका कळना? पयलींच जर वस्तींचो प्रस्न आयिल्लो जाल्यार आमचेकडेन जमचें ना अशें आमीं स्पस्ट सांगिले आशिल्लीं पुण हें मागीर घडलें आनी आमी कात्रींत सापडलीं. आमच्या समाजांत एकाद्रे चलयेची सोयरीकच ना जावप आनी थारिल्ली सोयरीगत लग्नाक धा बारा दीस आसतना मोडप हातूंत खूब फरक आसा हें आनी हांवें तमकां सांगपाची गरज ना.

"तें सगळें खरें. पूण तुमचें हें नाटक फाल्यां तुमच्या जांवयांक कळ्ळें जाल्यार कितें जातलें हाची कल्पना आसा तुमकां?" तारीन कायद्याच्या बाणीर बोट दवल्लें.

“ताका कळप न कळप हें आतां तुमचेर आदारून आसा.” - पिंजिल्ल्या आवाजान मास्तरान सांगलें.

इन्स्पेक्टर तारीन सट करून मास्तराच्या तोंडाक पळयलें. ताचे दोळे उतरां परस खूब कितेंतरी विचारता - सांगता अशें तारीक दिसलें.

कांयच उलयनासतना इन्स्पेक्टर तारी उठलो. मास्तराच्या घराची सोपणां देंवतना ‘खरो चोर कोण?’ हो प्रस्न ताची तकली कोचायतालो.

रूप

"पप्पा, आमची मम्मी ले ती ?" शिल्पाच्या उतरांनी हांव शिंतीदार आयलों. आनी हांव खंय रावून कितें पळयता हें चितून म्हजी म्हाकांय लज जाली. वळखिच्या कोणेंय मनश्यान म्हाका पळोवंक बी ना मूं ? हाचो अदमास घेवपाक हांवे चोंयवशीन नदर माल्ली. पूण ना. म्हज्या बऱ्या नशिबान वळखिचो असो कोणूच दिसलो ना. पूण वळख नाशिल्ल्यो दोगी कॉलेज चलयो मुमुरखीं हांसत फुडें गेलीं. ती म्हाका पळोवन हांसली काय आपले भितरूच हांसलीं हें कळपाक मार्ग नाशिल्लो देखून म्हाका तांचें व्हडलेशें कांय दिसलें ना. तरी आसतना भर रस्त्यार उबो रावून धा बारा मिनटां नदर हालयनासतना तिचो तो पोस्टरूच पळयत रावलों'. हीं म्हजीं पिशेपणां म्हज्या हांवेंच कबूल केलीं आनी बेगिबेगीन शिल्फाचो हात धरून झपाझप हांवें घरा वटेन पांय उखल्ले. घरा पावता म्हणसर रुपालीच्या नाचाक वचपाचो विचार म्हज्या मनांत पक्को जाल्लो.

"आजय बेगीनशे घरा परतलें ?" घरांत भितर सरताआसतनाच आजिबायन खबर घेतली. कारण शेनवार दीस आमी फिरपाक गेली. म्हणटकूच परतून घरा पावपाक चड करून आमकां साडे सात आंठ वरां जातालींच!

"शिल्पाच घरा या म्हणपाक लागलें" - हांसत नेटान हांवें बंडल मारलें.

'ना गे आजिबाय! पप्पा मगें मम्मीचो..." फुडली उतरां शिल्पाच्या तोंडातल्यान भायर सरचे पयलींच झूप करून हांवे ताच्या तोंडार हात धरलो.

"पप्पा बिप्पा मागीर. पयलीं हात पांय धुवन देवाक पायां पडपाक जाय, चल यो पळोवया" - अशें म्हूण ओडीत हांव ताका भितर घेवन गेलो. ना जाल्यार भोंवपाक

गेल्लेकडेन घडिल्लो सगळयो घडणुको तश्याक तश्यो आजिबायच्या कानार घातल्या आशिल्लें.

रांदून करून साडे आठांक सुमार आजिबाय आपल्या घरा गेली तशें तिचे घर म्हूण कितें पयर नाशिल्लें. दोन तीन घरां साडून आमच्या शेजाराकूच रावतालीं ती. तिकाय बाबडेक आपलो असो लागींचो कोण नाशिल्ल्यान पद्मा ह्या संवसाराक अंतरल्या उपरांत हांवें आमकां रांदून वाडपाक आनी घरांतल्या हेर वावरा खातीर तिका आमगेर दवरिल्ली.

जेविनाफुडें शिल्पा सुस्त न्हिदलें. हांव मात बाज्जेर आड पडून रुपालीविशींच चित्तालो. भोवून भोवून पोस्टरावयलें ताचे तें सोबीत मुखामळ म्हज्या दोळयांमुखार उबे जातालें! खरेंच सैमाची करणीं तोखणांय करपा सारखी. जायते फावट हो सैम एके आवयच्यां पोटांत एकेच भशेन दिसपी जिवळया भुरग्यांक निर्मिता तर केन्ना केन्ना वेगवेगळया आवयाच्या पोटांत एकेच भशेन दिसपी भुरग्यांक जल्माक घालता. खंयचें रूपाली आनी खंयचे पदमा. वळख ना देख. पदमा एक घरंदाज बायल आनी रूपाली भरत नाट्यम नाच माचयेर सादर करपी एक डान्सर. पूण दोगांयची मुखामळा कितलीशींच मेळटी जुळतीं जशीं काय एकाच सायांतली कशीं. एक सारखीं दिसपी मनश्याची मुखामळा पळोवन लोकांची कशी धांदळ जाता हें कथा कादंबरी वाचून, नाटकां सिनेमा पळोवन हांव जाणा आशिल्लें. पूण खाश्या म्हज्या जिणेंत अशें एकादले नाटक घडत अशें हांवे सपनात लेगीत चितूंक नाशिल्लें. म्हणूनच तर लज मुरवत सोडून भर रस्त्यार उबो रावून म्हज्या घरकान्नी भशेन दिसपी त्या डान्सराचो तो पोस्टर पळयत राविल्लो हांव !

भरत नाट्यम् मायचेर सादर करपी रूपाली हें गोंयचे चली जाल्ल्यान लोकांच्या मनांत ताच्याविशीं एक तरेची उमळशीक तयार जाल्ली. देखून त्याच्या नाचाक खूब गर्दी जाली. आनी तातूंत भर पडिल्ली आयताराची. हांवें पयलींच दोन तिकेटी रिझर्व करून दवरिल्ल्यान त्या गर्दिचो म्हाका कुस्कूट बादीकार जालो ना.

सारखो धा वरांचेर लोकांक रूपालीचे दर्शन दिवपाक अंकाचो पडडो वयर सरपाक लागलो. केदो वेळ म्हज्या दोळयांर म्हाकाच विस्वास बसना जालो. साक्षात पदमाच. न्हय न्हय रूपाली भरत नाटयमच्या पोजींत माचयेर उबें आशिल्लें. भायल्यान पळोवपाक तर तें सामके अजंठा धोतितल्ले बावलें कशें सोबीत दिसतालें.

रूपालीचे दर्शन जायनाफुडें लोकानी ताळयो वाजोवन आपली खोस परगटायली. थोड्या आंबाटशोकी लोकांनी शिळोणी घालून ताका येवकार दिलो. आमच्या धाकट्या शिल्पान लेगीत ल्हव आवाजांत 'मम्मी' म्हळें.

मृदंगाचेर पयलो हात बसलो आनी रूपालीन नाचाक सुरवात केली. जसो जसो मृदंग द्रुत गतीर वाजपाक लागलो तशी तशी रूपालीच्या नाचाची गतूंय छन छन जावपाक लागली. तें मृदंगाच्या तालार आपले हात पांय आनी पुराय कूड लयबध्द तालबध्द नाचयतालें. लोक उस्वास दामून धरून ताचो नाच पळयतालो. म्हाका तर कुशीन बशिल्ल्या लोकांचो लेगीत विसर पडिल्लो. मृदंगाच्या तालार रूपाली छन छन नाचतना अती उत्साहान म्हज्या आंगार कांटो फुलतालो. आनी हांव शीं खाल्लेवरी मदीं मदींच आग फापुडतालों.

अचकीत रुपालीन नाच थारयलो आनी कितें घडलें हें लोकांच्या लक्षांत येवच्या पयलींच झूप करून अंकाचो पडडो पडलो. लोकांनी बोवाळ मारून थेटर माथ्यार घेतलें. पडडो पडच्या पयली कोणतरी भुरगें माचयेर पाविल्लें इतलेंच म्हज्या जाल्यार लक्षांत येतालें. इतल्यान माचयेर चत्राय आयली -

"रसीक लोकांक कळीत करपाक आमकां खंत भोगता की एका चार साडेचार वर्सांच्या सान चलयेन माचयेर येवन रूपाली बायच्या पायांक घट्ट धरिल्ल्यान उपाय नासून आमकां पडडो उडोवचो पडलो. पूण आतां रूपालीबायन ते चलयेक समजावंन हांगां बसयल्लें आसा. तेन्ना जो कोण ते चलयेचो पालक आसा ताणें भितर येवन ताका आपल्या ताब्यांत घेवचें अशें नमळायेचें मागणें.

देव बरे करूं.

चतराय सुरू जावच्या पयलींच हांवें म्हज्या कुशिनच्या सिटार नदर मारिल्ली आनी शिल्पा आपल्या जाग्यार ना हें पळोवन कितें घडलें जातलें हाचो हांवे अदमास करून बेगिबेगीन माचयेर पाविल्लों. तो मेरेन चत्राय सोंपिल्ली.

"पप्पा, हें पळय मम्मीन म्हाका केलें दिलां." म्हाका पळोवंक मोठ्या खोशयेन शिल्पान आपल्या हातांतलें केळें म्हाका दाखयलें. हांव कांयच उलयलो ना. फक्त अपुरबायेन ताच्या माथ्यार हात भोंवडायलो आनी रूपाली वटेन बोट दाखोवन ताचो नाच पळय म्हूण कुरवानी सांगलें.

पुराय दोन वरांची आपली सोबीत सुंदर कार्यावळ सोपोवन रूपाली आपल्या

मेकअप रुमांत गेलें. फाटोफाट शिल्पाक घेवन हांवूय ताच्या रुमांत भितर सरलों. ताका म्हच्यांतल्यान पळोवन म्हज्यो भावना उंचबळून आयल्यो. म्हजे वोंठ एके अनामीक आशेन थरथरलें. ताका गोपांत घेवपाक म्हजे हात शिंवशिंवले पूण म्हाका वास्तवेची पुराय जाण आशिल्ली.

"Excuse me" ही म्हजी चली शिल्पा. हाची मम्मी, म्हळयार म्हजी घरकान्न सारखी तुमचेच भशेन दिसताली. आतां सात म्हयने जायत आयले, ना ती ह्या संवसारांत. म्हूण शिल्पा तुमकां आपली मम्मी समजून भितर सरलें. आनी तुमच्या कार्यावळींत खंड पडलो. तेन्ना धडिल्ल्या अनर्था खातीर हांव चूक मागतां" - हांवे खरे ते रूपालीक सांगलें.

कांय उलयनासतना तोंडभर हांसत ते एका खुर्चेर बसलें. त्या मरक्युरी लायटीच्या धव्याफुल्ल उजवाडांत ताचे दांत हारांतले मणी कशे चकचकले. पदमांय अशेंच तोंडभर हांसतालें. पूण रुपालीच्या उजव्या पोंल्याक पडटाली तसली सोबीत खळी मात ताच्या पोल्याक पडनाशिल्ली. त्या बदला पदमाच्या दाव्या थानार वयले वटेन एक सोबीत तीळ आशिल्लो. ताच्या धव्या आंगार तो काळो तीळ उठून दिसतालो. हांव बरो मुडांत आयलो म्हणटकूच हटकून त्या तिळाक जिबेचे पोंत लायतालों. घडये रूपालीकसुद्दा तसलो एखादलो तीळ वा चामखीळ आसत! कोणें सांगचें ?

"बाय शिल्पा तिका कपडे बीं बदलूंक जाय. आमीं घरा या न्हय?" समजावणेच्या सुरांत हांवें शिल्पाक सांगलें.

"हांगां कित्याक बदलूंक जाय ? आमीं चल या गे मम्मी" - शिल्पान हटट धरलो.

"ती येतलीच गो. पयलीं आमी या तिका येंवदी मागीर सुसेगाद" - रुपालीक पळयत हांवें शिल्पाक सांगलें.

"अंहं हांव ना. कितले दीस जाले हाली म्हाका साणून एकलीच भोंवता ती. पयलीं म्हाका सांडून केन्नाच वचनाशिल्ली ! आतां मात हांव तिका सोलपी न्हय" - अशें म्हणत रुपालीच्या दोनांय पायांच्या मदीं सरून तिच्या कमराक घट्ट वेंग मारली.

'मम्मी पप्पा म्हणटालो तूं देवागेर गेल्या म्हूण देवान केन्ना हाडून पायली तुकां ? दुसले फावट वतना म्हाका शांग आं ? हांवूय येतां."

'शाण्यां तशें म्हणचें न्हय आं ?" - ताच्या कपलाचो उमो घेयत रुपालीन म्हाका पळयलें. हांव तर सामकोच घुस्पलों. रूपाली वांगडा काम करपी हेर वांगडयां आमकांच

पळयतालीं. कितें करचें तेंच म्हाका समजना जालें. तरी बळयां नेट हाडून हांवें रुपालीक सांगलें.

'तुमी सकल दवरात ताका. हांव व्हरतां. एकदा हट्टाक पेटलें जाल्यार सांगून करून आयकुपी कूळ न्हय तें. आवय नाशिल्लें चली न्हय ? मातशे लाड चड जाल्यात."

पूण त्या ल्हान हातानी मारिल्ली वेंग सोडोवपाक रुपालीच्या जिवार आयलें जातलें. घडये त्या वेंगेंतल्यान शिल्पाची आवयच्या मोगाची आस ताका कळ्ळी बी जांवये!"

"एक विचारुं?" शिल्पाच्या फाटीर मोगान हात भोंवडायत रुपालीन म्हाका विचारलें.

"बरे भशेन." रुपालीचे कितेंय आयकुपाची म्हजी तयारी आशिल्ली.

"तुमची परवानगी आसा सारखी जर जायत, जाल्यार शिल्पाक हांव आमच्या घरा व्हरतां. तशें भिवपाची कांयच गरज ना. रुपाली हें म्हजें मायचेवयलें नाव. म्हजें खरें नांव निर्मला नायक. हांगा पणजेतूच आमचो प्लॉट आसा. हांव म्हजो पत्तो दिता तुमकां पूण त्याचबरोबर तुमचोय पत्तो दियात म्हाका. फाल्यां सकाळी हांव स्वता म्हज्या गाडयेन ताका घरा हाडून पावोवपाचे उतर दितां" - रूपालीन सुचयलें.

खरें म्हळयार ही सुचोवणी म्हाका मात्तूय मानवली ना. पूण करतलो कितें ? शिल्पा तर म्हाका वळून पळोवपाक लेगीत तयार नाशिल्लें. म्हणटकूच कशीतरी म्हाका तडजोड करचीच पडली. म्हूण रुपालीचो पत्तो घेवन म्हजो पत्तो ताका दिलों.

"बरे तर. तूं येना मगों ? हांव चल्लों आं ?" अशें रुपालीक उद्देशून शिल्पाक सांगले आनी रुपालीचे उपकार आठोवन हांवे घरची वाट धरली.

"ट्रीन ऽऽऽ"

कांपणीच्या आवाजान हांव जागो जालों. पयलीं म्हाका दिसलें हाव सपनांत बी आसा काय कितें ? पूण शादूर जांव कान दिवन सारखो आवाज आयकलो खऱ्यानीच आमच्या दारावयली कापीण कोणटरी वाजयतालो. हांवें लायट पेटयली आनी हाताक आशिल्ली घड्याळ पळयली. फातोडेची साडेतीन वरां जाल्लीं. एदे फातोडेर कोणाक म्हजी गरज लागली काय ? असो विचार करीत हांवें दार काडलें. शिल्पाचो हात धरुन रूपाली दारांत उबे आशिल्लें ! वांगडा ताचो ड्रायव्हर आनी एक बायल मनीस आशिल्लीं. दरवट्या भायर धवी फियाट गाडी उबी केल्ली दिसताली.

"न्हीद म्हळयार कश्शेंच न्हिदना जालें. हांगां लोकांच्या घरांत कित्याक ? आमी आमच्या घरा या असो एक सारखो हट्ट धरिल्ल्यान म्हाका आतांच ताका घेवन येवचें पडलें." - भितर सरत रुपालीन आयिल्लें कारण सांगलें.

"I am so sorry गरजे भार तुमकां त्रास" हांवें खंत परगटायली.

हे मजगती शिल्पान रुपालीच्या हातांतलो आपलो कळवो हात सोडोवन घेवन ताच्या पायांक घट्ट वेंग मारिल्ली. पयली पदमाकय तें तशेंच वेंग मारी. पूण आता मेरेन शिल्पा खातीर रूपालीन खूब सोशिल्ल्या कारणान ताका आनीकय त्रास दिवप म्हज्या मनाक पटना जालें. म्हूण हांवें मनांत पक्के थारायलें, रडल्यार उपकारता. पूण कश्शेंय करून रूपालीक शिल्पाच्या कटकटीतल्यान मेकळें करूंक जाय! हांव मातसो फुडें गेलों आनी शिल्पाचे पांयांक वेंग मारिल्ले हात सोडोवपाचो यत्न केलो. पूण कांयच फायदो जालो ना. वयल्यान म्हज्या हातांक रुपालीच्या जांगडांची गोलाय सांसुपूची पडली. म्हूण तिडकीन हांवें शिल्पाचेर थापट मारलें. पूण त्यान पयलींच रूपालीन आपल्या मोवाळ हातानी शिल्पाची फाट लिपयल्ली देखून म्हजें थापट ताच्या हातार हांसो फुलिल्ल्यो.

"आरे चंद्रकांत तूं गाडी घेवन घरा वच. मागीर सकाळी आठांक सुमार व्हरपाक यो आमकां" - सुस्कार सोडीत रुपालीन आपल्या ड्रायव्हराक सांगलें आनी धब्ब करून सोफाचेर बसलें.

ड्रायव्हर गेल्या उपरांत हांवें आमची न्हिदपाची कुड रूपालीच्या ताब्यांत दिली आनी हांव भायले कुडीत सोफाचेर आड पडलों. मागीर केन्ना दोळो लागलो तो मात कळ्ळोच ना.

कांकणाचो आवाज आयकून हांवें दोळे उगडले. रूपाली च्याचें कर मेजार दवरतालें फाटल्यान शेपडी कशी शिल्पा आशिल्लेंच. किते घडले आसतलें हाचो रोकडोच हांवें अदमास केलो. आनी हाताची घड्याळ पळयली. सकाळची पावणें आंठ वरां जाल्लीं.

"तुमकां आतां कामाक वचपाक जांय, काय रजा काडपाचो विचार आसा?" रुपालीन विचारिल्ल्यान म्हाका फुडल्या त्रासाची जाण जाली.

"खरें म्हळयार एका म्हत्त्वाच्या कामाक लागून आयज म्हाका ऑफिसांत वचुंकूंच जाय. पूण शिल्पाचें कशें कितें करचें ? हो प्रश्न आसा. हरशीं आतां आजीबाय येवपाची जाली. पूण तिणें सांगलें म्हूण शिल्पा तुमकां सोडीत अशें दिसना म्हाका. हां, आतां अशें मात म्हज्यान करूं येता. ऑफिसाक वचून जाता तितलो बेगीन म्हज्यान येंव येता. पूण तो मेरेन तुमकां रावचें पटटलें. रावशात ? उपकार जायत" - रावत न रावत ह्या दुबावानूंच हांवें उतर घातलें.

“मदींच उपकाराची भास कित्याक हाडली तुमीं? तें मातशें बेजार जाल्ले भशेन देसलें.

‘हांव परत्या काळजाचें अशें दिसता काय कितें तुमकां? हांव शिल्पाची मम्मी न्हय जांव. पूण ताची मम्मी ह्या नात्यान ह्या घरांत भितर सरलां म्हणटकूच तें नातें म्हाका निभावचेंच पडले ना ? एक बायल मनीस जावं आवयच्या मोगाक आशेल्ल्या एका माणकुल्या खातीर हांव इतलेंय जर करूंक शकले ना. जाल्यार स्त्री जातीचो हांवें अपमान केल्ले भशेन जातलो. आनी खरें सागू ? तुमचें पोर खूब मायेस्त हातूंत दुबाव ना. एके रातशात म्हाका ओड लायली. आवयच्या मोगाचो झरो फुटला काय कितें अशें म्हाका दिसपाक लागलां. तुमी सुसेगाद ऑफिसाक वचात. ड्रायव्हर आयलो म्हणटकूच हांव शिल्पाक घेवन आमगेर वतांत तांकाय म्हणून सगळें सांगूंक जाय न्हय ? ना जाल्यार घरची हुस्को करीत रावतलीं. सांजची मेळया मागीर” - रूपालीन ठाकठीक सगळें जाग्यार उडयलें.

आठांक सुमार आजीबाय आयली. हांवें तिका रुपालीची वळख सांगली आनी नाचाक गेल्लेकडेन आनी घराकडेन घडिल्ल्यो सगळयो घडणुको सांगल्यो. रूपालीक पळोवन तिवूय बरीच खोशी दिसपाक लागली.

साडे णवांक सुमार हांव ऑफिसाक वचपाक भायर सरलों. वाटभर हांव रूपालीविशींच चित्तालों

“कितल्या सहजतायेन लागीं आयलीं आमी ? सिनेमांतल्या एकाद्या भावनाप्रधान प्रसंगा भशेन! हो फाटल्या जन्माचो ऋणानुबध्द बी न्हय मूं ? चितून म्हजे भितर हांव हांसलों.

हरशी शिल्पाक आवयची गरज आसा हातूंत दुबाव ना. पूण सावत्र आवय आपल्या सवतीच्या भुरग्यांक दिता ती वागणूक पळयली आयकली जाल्यार आंगार कांटो फुलता. म्हूण शिल्पाचो विचार म्हाका पयलीं करूंक जाय. सददयाक तरी अशें दिसता की रूपाली शिल्पाक वेगळे उडोवचें ना. पूण दिसता तशें नासता म्हूण जग फसता अशी म्हूण आसा आमच्या जांणट्यांची.

आता ही ऋणानुबंध्द आमकां जिणेच्या खंयच्या मोडणार व्हरून उबो करता ते पळोवपाचें - चिंतीत हांव ऑफिसाची सोपणा चडपाक लागलों.

●

कुश्येंस

भूक, भूक भूक - असो कुत्रो भोंकिल्ले बशेन कांपिणिचो आवाज जालो आनी दूरदर्शन कार्यावळी वळोवपांत गूंग जाल्ल्या मदनान मातसो बेजार-जावनच दार काडलें.

"आवयस! तूं ह्या वेळार?" दारांत उबें आशिल्ल्या रसिकाक पळोवन अजापान ताच्या तोंडातल्यान उतरां भायर सरलीं.

"कित्याक? हांये वेळ काळ पळोवन येवपाक जाय आसलें ?' दोळे बिटबिटायत रसिकान विचारलें.

'तशें न्हय गो. पूण मनश्याक जेन्ना सटट करून कितेंय अपेक्षेभायलें दिस्टी पडटा तेन्ना तो कांय खीण बेठोच आबूज जाल्ले भशेन जायना ? तशें म्हजें जालें."

"म्हाका पळोवन आबूज जावप सारखें कितें आसा?" साडयेंच्यो मिरयो सांबाळीत परत तें हांसलें.

"ते फकत दादल्यांकच कळपाचें. तें आसूं, तुं आता भितर येता? काय हांगाच वाद घालीत रावपाचो विचार आसा?" हांसत मदनान फकाणा केलीं.

"वाट आडोवन तुमी दारांत उबे रावल्यार आमी भितर कशे येवपाचें ?" रसिकान चुक दाखोवन दिनाफुडें मदन कुशीन जालो आनी तें भितर सरलें.

"शर्मिला खंय ? भितरलें कुडींत पळयत रसिकान विचारलें.

"पयरूच तें कुळारा गेलें, ताचो धाकटो भाव श्यामसुंदर आयिल्लो ताका व्हरपाक. हो आठवो म्हयनो चलता ताका" - मदनान याद करून दिली.

“जाणा. पूण तें कुळारा वचपाचें आसा हें ते दीस बाजारांत मेळिल्ली तेन्ना कोणेंच म्हणूंक ना. म्हाका खऱ्यानीच आज म्हजो दीस बरो ना दिसता. म्हूण वचत थंय चुकामूक जावपाक लागल्या. गरजे भायर हांवें त्रास दिले सारखे जालें. बरें येता हांव.” सकयल दवरिल्ली आपणाली पर्स आनी सत्री रसिकान हातांत घेतली.

“वचपाचें बरें आसा गो. पूण येदे रातचें कितें मेळटलें तुकां वचपाक ?” मदनान तांका वास्तवतेची जाण करून दिली.

“पणजे आसलें हांव. सावर्डे वचपाची निमाणी बस चुकील्ल्यान ही सगळी धांदळ जाली. टेंपो बी कितेंय मेळत म्हूण आगापुरच्या बस्सान हिंगा येयलें. पूण कांयच फायदो जालो ना. इतल्यान चक करून तुमची याद जाली. म्हटलें. तुमगेर गेले जाल्यार शर्मिलाची खबरूय मेळटली आनी बरे भशेन हुसक्या मेकळे रावपाकूंच मेळटले. अशे चिंतून घर सोदीत हांगा पावलें. पूण... ” - मदनाक उद्देशून तें आपले भितरूच उलयलें.

“आनी तरी आसतना आता परत वचपाची भास उलयता तूं न्हय?” मदन मातसो रागार जालो.

“हांगा तुमच्या वळखिचो असो मोटरसायकल पायलट बी कोण ना?”

“मोटर सायकल कित्याक ? म्हजी स्कूटर ना ? पूण हांव म्हणटां, आयज हांगा रावलें जाल्यार कितें अडटा? उलोवपाचो मदींच थारलो. आपणेन शिताफुडें मीठ खावपाचो यत्न केलो अशें ताका दिसलें.

रसिका मात वोगीच रावलें. मातसो रावून मदनूच फुडें उलयलो -

“आगो, वतलें वतलें म्हटलें म्हूण कोणागेर कोण पावता ? अशें कितेंय निमीत लागता. आतां तुकां जर ती बस चुकूंक नाशिल्ली जाल्यार तूं तरी हांगा खंय पावतलें आशिल्लें ? तेन्ना घडटा तें बऱ्या खातिरूच आनीक कांयच चितपाचें ना. आयज राव तूं हागांसर आनी फाल्या सुसेगाद वच मागीर” – मदनान आपलेपणान सांगलें.

रसिकाक तें पटलें. ताणे हातांत घेतिल्ली पर्स सत्री परत मेजार दवरली.

“बस आं” - मदन भितर गेलो आनी थंड सरबत घेवन भायर आयलो.

“हेची आनी कितें गरज आसली ?” ग्लास उबारून तोंडाक लायत रसिकान वयल्याचाराक म्हटलें.

“हें पळय, हांव एक तुकां पयलींच स्पस्ट सांगतां नाकां थंय आग्रो करपाची सवंय म्हाका ना. तेन्ना कित्याकुंच लजपाची गरज ना. हें तुज्याच भयणिचे घर अशें समज. कपडे बी बदलपाक तुज्यान हें कुडीचो वापर करूं येता.” मदनान आपल्या न्हिदपाच्या कुडी वटेन हात दाखयत सांगलें.

“तें बरें आसा” रसिकान तकली हालयली.

‘हांव मातसो बाजारांत वचून येतां’ - आंगार मुस्तायकी चडयत मदनान सांगलें.

“घरांत तांदूळ बी आसात?” रसिकान वासपूस केली.

“बायलांचे लक्ष रान्नीकडेन पयलीं अशें म्हणटात तें फट न्हीं. कांयच भिवपाची गरज ना. सगळें आसा. तू हातपांय बी धुवन घे. हांव रोकडोच बाजारांत वता आनी येता” – एक किटली घेवन मदन बेगिबेगीन भायर सरलो वतना आलमारिक चावी करपाक मात विसरलो ना. कारण आलमार न्हिदपाच्या कुडीन आशिल्ली आनी सरिकाच्या स्वभावाची ताका सारखी पारख नाशिल्ली.

रसिका! फकत सात आठ दीस पयलीं अचकीत बाजारांत मेळिल्ली शर्मिलाची गांव भयण.

ते दीस चालू तपासणी करून घेवपाक शर्मिलाक घेवन मदन दोतोरागेर गेल्लो. वखदाच्या आंगडितल्यान भायर सरता आसतनाच ‘शर्मिलाऽ’ म्हणून कोणेतरी उलो केलो.

घोवाच्या हाताक धरून चलपी शर्मिला थंयच थारलें. आनी फाटी वळून पळयलें. एका तरनाट्या वांगडा उबे आशिल्लें रसिका रस्तो हुपून शर्मिला वटेन येतालें.

“आवयस कितल्या तेपान दिस्टी पडलें गो तूं ? बरें मगो ? लग्नाक फटयलें तुवें म्हाका. पूण आतां लाडू मात घेतले बगर रावचे ना. हां ? कितले म्हयने ?” शर्मिलाचो हात हातांत घेवन आपले पणान रसिका ताची खबर घेवपाक लागलें. शर्मिला मेळिल्ल्यान ताका खूब खोस जाल्या हें ताच्या उतरा उतरातल्यान कळटालें. पूण शर्मिलाच्या तोंडार मात मात्तुय उमेद दिसनाशिल्ली.

“आठवो” - पोले फुगोवन सांगपाक जाय म्हूण शर्मिलान सांगलें.

“पोट बरें व्हडलें दिसता चलोच जातलो” - अर्दे उगडें पडिल्लें आपलें पोट

साड्येन लिपयत रसिकान फाकाणां केलीं. पूण शर्मिला हांसलें ना.

"भावोजिची वळख बी करून दिना?" - मुमुरखें हांसत रसिकान विचारलें आनी इतलो वेळ रसिकाक चोरून पळोवपी मदन साव कसो उबो रावलो. पूण सारखो आशिल्लो खांदावयलो साडयेचो पालव परतो परतो सारखो करून खऱ्यानीच तें आंगपांग धापता ? काय वेगळे तरेन कितेंतरी दाखोवपाचो यत्न करता ? असो मदनाक प्रस्न पडलो.

"हें रसिका. कारवारा आमच्या शेजाराकूच तांचे घर" - तटस्तपणान शर्मिलान रसिकाची आपल्या घोवाक वळख करून दिली.

"हॅलो" - मदनान तकली हालयली.

"हांगां खंय रावता तुमीं ?"मातशें लाडीन कशें रसिकान विचारलें.

"वयल्या बाजारांत ती भंगसाळ ना ? थंयच फाटले वटेन" - शर्मिलाच्या बदला मदनानुंच जाप दिली. मेंग्या दादाल्यांक पासून उबो करपाची तांक रसिकाच्या दोळयांत आसा अशें ताका दिसलें.

"यो मगों आमगेर केन्नाय" - सारखो पत्तो बी दियत मदनान फुडें सांगलें. पूण ताची नदर मात साड्येतल्यान दिसपी रसिकाच्या बोंबलेची खोलाय तोखेताली.

'येवया बाजाराक म्हूण जायते फावट येतात आमीं हांगां. इतले दीस तुमी खंय रावतात खबर नासली म्हूण पावंक नासलें. आता एक दीस मुद्दाम येवचे पडलें, बरें, येता हांव ओऽ तो रावत म्हाकां" रसिका बेगिबेगीन गेलें. कांय खिण मदन ताची फाटल्यानच्यान दिसपी आकृताय पळयत रावलो.

"आतां किते ताकांय पळयत रावपाचो विचार आसा?" शर्मिला तिडकलें आनी रागान टॅक्सी प्रासावटेन चलपाक लागलें.

"ख़ंय कोण कोणाक पळयता गो?" गडबडत मदनुंय सडसडीत ताच्या फाटल्यान चलपाक लागलो.

"घरा कडेन तुमचें बरे पटना दिसता ?" चलता चलता आपणाक दिसपी दुबाव मदनान उलोवन दाखयलो. कांयच उलयनासतना शर्मिलान मदनाचेर दोळे वटारलें.

"न्हय म्हळयार गांव भयण जांवनूंय तुवें ताका बरें हडकलि ना. म्हूण म्हणटां."

"तुमी हडकिलें न्हय ? पुरो हे विशीं आता आमीं चड ना उलयल्लीं बरी चेडी खयंची सगळो मूड पाड करून उलयलो" - शर्मिला पिकार जालें. ताची नाजूक भलायकी लक्षांत घेवंन मदन वोगीच रावलो.

"हरशीं, हें रसिका कोण?" टॅक्सींत बशिल्ले कडेन मदनान परत विशय काडलो.

"कोणूय जांव थंय पूण जाणा जावपाची तुमकां इतली उमळशीक कित्याक ?" शर्मिलान परती तपासणी केली.

"आगो उमळशीक कसली ? तुमच्या गांवचें म्हूण विचारतालो हांव इतलेंच आतां तुकां जर सांगपाचेंच ना जाल्यार हो विशय म्हाका तरी कित्याक जाय मडसरेक?

"मागीर वोगी रावात तर" - रागान सट करून शर्मिलान तोंड दुसरे वटेन फिरायलें. मागीरं मात घरा पावसर कोणूच उलयलो ना.

पुरो जाल्ल्यान घरा वचून शर्मिला खाटीर आड पडलें. मदनानुच शिताक कुकर बी लायलो. दनपारचें सुंगटाचें हुमण आनी तळिल्लीं काळुंद्रां आशिल्लीं. तिच हून करून तो शर्मिलाक उठोवपाक लागलो.

"म्हाका जेवणाक नाका. ग्लासभर दूद घेतां" - तें खाटीवयलें उठलें.

"तूं कित्याक उठटा? हांव दिता मगों" – मदनान मनातल्यान सांगलें.

"नाका तुमकांय हावूच वाडटा. कित्याक म्हूण कोण जाणा, येदोळ त्या रसिकाक पळोवन म्हजी तकली सामकी बेज्जार जाली. तो राग हांवे तुमचेर काडलो" - केंसाचो आंबाडो वळयत शर्मिला उठलें आनी रांदचे कुडींत गेलें.

"आवयचे इल्लेतरी गूण चलयेक येतात दिसता न्हय?" वाटयेंत हुमण वाडीत शर्मिलान मदनाक विचारलें. पूण ताणे हो प्रस्न आपणाक कित्याक विचारलो हें ना कळिल्ल्यान मदन वोगीच रावलो.

'हें रसिका देवळयांचें. आमचें कात्यायनी बाणेश्वराचें देवूळ ना ? ताका तेकुनच घर तांचें. आतां हागां शिरोड्या कोणा वांगडातरी रावता खंय. किते भांगरा सारखें भुरगें आशिल्ले जाणा? पूण वाट लावन घेतली. जातीर गेलें" शर्मिला सांगताले मदन मोन्यानी जेवतालो. पूण ताचे कान मात शर्मिला सांगता तितलेंय व्यवस्थीत आयकतलें.

"हरशीं भुरगेपणी घट इश्टीणी आमीं. शाळेंत वांगडाच वतालीं - येतालीं. शाळा

सुटटकूच देवळाकडेन वचपाचें निमीत करून हांव रसिकागेर खेळपाक वतालें. लिप चोरयां. कारण ती देवळयांची जाल्ल्यान तांगेर गेल्यार आवय उलयताली.

तांगेर एक दादलो येतालो. रसिका ताका काका म्हणटालें. येतना तो रसिकाक कपडे, खेळणी, खावपाक अशें खूब कितें कितें हाडटालो. जायते फावट तातुंतली इल्ली खावड म्हज्याय हातार पडटाली. आनी हेंच आमचे आईक आवड नाशिल्लें.

हांव रसिकागेर खेळपाक वता हें एक दीस कशेंतरी आईक कळ्ळें. तिणे म्हज्या केस्टांक धरून सणसणीत तीन चार थापटां फाटीर ओडलीं. आनी परत तांगेर खळेपाक गेल्लें दिस्टी पडलें जाल्यार दोळयांत मिरसांग भरतली, दाग दितली असो भंय घातलो तेन्नाच्यान हांवे रसिकागेर वचपाचें कायमचें बंद जालें पूण शाळेंत मात आमची अिश्टागत पयली सारखीच चालू उल्ली. कारण तें शिकपाक खूब हुशार आशिल्लें आनी अभ्यासांत ताचो म्हाका खूब आदार जातालो.

फुडें एस. एस. सी जावन देड दोन वर्सानी तें आपल्या कोणा सोयऱ्या वांगडा सर्विसेक म्हूण गोंयां आयलें आनी तेन्नाच्यान खूब बदललें सद्या कसली सर्विस करता देव जाणा. पूण खूब नाचरे जालां अशें आयकलां हांवें तेन्नाच्यान ताका पळयल्यारूनच म्हाकां दोळे फोडून तिडक मारता. येदोळ पळोवंक ना तुमी कशें फुडें फुडें करतालें तें....."

"आरे मदन, किटली घेवन खंय वयता रे ?" स्कुटरीवयल्यान वतना विलीयमान मदनाक हडकिलो. आनी तो सावसूद जालो. हॉटेलांतल्यान दोन प्लेट मटण व्हरपाक म्हणून तो किटली घेवन भायर सरिल्लो. पूण चितनाच्या तंद्रेंत हॉटेल काडून फुडें पावलो तरी बाबडो चलत आशिल्लो.

मटण घेवन मदन घरा परतलो. रसिका दूरदर्शन कार्यावळी पळयतालें ताणे शर्मिलाची मेक्सी घातिल्ली.

"व्वा. शर्मिला परस तुका बरी सोबून दिसली हयती मेक्सी. पूण मातशी घट जाली काय दिसता" - एक दोळो मातसो बारीक करीक मदनान फकाणा केलीं.

"च्या वोगीच सांगता तुमीं" मुरगडत रसिका मातशें लजलें. ताच्या थानाची उबारी आनी भेंडाची रूंदाय मदनाच्या दोळयांतल्या सुटली ना.

"शीत रांधून दवरला हायें. कालोवपाक कितें करपाचें ?" - रसिकान विचारलें.

'ताची जाप हे किटलें आसा'' - ल्हव पोल्यार थापटी मारीत मदनात किटली रसिकाच्या हातात दिली.

'तुमच्या फाटल्यान एक मोठीशी बायल आयिल्ली हांगा. वाटी भर शाक भाजी दिवन गेली.''

''दिता ती म्हाका तशी खूब फावट. पूण किंतें विचारी?'' शेवतें आका येवन गेलें हें मदनान वळखलें. तें नाका तेन्ना नाका थंय ज्यूस्त पावता. हाचेंच मदनाक अजाप दिसलें.

''हांव खंयचें ? कोण ? केन्ना आयल्लें ? केन्ना वयतलें ? असल्यो खूब बारीक बारीक प्रस्न विचारताली. ती. काय न्हय म्हटल्यार पंदरा वीस मिनटां उलयली ती म्हज्या लागी

''पाड पडली तशें जाल्यार. आतां तूं हागां आयिल्लें आनी राविल्लें खबर तिखट मीट लावंन आख्ख्या वाड्यार पातळयतली.''

''पळयलें ? शर्मिला नासतना हांवें हांगा रावप बरोबर न्हय म्हूण पयलींच म्हणिल्लों हायें, पूण तुमी एक सारको आग्रोच केलो आनी म्हाकाय मेल्ल्याक दुसरो उपाय नासल्यांन तुमचो आग्रो मान्य करचो पडलों. पूण लोकांक मात उलोवपाक तोंड जालें''– रसिका आपले भितर कुणकुणपाक लागलें.

'आसूं गो लोकांचें किंतें घेवन बसलां तूं ? लोकाचें कितलें आयकुपाचें हाकां सीमं मेर आसता'' - मदनानी रसिकाक धीर दिलो पूण रसिकाचे समाधान जालें ना. दुसरे फावट तरी असली चूक आपण कडल्यान परती घडपाक जायना अशें स्वताक समजायत किटली घेवन तें रांदचे कुडींत गेलें.

जेवन खावन जातकूच एका बऱ्या अनवाळया दादल्या बशेन मदनान आपली शेंदरी भायले कुडींत घातली आनी न्हिदपाची कूड रसिकाच्या ताब्यांत दिली. हरशीं ते कुडीक दार नाशिल्लेंच फकत पडदो आशिल्लों.

लायट पालोवन वरभर जालें तरी मदनाच्या दोळयाक दोळो लागना जालो. शर्मिलान सांगिल्लीं रसिकाची चलणूक थोड्या वेळा पयली ताणे पळयल्ली ताची उबार थाना, पिशें लावपी रूंद भेंड परत परत मदनाच्या दोळया मुखार नाचपाक लागलें. तो

उठलो आनी रसिका न्हिदिल्ल्या कुडीचो पडदो ताणे अचळय कुशीन केलो.

कुडीत झिरो बल्ब पेट्टालो दोळ्यांर आडवो हात धरून रसिका खाटीर उदारें न्हिदिल्लें. स्वासा बरोबर ताची थाना वयर सकयल जातालीं पळयतां पळयता मदनाच्या शिरंतरानी उजो सो व्हांवपाक लागलों. कानसुलां तापली आनी फाटलो फुडलो विचार करिनासतना ताणे रसिकाच्या आंगार हात घातलो.

'नाका भावोजी" एकाच नेटान मदानाच्या हातांतल्यान आपणाक सोडोवन घेयत रसिका उठून बसलें.

"व्हेदोळच्यान म्हज्या आंगार खेळपी तुमची नदर पळोवन अशे कितेतरी घडटलें हाची म्हाका खात्रीच आसली. हांव तुमकां दुशण दिना. दादल्यांचो स्वभांवूच तो. हरशीं कोणुय जाल्लों जाल्यार म्हाका पर्वाच नासली. दादल्याक भिवपासारखें म्हजेकडेन कांय ना एकाद्रो मस्तो भुरगो आंगार खेळटा अशें समजतलें आसलें हाव. पूण शर्मिलाचो घोव म्हाका म्हज्या खाशा भावा समान देखून चुकून लेगीत म्हजेकडल्यान कसलीच आगळीक जावंक जायना हाची जापसालदारकी म्हजी. शर्मिलाच्या पोल्याक तोंड सोडूच, सादो हात लेगीत लायत जाल्यार पातक फुटटलें म्हकां हांव जाणा, सददया तें म्हजो दुस्वास करता. तें तशें कित्याक करता हें म्हाका खबर ना. एक दीस ही सगळी काणी शर्मिलाक सांगपाकुच जाय म्हाका. कारण शर्मिला म्हजी अिश्टीणूच न्हय तर म्हजी खंयच्यातरी जल्माची भयण अशें म्हाका दिसता. देखून हांव हांत जोडून तुमचेकडेन मागता. म्हज्या म्हऱ्यांत येवं नाकात. येवश्यात जाल्यार शर्मिलाचो सोपून आसा तुमकां" उलयत उलयत पोश्यांत तोंड लिपोवंन तें रडपाक लागलें. ताच्या माथ्यावयल्यान मायेन हात भोंवडांवन आपणाली चूक कबूल करची अशें मदनाक मनांतल्यान दिसलें. पूण ताका आपणालीच लज शी दिसपाक लागली. देखून जाप कांडिनास्तना वोग्गी वचून तो आपणाल्या हातुण्णार आड पडलों.

●

वामन गोविंद टाकेकार

- जल्म - १ मे १९५२ बेतूल-गोंय हांगां
- ऑक्टोबर १९७३ सालासांवन 'फोमेंतो' ह्या मिनाच्या कंपनीत कॅमिस्ट म्हूण कामाक.
- सद्या 'बांदेकार ब्रदर्स' ह्या मिनाच्या कंपनित पाळये कोठंबी हांगां प्लॉट इंचार्ज म्हूण काम करता.
- साबार कथा आकाशवाणी पणजे केंद्रावयल्यान प्रसारीत जाल्या.
- 'फोंडणी फोव' ह्या आकाशवाणीच्या पणजी केंद्राच्या नावाजत्या कार्यावळींत विनोदी बरपावळ सादर केल्या.
- आकाशवाणी कलाकार म्हूण वावर.
- कुळागर कथा सर्तिनीं शिकवण, प्लॉट, मिरास, न्हवरो या कथांक अनुक्रमान पयलें, दुसरें, तिसरें आनी उत्तेजनार्थ इनामां फावो जाल्यात.
- कोंकणी वर्सूकी अंकांत बरप केलां.

जैत प्रकाशन